शिक्षण संचालनालय, गोंय सरकार

# सुलभ गोमंत भारती

## कोंकणी – पुस्तक तिसरें

### यत्ता सातवी

२०१५

शिक्षण संचालनालय, गोंय सरकार

सुलभ गोमंत भारती

कोंकणी – पुस्तक तिसरें

यत्ता सातवी

२०१५

© शिक्षण संचालनालय, गोंय सरकार, पर्वरी-गोंय.

मुद्रण : २००६
पुनर्मुद्रण : २००७
पुनर्मुद्रण : २००८
पुनर्मुद्रण : २००९
पुनर्मुद्रण : २०१०
पुनर्मुद्रण : २०११
पुनर्मुद्रण : २०१२
पुनर्मुद्रण : २०१३
पुनर्मुद्रण : २०१४
पुनर्मुद्रण : २०१५

**उजवाडावपी**

शिक्षण संचालक,
शिक्षण संचालनालय,
पर्वरी, गोंय.

**निर्मिती**

राज्य शिक्षणशास्त्र संस्था
पर्वरी, गोंय

**छापपी**

गणेश प्रिंटर्स
ई-४, न्यू को-ऑप. सोसायटी,
वाय. पी. पोवार नगर,
कोल्हापूर - ४१६००८
फोन. : ९८२२५५३३९४

## निवेदन

भारत सरकारच्या नव्या राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाक धरून गोंयचे राज्य शिक्षणशास्त्र संस्थेन यत्ता पांचवी ते सातवी ेरेनचो नवो अभ्यासक्रम तयार केल्लो आसा. तो जून १९९४ पसून गोंयच्या सगल्या शाळांभितर लागू केला, हें तुमी जाणा आसतलेच.

१९९४-९५ वर्सा यत्ता पांचवेचीं पाठ्यपुस्तकां तयार करून तीं शाळांनी लायलीं. ताचो ुडलो पांवडो म्हणल्यार (१९९५-९६) ह्या वर्सा सवेचीं पाठ्यपुस्तकां तयार करून ती शाळांनी लायलीं आनी अंदू (१९९६-९७) वर्सा यत्ता सातवेचीं पाठ्यपुस्तकां तयार केल्यांत.

हे येवजणेखाला यत्ता सवेखातीर केल्लें 'कोंकणी (तिसरी भास) सुलभ गोंत भारती- पुस्तक तिसरें' हे पुस्तक तुच्या हातांत दिता असताना आकां उपाट खोस जाता.

राज्य शिक्षणशास्त्र संस्थेच्या अभ्यासक्र विकसन कक्षान तयार केल्लें हे पाठ्यपुस्तक शिक्षकांक आनी विद्यार्थ्यांक भाशेविशींची क्षताय विकसीत जावचे नदरेन उपेगी पडटलें असो विस्वास आसा.

पर्वरी, गोंय.

शिक्षण संचालक
शिक्षण संचालनालय,
पर्वरी, गोंय.

© शिक्षण संचालनालय, गोंय सरकार, पर्वरी-गोंय.

मुद्रण : २००६
पुनर्मुद्रण : २००७
पुनर्मुद्रण : २००८
पुनर्मुद्रण : २००९
पुनर्मुद्रण : २०१०
पुनर्मुद्रण : २०११
पुनर्मुद्रण : २०१२
पुनर्मुद्रण : २०१३
पुनर्मुद्रण : २०१४
पुनर्मुद्रण : २०१५

**उजवाडावपी**

शिक्षण संचालक,
शिक्षण संचालनालय,
पर्वरी, गोंय.

**निर्मिती**

राज्य शिक्षणशास्त्र संस्था
पर्वरी, गोंय

**छापपी**

गणेश प्रिंटर्स
ई-४, न्यू को-ऑप. सोसायटी,
वाय. पी. पोवार नगर,
कोल्हापूर - ४१६००८
फोन. : ९८२२५५३३९४

## निवेदन

भारत सरकारच्या नव्या राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाक धरून गोंयचे राज्य शिक्षणशास्त्र संस्थेन यत्ता पांचवी ते सातवी मेरेनचो नवो अभ्यासक्रम तयार केल्लो आसा. तो जून १९९४ पसून गोंयच्या सगल्या शाळांभितर लागू केला, हें तुमी जाणा आसतलेच.

१९९४-९५ वर्सा यत्ता पांचवेचीं पाठ्यपुस्तकां तयार करून तीं शाळांनी लायलीं. ताचो फुडलो पांवडो म्हणल्यार (१९९५-९६) ह्या वर्सा सवेचीं पाठ्यपुस्तकां तयार करून ती शाळांनी लायलीं आनी अंदू (१९९६-९७) वर्सा यत्ता सातवेचीं पाठ्यपुस्तकां तयार केल्यांत.

हे येवजणेखाला यत्ता सवेखातीर केल्लें 'कोंकणी (तिसरी भास) सुलभ गोमंत भारती- पुस्तक तिसरें' हे पुस्तक तुमच्या हातांत दिता असताना आमकां उपाट खोस जाता.

राज्य शिक्षणशास्त्र संस्थेच्या अभ्यासक्रम विकसन कक्षान तयार केल्लें हे पाठ्यपुस्तक शिक्षकांक आनी विद्यार्थ्यांक भाशेविशींची क्षमताय विकसीत जावचे नदरेन उपेगी पडटलें असो विस्वास आसा.

पर्वरी, गोंय.

शिक्षण संचालक
शिक्षण संचालनालय,
पर्वरी, गोंय.

# १. येतात तितले येवंदी बाण

येतात तितले येवंदी बाण । मनांत आमच्या जेजू राम ।।
नानक अल्ला महावीर बुद्ध । हेच आमगेले प्राण ।। धृ ।।

अमर अकबर अँन्थनी । मुमताज मेरी शालिनी ।।
राखण करूंक देशाची । एकठांय सगळे जाण ।। १ ।।

फूट आमच्यांत घालतले । तेच फाल्यां रडटले ।।
तेज भरलां सुर्याचें । आमच्या एकचारांत ।। २ ।।

फाटी यादी ध्येय फुडें । नव्या युगाचे आमी गडे ।।
कर्तृत्वान आमी राखतले । भारत माँचो मान ।। ३ ।।

–भरत नायक



# १. येतात तितले येवंदी बाण

येतात तितले येवंदी बाण । मनांत आमच्या जेजू राम ।।
नानक अल्ला महावीर बुद्ध । हेच आमगेले प्राण ।। धृ ।।

अमर अकबर अँन्थनी । मुमताज मेरी शालिनी ।।
राखण करूंक देशाची । एकठांय सगळे जाण ।। १ ।।

फूट आमच्यांत घालतले । तेच फाल्यां रडटले ।।
तेज भरलां सुर्याचें । आमच्या एकचारांत ।। २ ।।

फाटी यादी ध्येय फुडें । नव्या युगाचे आमी गडे ।।
कर्तृत्वान आमी राखतले । भारत माँचो मान ।। ३ ।।

–भरत नायक

१

# २. कोलो बूद शिकलो

एक आसलो कोलो.

तो एका रानांत रावतालो.

रानाकतेंकून बाबग्यान एक मळो केल्लो. बाबगो दर वर्सा त्या मळ्यांत काळंगांच्यो बियो लायतालो. काळंगां मोटीं जातकच कोलो येवन तीं खातालो. बाबगो बाबडो कोल्याक भेंकडावपाक मळ्यांत बावलें लायतालो पूण कोलो त्या बावल्याक भीक घालिनासलो.

एक वर्स बाबग्यान बरे जातीचीं काळंगां लायलीं. दिसपट्टो मळो शिंपलो. कोलो भितर सरचो न्हय म्हणून मोट्यो बडयो आनी खुंटे लावन मळ्यांभोंवतणी घट्ट वंय केली. व्हडलें बावलें लायलें.

कांय दिसांनी मोटीं जाल्लीं काळंगां पळोवन बाबगो खुशालभरीत जालो. पूण कोल्याची याद जायनाफुडें ताच्या काळजांत खप्प जालें.

इतलो कडक पारो दवरूनलेगीत एके राती कोल्यान वंयेच्यो बडयो मोडून भितर रिगपाक वाट केलीच. काळंगांचेर ताव मारलो आनी उजवाडचेआदीं रानांत पळ्ळो.

वंयेक केल्लो बुराक पळोवन बाबगो चुरचुरलो. कोल्याचो ताका चडूच राग आयलो. ताका कशी बूद शिकोवची तें बाबग्याक समजना जालें. येवजून येवजून ताणें एक मांडणी काडली. ताणें कोल्यान केल्ली वाट बंद केली ना. थंयच एके बडयेक एक फातर हुमकळायलो. पोंदा एक लात दवरलें. फातराक बांदिल्ली दोरी सकयल सोडटकच फातर लातार आदळटालो आनी मोट्टो आवाज जातालो. रातच्या वेळार दोरयेचें एक पोंत हातांत घेवन बाबगो माचणार न्हिदतालो आनी जागो जालो म्हणटकच लात वाजयतालो.

ते राती कोलो बुराकाकडेन आयलो. लाताचो आवाज आयकून तो मातसो भियेलो. बुराकाभायरच बसून रावलो. बऱ्या ऽ वेळान लात वाजपाचें बंद जालें. कोलो कूय ऽऽ करून उठलो. बाबगो जागो जालो आनी दोरी सकयल सोडली. ढूम्म... असो लाताचो आवाज आयकून कोलो आशिल्लो तसो बुराकाकडेन बसलो. कांय वेळान ताणें परतून कूयऽऽ केलें. परतून ढम्म.... जालें. अशे तरेन धायेक फावटी कोल्यान कुयेली घाल्यो.



# २. कोलो बूद शिकलो

एक आसलो कोलो.

तो एका रानांत रावतालो.

रानाकतेंकून बाबग्यान एक मळो केल्लो. बाबगो दर वर्सा त्या मळ्यांत काळंगांच्यो बियो लायतालो. काळंगां मोटीं जातकच कोलो येवन तीं खातालो. बाबगो बाबडो कोल्याक भेंकडावपाक मळ्यांत बावलें लायतालो पूण कोलो त्या बावल्याक भीक घालिनासलो.

एक वर्स बाबग्यान बरे जातीचीं काळंगां लायलीं. दिसपट्टो मळो शिंपलो. कोलो भितर सरचो न्हय म्हणून मोट्यो बडयो आनी खुंटे लावन मळ्यांभोंवतणी घट्ट वंय केली. व्हडलें बावलें लायलें.

कांय दिसांनी मोटीं जाल्लीं काळंगां पळोवन बाबगो खुशालभरीत जालो. पूण कोल्याची याद जायनाफुडें ताच्या काळजांत खप्प जालें.

इतलो कडक पारो दवरूनलेगीत एके राती कोल्यान वंयेच्यो बडयो मोडून भितर रिगपाक वाट केलीच. काळंगांचेर ताव मारलो आनी उजवाडचेआदीं रानांत पळ्ळो.

वंयेक केल्लो बुराक पळोवन बाबगो चुरचुरलो. कोल्याचो ताका चडूच राग आयलो. ताका कशी बूद शिकोवची तें बाबग्याक समजना जालें. येवजून येवजून ताणें एक मांडणी काडली. ताणें कोल्यान केल्ली वाट बंद केली ना. थंयच एके बडयेक एक फातर हुमकळायलो. पोंदा एक लात दवरलें. फातराक बांदिल्ली दोरी सकयल सोडटकच फातर लातार आदळटालो आनी मोट्टो आवाज जातालो. रातच्या वेळार दोरयेचें एक पोंत हातांत घेवन बाबगो माचणार न्हिदतालो आनी जागो जालो म्हणटकच लात वाजयतालो.

ते राती कोलो बुराकाकडेन आयलो. लाताचो आवाज आयकून तो मातसो भियेलो. बुराकाभायरच बसून रावलो. बऱ्या ऽ वेळान लात वाजपाचें बंद जालें. कोलो कूय ऽऽ करून उठलो. बाबगो जागो जालो आनी दोरी सकयल सोडली. ढूम्म... असो लाताचो आवाज आयकून कोलो आशिल्लो तसो बुराकाकडेन बसलो. कांय वेळान ताणें परतून कूयऽऽ केलें. परतून ढम्म.... जालें. अशे तरेन धायेक फावटी कोल्यान कुयेली घाल्यो.

२

दर खेपेक लात वाजतालें. कोलो येवजूंक पडलो. 'आयज म्हाका एकलेगीत काळींग खावंक मेळना दिसता. गेल्यार बरों.' अशें म्हणून तो वचपाक उठलो. वचचेपयलीं एक व्हडान कूय घाली. पूण ह्यावेळार लात वाजलेंना. कोलो फुल्लो. ताणें भितभित बुराकांतल्यात मळ्यांत पांय दवरलो आनी अदमास घेतलो. लाताचो आवाज जायनासो पळोवन मनांत म्हणलें, 'डुबेडुबें न्हिदलेंशें दिसता.'

आवाज करिनासतना ताणें काळंगांचेर यथेश्ट ताव मारलो.

सकाळींफुडें धायेक मोट्या मोट्या काळंगांचो जाल्लो इबाड पळोवन बाबगो निरशेलो. हो कोलो अख्ख्या मळ्याची वाट लायतलो अशें ताका दिसलें. कोल्याच्या ह्या मस्तेप-णाचेर ताणें दोन दीस माथें खरपिलें. तिसरे दिसा एका जाणटेल्यान ताका एक उपाय सांगलो. तो उपाय बाबग्याक मानवलो. तो तयारेक लागलो.

रानांत वचून ताणे एका झाडाचो दीख हाडलो. सामको बिरेव कसो. काळो आनी पांकट. तो दीख ताणें एका मोट्याशा बुडकुल्याक बरो दाट थापलो. ताका बरे दोन दोळे आनी तोंड धव्या रंगान पितारलें. आनी बुडकुलो एका कोंड्याक घट्ट बांदून कोल्यान वयेंक केल्ले वाटेर उबो केलो. काळ्या बुडकुल्याचेर धवे दोळे उठून दिसताले.

सदचेभशेन मध्यान रातीर कोलो जिबली चाटीत आयलो. कूयऽऽ करून बुराकांत तकली घाली आनी मुखार बावल्याचे धवे दोळे पळोवन कांचवेलो. ते दोळे आपणाकूच पळयतात अशें ताका दिसलें. धीर करून तो बरोच वेळ त्या दोळ्यांक पळयत रावलो. पूण बावलें कांय हालनासलें. कोल्यान एक पावल फुडें मारलें, तरी बावलो हालना. तें पळोवन कोल्यान अडेचो नेट काडून म्हणलें, ''कोण रे तूं! कुशीक सर नाजाल्यार एक उडयतलों.''

दोळे हाल्ले नात. कोल्यान ताच्या पोल्यार एक दावखूल मारलें. दावखूल थंयच दसलें. कोल्यान ओडलें पूण दावखूल सुटना जालें.

''सोडटा काय ना? दुसरें उडयतलों आं!'' अशें म्हणून कोल्यान दुसरें दावखूल दुसऱ्या पोल्यार मारलें. तेंवय घट्ट दसलें.

कोलो मनांतल्यान भियेलो तरी म्हणूंक लागलो, सोडिना? ''खोंट मारतलो आं.''

कोल्यान खोंट मारली. खोंटय दसली. आतां मात कोलो सामको भियेलो. सुटपाचे



दर खेपेक लात वाजतालें. कोलो येवजूंक पडलो. 'आयज म्हाका एकलेगीत काळींग खावंक मेळना दिसता. गेल्यार बरों.' अशें म्हणून तो वचपाक उठलो. वचचेपयलीं एक व्हडान कूय घाली. पूण ह्यावेळार लात वाजलेंना. कोलो फुल्लो. ताणें भितभित बुराकांतल्यात मळ्यांत पांय दवरलो आनी अदमास घेतलो. लाताचो आवाज जायनासो पळोवन मनांत म्हणलें, 'डुबेडुबें न्हिदलेंशें दिसता.'

आवाज करिनासतना ताणें काळंगांचेर यथेश्ट ताव मारलो.

सकाळींफुडें धायेक मोट्या मोट्या काळंगांचो जाल्लो इबाड पळोवन बाबगो निरशेलो. हो कोलो अख्ख्या मळ्याची वाट लायतलो अशें ताका दिसलें. कोल्याच्या ह्या मस्तेप-णाचेर ताणें दोन दीस माथें खरपिलें. तिसरे दिसा एका जाणटेल्यान ताका एक उपाय सांगलो. तो उपाय बाबग्याक मानवलो. तो तयारेक लागलो.

रानांत वचून ताणे एका झाडाचो दीख हाडलो. सामको बिरेव कसो. काळो आनी पांकट. तो दीख ताणें एका मोट्याशा बुडकुल्याक बरो दाट थापलो. ताका बरे दोन दोळे आनी तोंड धव्या रंगान पितारलें. आनी बुडकुलो एका कोंड्याक घट्ट बांदून कोल्यान वयेंक केल्ले वाटेर उबो केलो. काळ्या बुडकुल्याचेर धवे दोळे उठून दिसताले.

सदचेभशेन मध्यान रातीर कोलो जिबली चाटीत आयलो. कूयऽऽ करून बुराकांत तकली घाली आनी मुखार बावल्याचे धवे दोळे पळोवन कांचवेलो. ते दोळे आपणाकूच पळयतात अशें ताका दिसलें. धीर करून तो बरोच वेळ त्या दोळ्यांक पळयत रावलो. पूण बावलें कांय हालनासलें. कोल्यान एक पावल फुडें मारलें, तरी बावलो हालना. तें पळोवन कोल्यान अडेचो नेट काडून म्हणलें, ''कोण रे तूं! कुशीक सर नाजाल्यार एक उडयतलों.''

दोळे हाल्ले नात. कोल्यान ताच्या पोल्यार एक दावखूल मारलें. दावखूल थंयच दसलें. कोल्यान ओडलें पूण दावखूल सुटना जालें.

''सोडटा काय ना? दुसरें उडयतलों आं!'' अशें म्हणून कोल्यान दुसरें दावखूल दुसऱ्या पोल्यार मारलें. तेंवय घट्ट दसलें.

कोलो मनांतल्यान भियेलो तरी म्हणूंक लागलो, सोडिना? ''खोंट मारतलो आं.''

कोल्यान खोंट मारली. खोंटय दसली. आतां मात कोलो सामको भियेलो. सुटपाचे

३

धडपडींत कोलो ओड्टा तितलो चड दसतालो. 'निमाणेकडेन ताची शेंपडी आनी तोंडलेगीत दसलें. कोलो खरशेलो पूण ताचें कांयच शाणेपण चल्लें ना. कोलो रातभर तसोच उरलो.

सकाळीफुडें बाबगो एक दांडो घेवन मळ्यांत आयलो.

''आरे चोरा, सदांच फटयतालो. आतां धरतां तुका. काळंगां जाय? खा पातोळ्यो!'' अशें म्हणून बाबग्यान कोल्याक बरोच शेपलायलो. आनी व्हरून सरकारच्या अभयारण्यांत दिलो.

आतां आसा थंय कोलो पांजऱ्यांत काडटा दीस काळंगांची याद काडीत!

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**भेकडावप–** भेश्टावप, **माचण–** मळ्यात उचायेर केल्ली बसका, **पारो–** राखण, **बिरेव–** डांबर, **कांचवेप–** भियेवप, **फुल्लो–** खोशी जालो. **शेंपलावप–** बडोवप, चोप दिवप.

**वाक्प्रचार :**

**भीक घालप ना –** भियेवप ना.
**दोळ्यांत तेल घालून राखप –** वड जागरूक रावप
**ताव मारप –** यथेश्ट खावप
**वाट लावप –** इबाड करप
**काळजांत खप्प जावप–** भियेवप
**माथें खरपप –** खूब विचार करप
**पातोळ्यो खावप –** मार खावप.

**टिपणी :**

**वंय –** आडव्यो उब्यो बडयो बांदून केल्ली आडवण.

**प्रस्न अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) मळ्यांतल्या काळंगाचो कोण इबाड करतालो?
२) बाबगो मळ्यांत बावलें कित्याक लायतालो?
३) मळ्यांत रिगपाक कोल्यान कशी वाट केली?
४) कोलो बुराकाभायर कित्याक बसून रावलो?
५) बावल्याचे दोळे पळोवन कोलो कित्याक कांववेलो?



धडपडींत कोलो ओड्टा तितलो चड दसतालो. 'निमाणेकडेन ताची शेंपडी आनी तोंडलेगीत दसलें. कोलो खरशेलो पूण ताचें कांयच शाणेपण चल्लें ना. कोलो रातभर तसोच उरलो.

सकाळीफुडें बाबगो एक दांडो घेवन मळ्यांत आयलो.

''आरे चोरा, सदांच फटयतालो. आतां धरतां तुका. काळंगां जाय? खा पातोळ्यो!'' अशें म्हणून बाबग्यान कोल्याक बरोच शेपलायलो. आनी व्हरून सरकारच्या अभयारण्यांत दिलो.

आतां आसा थंय कोलो पांजऱ्यांत काडटा दीस काळंगांची याद काडीत!

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**भेकडावप–** भेश्टावप, **माचण–** मळ्यात उचायेर केल्ली बसका, **पारो–** राखण, **बिरेव–** डांबर, **कांचवेप–** भियेवप, **फुल्लो–** खोशी जालो. **शेंपलावप–** बडोवप, चोप दिवप.

**वाक्प्रचार :**

**भीक घालप ना –** भियेवप ना.
**दोळ्यांत तेल घालून राखप –** वड जागरूक रावप
**ताव मारप –** यथेश्ट खावप
**वाट लावप –** इबाड करप
**काळजांत खप्प जावप–** भियेवप
**माथें खरपप –** खूब विचार करप
**पातोळ्यो खावप –** मार खावप.

**टिपणी :**

**वंय –** आडव्यो उब्यो बडयो बांदून केल्ली आडवण.

**प्रस्न अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) मळ्यांतल्या काळंगाचो कोण इबाड करतालो?
२) बाबगो मळ्यांत बावलें कित्याक लायतालो?
३) मळ्यांत रिगपाक कोल्यान कशी वाट केली?
४) कोलो बुराकाभायर कित्याक बसून रावलो?
५) बावल्याचे दोळे पळोवन कोलो कित्याक कांववेलो?

४

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) बाबगो आपणाल्या मळ्याची राखण कशी करपाक लागलो?
२) कोल्याक बूद शिकोवपाक बाबग्यान कसली मांडणी काडली?
३) जाणटेल्यान बाबग्याक कसलो उपाय सांगलो?
४) कोलो बावल्याक कसो दसलो?
५) कोलो हाताक सांपडटकच बाबग्यान किते केलें?
६) बाबग्यान कोल्याक निमाणे खंय पावयलो?

**भाशाकार्य :**

पाठांत आयिल्लीं धा नामां सोदून बरयात.

❑❑❑



**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) बाबगो आपणाल्या मळ्याची राखण कशी करपाक लागलो?
२) कोल्याक बूद शिकोवपाक बाबग्यान कसली मांडणी काडली?
३) जाणटेल्यान बाबग्याक कसलो उपाय सांगलो?
४) कोलो बावल्याक कसो दसलो?
५) कोलो हाताक सांपडटकच बाबग्यान किते केलें?
६) बाबग्यान कोल्याक निमाणे खंय पावयलो?

**भाशाकार्य :**

पाठांत आयिल्लीं धा नामां सोदून बरयात.

❑❑❑

# ३. आमच्यो परबो

चवथ, दिवाळी, नातालां आनी रमजान ईद ह्यो गोंयांतल्यो मुखेल परबो. सगळे गोंयकार ह्यो परबो व्हडा उमेदीन आनी एकचारान मनयतात.

पावसाचो नेट उणो जाता. शेतकार शेताच्या वावरांतल्यान मेकळो जाता. सगळे सैम पावचेंचार दिसता. मळब निवळ आसता तरी अदीं मदीं पावसाची दडक धतरेक न्हाणोवन वता. आनी अशा ह्या भाद्रपद म्हयन्यांत चवथींची परब येता. ही परब हिंदूंची आसली तरी आमचे किरिस्तांव भावलेगीत 'गणेसाची' वाट पळयतात.

चवथ ही गोंयची मुखेल परब. सगळे हिंदू भाव चवथीच्या बोवाळांत. घरांतले दादले चवथीचें सामान हाडूंक, घर रंगोवंक, मखर रंगोवंक गुल्ल तर बायलो खाणां करूंक. भुरगीं नवे कपडे आनी फोग हांची वाट पळयतात. चवथीचो दीस येता. घराघरांनी गणपतीची मूर्त पुजेक लायतात. झांजी-घुमटांचो आवाज, अभंगांचे सूर, उजवार्तीचो परमळ, जेवणांच्यो पंगती, पक्वानांचो घमघम, फोगाचो धुंवर हाणी आसमंत भरून वता. 'गणपती बाप्पा मोरया, फुडल्या वर्सा बेगीन मेळुया.' असो गजर करीत करीत ही खोशयेची परब केन्ना सोंपता हें कळलेगीत ना.






# ३. आमच्यो परबो

चवथ, दिवाळी, नातालां आनी रमजान ईद ह्यो गोंयांतल्यो मुखेल परबो. सगळे गोंयकार ह्यो परबो व्हडा उमेदीन आनी एकचारान मनयतात.

पावसाचो नेट उणो जाता. शेतकार शेताच्या वावरांतल्यान मेकळो जाता. सगळे सैम पावचेंचार दिसता. मळब निवळ आसता तरी अदीं मदीं पावसाची दडक धतरेक न्हाणोवन वता. आनी अशा ह्या भाद्रपद म्हयन्यांत चवथींची परब येता. ही परब हिंदूंची आसली तरी आमचे किरिस्तांव भावलेगीत 'गणेसाची' वाट पळयतात.

चवथ ही गोंयची मुखेल परब. सगळे हिंदू भाव चवथीच्या बोवाळांत. घरांतले दादले चवथीचें सामान हाडूंक, घर रंगोवंक, मखर रंगोवंक गुल्ल तर बायलो खाणां करूंक. भुरगीं नवे कपडे आनी फोग हांची वाट पळयतात. चवथीचो दीस येता. घराघरांनी गणपतीची मूर्त पुजेक लायतात. झांजी-घुमटांचो आवाज, अभंगांचे सूर, उजवार्तीचो परमळ, जेवणांच्यो पंगती, पक्वानांचो घमघम, फोगाचो धुंवर हाणी आसमंत भरून वता. 'गणपती बाप्पा मोरया, फुडल्या वर्सा बेगीन मेळुया.' असो गजर करीत करीत ही खोशयेची परब केन्ना सोंपता हें कळलेगीत ना.




६

चवथी उपरांत दिवाळी येता. शेतांत भांगरासारकें पीक पळोवन शेतकार खुशालभरीत जाता. तेच उमेदीन तो शेत लुंवता, भात मळटा आनी फोव कांडटा. घराघरांत भुरगे आकाशदिवे करतात. वाड्यावयले भुरगे एकठांय येवन नरकासूर करतात. नरकासूर हें वायट प्रवृत्तींचे प्रतीक. समाजांतल्यो वायट प्रवृत्ती नरकासुराच्या रूपान लासून उडयतात आनी पणट्यो पेटोवन बऱ्या प्रवृत्तींक येवकार दितात. सगलो वाठार पणट्यांच्या उजवाडान चकचकता.

दिवाळेदिसा तरातरांचे फोव करतात. रोसांतले, ताकांतले, दुदांतले, धयांतले, बटाटफोव तखशेफोव! ह्या फोवावांगडा आंबाड्या– करमेक कोण विसरत?

रोखडेंच लक्ष्मीपुजन. पसरकारांचेर लक्ष्मीपुजेचे तयारेचो बोवाळ पडटा. दर पसरकार लक्ष्मी पुजेक लायता. आनी भुरगीं प्रसादाखातीर गर्दी करतात.

डिसेंबरच्या निमण्या सप्तकांत ख्रिश्चन भाव नातालांची परब मनयतात. नातालांची तयारी खूब दीस आदींच सुरू जाता. घरांत वा घरामुखार गोठो करतात. तातूंच जुझे, मेरी आनी बाळक जेजूच्यो मूर्ती दवरतात. तशेंच घराघरांनी नखेत्रां लायतात. नातालांचो केक, दोस, बेबींक, नेवऱ्यो, मांडारे पळोवन तोंडाक उदक सुट्टा. नातालांचें मीस जाता. व्हडा संख्येन लोक इगर्जेत मिसाक वतात. मिसासावन येतकर एकमेकांगेर वचून नातालांची परबी दितात. नातालांच्या निमतान गांवा–गांवांनी गायनाच्यो, नखेत्राच्यो सर्ती, गोठ्यांचो सर्ती जातात.

मागीर येता रमजान म्हयनो. आमचे मुसलमान भाव हो म्हयनोभर उपास करतात. उपरांत चंद्राचें दर्शन घेवन उपास सोडटात. सगळेजाण नवे कपडे घालतात. मशिदींत वतात. थंय नमाज पढतात. रमजानाचें पक्वान म्हणल्यार 'शिरखुर्मा.' ह्या दिसा 'ईद मुबारक' म्हणून एकामेकाक परबी दितात.

फाल्गुन म्हयन्यांत नमन घालतकच धोलार बडी पडटा आनी शिमगो सुरू जाता. ल्हाना–व्हडांचेर खोशयेचो हुंवार येता. वचत थंय मेळ दिसतात. रोमटां, तालगडी हांच्या आवाजान धाय दिको भरून वतात. जाणटे–नेणटे व्हडा उमेदीन वांटो घेतातण पुनवे दिसा होळी. त्या दिसा एकमेकांचेर रंग, गुलाल मारतात. वर्सभराचें वायट तितलें होळयेच्या होमखणांत लासून उडोवन हिंदू लोक नितळ मनान नव्या वर्साक येवकार दितात.

जावं चवथ जावं वा ईद. परबो सगळ्यांक एकचाराची शिकवण दितात. ह्या निमतान सोयरे–धोयरे एकमेकांगेर पावतात. हांसून खेळून सगले परतून आपआपणाल्या कामाक लागतात. ह्यो



चवथी उपरांत दिवाळी येता. शेतांत भांगरासारकें पीक पळोवन शेतकार खुशालभरीत जाता. तेच उमेदीन तो शेत लुंवता, भात मळटा आनी फोव कांडटा. घराघरांत भुरगे आकाशदिवे करतात. वाड्यावयले भुरगे एकठांय येवन नरकासूर करतात. नरकासूर हें वायट प्रवृत्तींचे प्रतीक. समाजांतल्यो वायट प्रवृत्ती नरकासुराच्या रूपान लासून उडयतात आनी पणट्यो पेटोवन बऱ्या प्रवृत्तींक येवकार दितात. सगलो वाठार पणट्यांच्या उजवाडान चकचकता.

दिवाळेदिसा तरातरांचे फोव करतात. रोसांतले, ताकांतले, दुदांतले, धयांतले, बटाटफोव तखशेफोव! ह्या फोवावांगडा आंबाड्या– करमेक कोण विसरत?

रोखडेंच लक्ष्मीपुजन. पसरकारांचेर लक्ष्मीपुजेचे तयारेचो बोवाळ पडटा. दर पसरकार लक्ष्मी पुजेक लायता. आनी भुरगीं प्रसादाखातीर गर्दी करतात.

डिसेंबरच्या निमण्या सप्तकांत ख्रिश्चन भाव नातालांची परब मनयतात. नातालांची तयारी खूब दीस आदींच सुरू जाता. घरांत वा घरामुखार गोठो करतात. तातूंच जुझे, मेरी आनी बाळक जेजूच्यो मूर्ती दवरतात. तशेंच घराघरांनी नखेत्रां लायतात. नातालांचो केक, दोस, बेबींक, नेवऱ्यो, मांडारे पळोवन तोंडाक उदक सुट्टा. नातालांचें मीस जाता. व्हडा संख्येन लोक इगर्जेत मिसाक वतात. मिसासावन येतकर एकमेकांगेर वचून नातालांची परबी दितात. नातालांच्या निमतान गांवा–गांवांनी गायनाच्यो, नखेत्राच्यो सर्ती, गोठ्यांचो सर्ती जातात.

मागीर येता रमजान म्हयनो. आमचे मुसलमान भाव हो म्हयनोभर उपास करतात. उपरांत चंद्राचें दर्शन घेवन उपास सोडटात. सगळेजाण नवे कपडे घालतात. मशिदींत वतात. थंय नमाज पढतात. रमजानाचें पक्वान म्हणल्यार 'शिरखुर्मा.' ह्या दिसा 'ईद मुबारक' म्हणून एकामेकाक परबी दितात.

फाल्गुन म्हयन्यांत नमन घालतकच धोलार बडी पडटा आनी शिमगो सुरू जाता. ल्हाना–व्हडांचेर खोशयेचो हुंवार येता. वचत थंय मेळ दिसतात. रोमटां, तालगडी हांच्या आवाजान धाय दिको भरून वतात. जाणटे–नेणटे व्हडा उमेदीन वांटो घेतातण पुनवे दिसा होळी. त्या दिसा एकमेकांचेर रंग, गुलाल मारतात. वर्सभराचें वायट तितलें होळयेच्या होमखणांत लासून उडोवन हिंदू लोक नितळ मनान नव्या वर्साक येवकार दितात.

जावं चवथ जावं वा ईद. परबो सगळ्यांक एकचाराची शिकवण दितात. ह्या निमतान सोयरे–धोयरे एकमेकांगेर पावतात. हांसून खेळून सगले परतून आपआपणाल्या कामाक लागतात. ह्यो

७

परबो मनोवपाफाटल्यान एकूच हेत आसता. आमी सगळ्यांनी एकठांय येवन शारिरीक आनी मानसीक आळस फाफडून नवे उमदीन कामाक लागप.

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**पक्वानां–** तरकेवार खाणा, **प्रतीक–** कुरू, **वायट प्रवृत्ती–** वायट चाली, **होमखण–** उजो पटोवपाखातीर केल्लें कोंडाळें.

**वाक्प्रचार :**

**खोशयेचो हुंवार येवप –** उपाट खोस जावप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) आमच्यो खाशेल्यो परबो खंयच्यो?
२) चवथीची परब खंयच्या म्हयन्यांत येता?
३) नरकासुराक कसलें प्रतीक मानतात?
४) नातालांची परब केन्ना येता?
५) रमजानाचें पक्वान कितें?
६) ल्हाना–व्हडांचेर खोशयेचो हुंवार केन्ना येता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) चवथीची तयारी कशी करतात तें तुमच्या उतरांनी बरयात.
२) नरकासूर लासपाफाटल्यान कितें हेत आसता?
३) नातालांची परब कशी मनयतात?
४) रमजान ईदाचें वर्णन करात.

**इ) जोडयो जुळयातः–**

| अ | ब |
|---|---|
| घुमटांचो | सूर |
| अभंगाचो | भांगरासारकें |
| उजवातींचो | केक |
| फोगाचो | धुंवर |
| नातालांचो | पंगती |
| | परमळ |
| | आवाज |



परबो मनोवपाफाटल्यान एकूच हेत आसता. आमी सगळ्यांनी एकठांय येवन शारिरीक आनी मानसीक आळस फाफडून नवे उमदीन कामाक लागप.

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**पक्वानां–** तरकेवार खाणा, **प्रतीक–** कुरू, **वायट प्रवृत्ती–** वायट चाली, **होमखण–** उजो पटोवपाखातीर केल्लें कोंडाळें.

**वाक्प्रचार :**

**खोशयेचो हुंवार येवप –** उपाट खोस जावप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) आमच्यो खाशेल्यो परबो खंयच्यो?
२) चवथीची परब खंयच्या म्हयन्यांत येता?
३) नरकासुराक कसलें प्रतीक मानतात?
४) नातालांची परब केन्ना येता?
५) रमजानाचें पक्वान कितें?
६) ल्हाना–व्हडांचेर खोशयेचो हुंवार केन्ना येता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) चवथीची तयारी कशी करतात तें तुमच्या उतरांनी बरयात.
२) नरकासूर लासपाफाटल्यान कितें हेत आसता?
३) नातालांची परब कशी मनयतात?
४) रमजान ईदाचें वर्णन करात.

**इ) जोडयो जुळयातः–**

| अ | ब |
|---|---|
| घुमटांचो | सूर |
| अभंगाचो | भांगरासारकें |
| उजवातींचो | केक |
| फोगाचो | धुंवर |
| नातालांचो | पंगती |
| | परमळ |
| | आवाज |

८

**भाशाकार्य :**

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांतली सर्वनामां सोदून काडून बरयात.**

१. हें कशें तें तुका खबर ना.

२. कोण आयला भायर?

३. राजू म्हाका खूब आवडटा. ताचेसारको भुरगो ना.

४. रिटा एक बरें चली. ताका सवें वर्स लागलां. आमकां तें खूब आवडटा.

❑❑❑



**भाशाकार्य :**

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांतली सर्वनामां सोदून काडून बरयात.**

१. हें कशें तें तुका खबर ना.

२. कोण आयला भायर?

३. राजू म्हाका खूब आवडटा. ताचेसारको भुरगो ना.

४. रिटा एक बरें चली. ताका सवें वर्स लागलां. आमकां तें खूब आवडटा.

❑❑❑

# ४. सुटके झुजारी

१७ फेब्रुवारी १९५७ ची मध्यान रात. गुपाट काळखांत खांडेपारच्या दोंगरार सुरेश एका झाडापोंदा कामीलाची वाट पळयत बशिल्लो. दोगांयनी ह्या जाग्यार मेळपाचें थारायल्लें. बरोच वेळ जाल्लो तरी कामील पावूंक नाशिल्लो.

''कामील वाट चुकलो ना मूं?'' सुरेश दुबावलो. झिलिंतल्यान क र्र... कर्र असो खोलप्यांचो आवाज आयलो.

''कोण?'' ल्हव आवाजान सुरेशान विचारलें.

''हांव कामील.''

''आरे, कळाव कित्याक?'' सुरेशान ल्हवूच विचारलें.

''मातसो बोवाळ जालो.'' तितल्याच ल्हव आवाजान कामील उलोवंक लागलो. ''तूं कारखान्यांतल्यान भायर सरलो तेन्ना तुज्या फाटोफाट हांव भायर सरूंक सोदतालों इतल्यांत मॅनेजर आयलो.''

''सुरेश दिसना, खंय गेलो?'' ताणे विचारलें.

''म्हाका खबर ना.'' हांवें सांगलें.

''तूं कामार ना ही गजाल कारखान्यांत सगळ्यांक कळ्ळी. देखून म्हाका भायर सरप कठीण जालें. कामाची पाळी सोंपमेरेन रावचें पडलें. सगळें कामगार गेल्याउपरांत हांव हे वाटेन आयलों. ते आतां आसूं. हांव हांगा येतना वाटेर पुलिसांची कडक गस्त आशिल्ली.''

''तुका पुलिसांनी पळोवंक ना मरे?'' सुरेशान विचारलें.

''एका-दोगा पुलिसांनी हटकिलो. ''कामार आशिल्लों,'' अशें सांगून हांव लिपत-लिपत आडवाटेन हांगा आयलों. कालचेपरस पुलीस चडच दिसतात.''

''आमच्या कटाची खबर पुलिसांक कळ्ळीना मरे?'' कामीलान दुबाव उगतायलो.

''म्हाकाय तशेंच दिसता.'' सुरेश.

''कितेंय आसूं. थारायल्लेप्रमाण आयज काम करूयाच. चल कामील, कामाक लागुया.



# ४. सुटके झुजारी

१७ फेब्रुवारी १९५७ ची मध्यान रात. गुपाट काळखांत खांडेपारच्या दोंगरार सुरेश एका झाडापोंदा कामीलाची वाट पळयत बशिल्लो. दोगांयनी ह्या जाग्यार मेळपाचें थारायल्लें. बरोच वेळ जाल्लो तरी कामील पावूंक नाशिल्लो.

''कामील वाट चुकलो ना मूं?'' सुरेश दुबावलो. झिलिंतल्यान क र्र... कर्र असो खोलप्यांचो आवाज आयलो.

''कोण?'' ल्हव आवाजान सुरेशान विचारलें.

''हांव कामील.''

''आरे, कळाव कित्याक?'' सुरेशान ल्हवूच विचारलें.

''मातसो बोवाळ जालो.'' तितल्याच ल्हव आवाजान कामील उलोवंक लागलो. ''तूं कारखान्यांतल्यान भायर सरलो तेन्ना तुज्या फाटोफाट हांव भायर सरूंक सोदतालों इतल्यांत मॅनेजर आयलो.''

''सुरेश दिसना, खंय गेलो?'' ताणे विचारलें.

''म्हाका खबर ना.'' हांवें सांगलें.

''तूं कामार ना ही गजाल कारखान्यांत सगळ्यांक कळ्ळी. देखून म्हाका भायर सरप कठीण जालें. कामाची पाळी सोंपमेरेन रावचें पडलें. सगळें कामगार गेल्याउपरांत हांव हे वाटेन आयलों. ते आतां आसूं. हांव हांगा येतना वाटेर पुलिसांची कडक गस्त आशिल्ली.''

''तुका पुलिसांनी पळोवंक ना मरे?'' सुरेशान विचारलें.

''एका-दोगा पुलिसांनी हटकिलो. ''कामार आशिल्लों,'' अशें सांगून हांव लिपत-लिपत आडवाटेन हांगा आयलों. कालचेपरस पुलीस चडच दिसतात.''

''आमच्या कटाची खबर पुलिसांक कळ्ळीना मरे?'' कामीलान दुबाव उगतायलो.

''म्हाकाय तशेंच दिसता.'' सुरेश.

''कितेंय आसूं. थारायल्लेप्रमाण आयज काम करूयाच. चल कामील, कामाक लागुया.

१०

सामान हांव घेतां.'' अशें म्हणून दोगय काळखांतल्यान वाटेक लागले.

सुरेश फोंडें म्हालांतल्या केरी गांवचो. अनंत केरकर हांच्या पांच भुरग्यांतलो तिसरो पूत. सुरेशाचें मुळावें शिक्षण गोंयांत जालें. त्या वेळार मॅट्रीकच्या शिक्षणाची सोय गोंयांत नाशिल्ली. तेखातीर फुडल्या शिक्षणाक बापायन ताका मुंबय धाडलो. थंय मॅट्रीकची परिक्षा पास जावन तो गोंयांत परतलो. त्या वेळार गोंयचे सुटके चळवळीक नेट आयिल्लो. गोंयच्या कितल्याशाच तरनाट्यांनी हे चळवळींत वांटो घेतिल्लो. सुरेशाचें मन तेवटेन ओडपाक लागलें. गोंयचे सुटकेखातीर आपणेय कितें तरी करचें अशें ताका दिसपाक लागलें. ह्याच दिसांनी सुरेशाक बापायन फोंड्या, फस्कांच्या कारखान्यांत कामाक लायलो. थंयच कामीलाकडें इश्टागत जाली. दोगूय एकाच विचाराचे.

कामील गांवान मुशेर-बांदोडेचो. ताच्या बापायचें नांव जुझे आनी आवयचें नांव मारीया. कामीलाक दोन भाव आनी तिगी भयणी. पुर्तुगेज भाशेंतले आठवी मेरेनचें शिक्षण ताणे म्हाड्डोळचे शाळेंत घेतलें. उपरांत तो मुंबय गेलो. थंय ताणे कपडे शिंवपाचें काम केलें. कांय तेंपान तो गोंयांत परतलो. गोंयांत येतकच ताणें फस्कां-कारखान्यांत नोकरी धरली.

सुरेश आनी कामील दोगय 'गोंय मुक्ती संघटने'चे वांगडी जाले. पत्रकां वांटप, सुटके झुजाऱ्यांक गुपीत रकाद पावोवप अशीं दिसपाक सादीं पूण जोखमेचीं कामां ते करूंक लागले.

त्या वेळार केरी, सावय-वेरें, फोंडें हो वाठार सुटके झुजाऱ्यांचो तळ आशिल्लो. देखून ह्या वाठारांत कडक गस्त दवरिल्ली. मातलेगीत दुबाव आयलो जाल्यार गस्त वाडयताले.

कारखान्यांत कामाक आसताना दोगांयनी मेळून एक दीस एक 'कट' रचलो. खांडेपारच्या मुखेल पायपांतल्यान पुर्तुगेजांक उदकाची पूरवण जाताली. तें पायप फोडून पुर्तुगेजांचे उदकाविणे हाल करपाचे तांणी थारायलें. बाँब घालून पायप फोडपाची तयारी केली. त्याच कामाक ते वताले.

ते मुखेल पायपासरीं पावले. तांणी बाँब पुरलो. वायरी जोडपाचे तयारेंत आसतानाच पुर्तुगेजांच्या आर्मांच्यो गुळयो तांच्या हड्ड्यांत रिगल्यो. दोगय तरनाटे जमनीर कोसळ्ळे आनी जीव वता वता तांच्या तोंडांतल्यान 'जय हिंद' हीं उतरां आयलीं.



सामान हांव घेतां.'' अशें म्हणून दोगय काळखांतल्यान वाटेक लागले.

सुरेश फोंडें म्हालांतल्या केरी गांवचो. अनंत केरकर हांच्या पांच भुरग्यांतलो तिसरो पूत. सुरेशाचें मुळावें शिक्षण गोंयांत जालें. त्या वेळार मॅट्रीकच्या शिक्षणाची सोय गोंयांत नाशिल्ली. तेखातीर फुडल्या शिक्षणाक बापायन ताका मुंबय धाडलो. थंय मॅट्रीकची परिक्षा पास जावन तो गोंयांत परतलो. त्या वेळार गोंयचे सुटके चळवळीक नेट आयिल्लो. गोंयच्या कितल्याशाच तरनाट्यांनी हे चळवळींत वांटो घेतिल्लो. सुरेशाचें मन तेवटेन ओडपाक लागलें. गोंयचे सुटकेखातीर आपणेय कितें तरी करचें अशें ताका दिसपाक लागलें. ह्याच दिसांनी सुरेशाक बापायन फोंड्या, फस्कांच्या कारखान्यांत कामाक लायलो. थंयच कामीलाकडें इश्टागत जाली. दोगूय एकाच विचाराचे.

कामील गांवान मुशेर-बांदोडेचो. ताच्या बापायचें नांव जुझे आनी आवयचें नांव मारीया. कामीलाक दोन भाव आनी तिगी भयणी. पुर्तुगेज भाशेंतले आठवी मेरेनचें शिक्षण ताणे म्हाड्डोळचे शाळेंत घेतलें. उपरांत तो मुंबय गेलो. थंय ताणे कपडे शिंवपाचें काम केलें. कांय तेंपान तो गोंयांत परतलो. गोंयांत येतकच ताणें फस्कां-कारखान्यांत नोकरी धरली.

सुरेश आनी कामील दोगय 'गोंय मुक्ती संघटने'चे वांगडी जाले. पत्रकां वांटप, सुटके झुजाऱ्यांक गुपीत रकाद पावोवप अशीं दिसपाक सादीं पूण जोखमेचीं कामां ते करूंक लागले.

त्या वेळार केरी, सावय-वेरें, फोंडें हो वाठार सुटके झुजाऱ्यांचो तळ आशिल्लो. देखून ह्या वाठारांत कडक गस्त दवरिल्ली. मातलेगीत दुबाव आयलो जाल्यार गस्त वाडयताले.

कारखान्यांत कामाक आसताना दोगांयनी मेळून एक दीस एक 'कट' रचलो. खांडेपारच्या मुखेल पायपांतल्यान पुर्तुगेजांक उदकाची पूरवण जाताली. तें पायप फोडून पुर्तुगेजांचे उदकाविणे हाल करपाचे तांणी थारायलें. बाँब घालून पायप फोडपाची तयारी केली. त्याच कामाक ते वताले.

ते मुखेल पायपासरीं पावले. तांणी बाँब पुरलो. वायरी जोडपाचे तयारेंत आसतानाच पुर्तुगेजांच्या आर्मांच्यो गुळयो तांच्या हड्ड्यांत रिगल्यो. दोगय तरनाटे जमनीर कोसळ्ळे आनी जीव वता वता तांच्या तोंडांतल्यान 'जय हिंद' हीं उतरां आयलीं.

११

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**गुपाट–** दाट, गस्त– पारो, राखण, **जोखीम–** जापसालदारकी, **तळ–** सैन्याचो तात्पुरतो राबितो

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) गुपाट काळखांत सुरेश खंय बशिल्लो?
२) सुरेशाक कसलो दुबाव आयलो?
३) कामीलाक भावंडां कितलीं?
४) सुरेश आनी कामील कसल्या कारखान्यांत काम करताले?
५) मरतां मरतां सुरेश आनी कामील हांच्या तोंडांतल्यान कसलीं उतरां भायर सरलीं?
६) ल्हान-व्हडांचेर खोशयेचो हुंवार केन्ना येता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) कामीलाक कारखान्यांतल्यान भायर सरपाक कळाव कित्याक लागलो?
२) सुरेश आनी कामीलान कसलो कट रचिल्लो?
३) सुरेश आनी कामील 'गोंय मुक्ती संघटनेची' कसलीं कामां करताले?

**भाशाकार्य :**

ह्या पाठांत आयिल्लीं विशेशणां सोदून काडून बरयात.

**स्वाध्याय**

अशाच कांय म्हान सुटके झुजाऱ्यांचीं म्हायती एकठांय करून तुमचे चोपडेंत बरयात.



**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**गुपाट–** दाट, गस्त– पारो, राखण, **जोखीम–** जापसालदारकी, **तळ–** सैन्याचो तात्पुरतो राबितो

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) गुपाट काळखांत सुरेश खंय बशिल्लो?
२) सुरेशाक कसलो दुबाव आयलो?
३) कामीलाक भावंडां कितलीं?
४) सुरेश आनी कामील कसल्या कारखान्यांत काम करताले?
५) मरतां मरतां सुरेश आनी कामील हांच्या तोंडांतल्यान कसलीं उतरां भायर सरलीं?
६) ल्हान-व्हडांचेर खोशयेचो हुंवार केन्ना येता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) कामीलाक कारखान्यांतल्यान भायर सरपाक कळाव कित्याक लागलो?
२) सुरेश आनी कामीलान कसलो कट रचिल्लो?
३) सुरेश आनी कामील 'गोंय मुक्ती संघटनेची' कसलीं कामां करताले?

**भाशाकार्य :**

ह्या पाठांत आयिल्लीं विशेशणां सोदून काडून बरयात.

**स्वाध्याय**

अशाच कांय म्हान सुटके झुजाऱ्यांचीं म्हायती एकठांय करून तुमचे चोपडेंत बरयात.

१२

# ५. कोण सांबाळटा?

चका चका चुकू चुकू
बिजूल लकलकता
धर्तरेचो फोटू काडून
खंय लिपयता?

गुडू गुडू गडा गुडू
म्हातारी दळटा
पिठावरी पावस भुंयेर
कसो रकयता?

तुरू तुरू तुरू तुरू
व्हडें धांवता
फोणकुलांत पडलें जाल्यार
मर्दीच घुंवता!

टपा टपा टुपू टुपू
पावळी गळटा
पावसांत खेळूंक वतकच
आई तापयता!

कुडू कुडू कडा कुडू
भुबू जाता
आई मागीर कोडू कोडू
वखद पिवयता!

बेबो मामा बेबकी मावशी
डरांव डरांव गायता
हट्टी मस्ती किटूक मिटूक
तांकां कोण आडायता?

–अशोक भोंसलो



# ५. कोण सांबाळटा?

चका चका चुकू चुकू
बिजूल लकलकता
धर्तरेचो फोटू काडून
खंय लिपयता?

गुडू गुडू गडा गुडू
म्हातारी दळटा
पिठावरी पावस भुंयेर
कसो रकयता?

तुरू तुरू तुरू तुरू
व्हडें धांवता
फोणकुलांत पडलें जाल्यार
मर्दीच घुंवता!

टपा टपा टुपू टुपू
पावळी गळटा
पावसांत खेळूंक वतकच
आई तापयता!

कुडू कुडू कडा कुडू
भुबू जाता
आई मागीर कोडू कोडू
वखद पिवयता!

बेबो मामा बेबकी मावशी
डरांव डरांव गायता
हट्टी मस्ती किटूक मिटूक
तांकां कोण आडायता?

–अशोक भोंसलो

१३

# ६. धोलयो

(मोट्टें पोट आशिल्लो एक दादलो येता आनी हेवटेन तेवटेन पळयता.)

तुमकां पळयनां रे हांव! हॉटेल बी लागीं आसा जाल्यार पळयतालों. भूक लागल्या.

हांसतात कितें? तुमकां लागना भूक?.... पोट? पोट नासतना मनीस आसा? तुमकां ना? सगल्यांक आसा. तेचखातीर तर सगले जगतात. पोट आसा म्हूण भूक आसा आनी भूक आसा म्हूण संवसार चलता.

कितें? असलें पोट केन्ना पळोवंकना? आरे, थोड्यांची पोटां खरीक गेल्यांत तर थोड्यांची भायर सरल्यांत म्हजे भशेन.

चड खाता? कित्याक खावचोंना! पोट म्हजें. भूक म्हजी. भाव जोडटा, हांव मोडटां. तुमकां नागयतां?

(पोले फोडटा) चुकलों! अशें म्हणून म्हणून व्हगडायलां हांवें. आडभरयां खावन ही दशा करून घेतल्या. पश्चात्ताप जाता म्हाका. पूण कितें उपेग! आतां उपाशी रावल्यार पसून हें पोट काय भितर वचना. भुकेन घुंवळ मात येता.

गांवांत आनी लोक ना गा? पूण इतलें खायनात. शी! पाड पडूं म्हजें! हांव जात्रे-फेस्तांक वतां फकत वेगवेगळे जिनस खावपाक. कील-कीलभर खाजें घेतां आनी पोट भरसर खातां. म्हजो भाव मात एकूच बोय चोखीत चोखीत म्हाका सांगात दिता. ताचें पोट पळयलां तुमी? ताका पोट नाच! ना म्हणचें सामकें सपाट मळ. म्हजेवरी दोंगर न्हय.

उपाशी? च्ये-च्ये! उपाशी रावना तो. पोटभर जेवता. पूण केन्ना? भूक लागता तेन्नाच. च्याच्या वेळार च्या, जेवणाच्या वेळार जेवण. मदी कोणे कितें दिल्यारपसून खायना. बेकार मात रावना आं. दिसभर कितें ना कितें करीत आसता. आं?-- भायर आसता. तो जें धाडटा तें हांव ह्या साकांत भरून दवरतां.

चड खावप वायट न्हय गा. पूण तशें काम करूंक नाका? हांव खातां खातां आनी न्हिदतां.

'जितलें खाण चड तितलें काम चड' अशें केलें जाल्यार ही गत जायना.

फातर फोडपी, लाकडां फोडपी मानायांक अशीं पोटां आसात? खेळगड्यांक आसात? बॉडी-बिल्डरांक खंय आसात? खावन जेवन न्हिदो काडचेबदला हांवें जर व्यायाम केल्लो तर बॉडी-बिल्डर तरी जावपाचों. आळशांवरी बसून रावलों, आनी 'पोट-बिल्डर' जालों.



# ६. धोलयो

(मोट्टें पोट आशिल्लो एक दादलो येता आनी हेवटेन तेवटेन पळयता.)

तुमकां पळयनां रे हांव! हॉटेल बी लागीं आसा जाल्यार पळयतालों. भूक लागल्या.

हांसतात कितें? तुमकां लागना भूक?.... पोट? पोट नासतना मनीस आसा? तुमकां ना? सगल्यांक आसा. तेचखातीर तर सगले जगतात. पोट आसा म्हूण भूक आसा आनी भूक आसा म्हूण संवसार चलता.

कितें? असलें पोट केन्ना पळोवंकना? आरे, थोड्यांची पोटां खरीक गेल्यांत तर थोड्यांची भायर सरल्यांत म्हजे भशेन.

चड खाता? कित्याक खावचोंना! पोट म्हजें. भूक म्हजी. भाव जोडटा, हांव मोडटां. तुमकां नागयतां?

(पोले फोडटा) चुकलों! अशें म्हणून म्हणून व्हगडायलां हांवें. आडभरयां खावन ही दशा करून घेतल्या. पश्चात्ताप जाता म्हाका. पूण कितें उपेग! आतां उपाशी रावल्यार पसून हें पोट काय भितर वचना. भुकेन घुंवळ मात येता.

गांवांत आनी लोक ना गा? पूण इतलें खायनात. शी! पाड पडूं म्हजें! हांव जात्रे-फेस्तांक वतां फकत वेगवेगळे जिनस खावपाक. कील-कीलभर खाजें घेतां आनी पोट भरसर खातां. म्हजो भाव मात एकूच बोय चोखीत चोखीत म्हाका सांगात दिता. ताचें पोट पळयलां तुमी? ताका पोट नाच! ना म्हणचें सामकें सपाट मळ. म्हजेवरी दोंगर न्हय.

उपाशी? च्ये-च्ये! उपाशी रावना तो. पोटभर जेवता. पूण केन्ना? भूक लागता तेन्नाच. च्याच्या वेळार च्या, जेवणाच्या वेळार जेवण. मदी कोणे कितें दिल्यारपसून खायना. बेकार मात रावना आं. दिसभर कितें ना कितें करीत आसता. आं?-- भायर आसता. तो जें धाडटा तें हांव ह्या साकांत भरून दवरतां.

चड खावप वायट न्हय गा. पूण तशें काम करूंक नाका? हांव खातां खातां आनी न्हिदतां.

'जितलें खाण चड तितलें काम चड' अशें केलें जाल्यार ही गत जायना.

फातर फोडपी, लाकडां फोडपी मानायांक अशीं पोटां आसात? खेळगड्यांक आसात? बॉडी-बिल्डरांक खंय आसात? खावन जेवन न्हिदो काडचेबदला हांवें जर व्यायाम केल्लो तर बॉडी-बिल्डर तरी जावपाचों. आळशांवरी बसून रावलों, आनी 'पोट-बिल्डर' जालों.


१४

आता म्हाका मात लेगीत चल्ल्यार पुरो जाता. चड उलयल्यार खरस मारता. सामको-सामको राग येता म्हाका म्हजे करणेचो. किते म्हणून केलें हांवें? फकत पोट भरलें. (धापेता)

मातसो बसतां. (बसपाक सोदता) नाका. बसल्यार उठपाक जावचेना.

जाचें जळटा ताका कळटा. म्हजें दूख तुमकां कळपाकना. कोणूय भरलेलो साक फाटीर घेता, तसो हांवें पोटार घेतला म्हूण समजात.

म्हजे पांय म्हाका पळोवंक मेळनात हाचेवल्यान तुमी कल्पना करात. कित्याक म्हणजे? हें पोट आडवें येता न्हय! भुरगो आसतना पांय पळयल्ले तें फावलें. आतां सादो कांटो तोपलो जाल्यार, तो काडपाक दुसऱ्याचो आदार घेवंचो पडटा. तुमचे हात पांयाक तेंकतात तशे म्हणजे तेंकनात. (ओणव घालून दाखयता) पळयात- पळयात. तेंकतात? आगा, बूट घालूंक जमना म्हूणन हें जोतें घालून भोंवतां.






आता म्हाका मात लेगीत चल्ल्यार पुरो जाता. चड उलयल्यार खरस मारता. सामको-सामको राग येता म्हाका म्हजे करणेचो. किते म्हणून केलें हांवें? फकत पोट भरलें. (धापेता)

मातसो बसतां. (बसपाक सोदता) नाका. बसल्यार उठपाक जावचेना.

जाचें जळटा ताका कळटा. म्हजें दूख तुमकां कळपाकना. कोणूय भरलेलो साक फाटीर घेता, तसो हांवें पोटार घेतला म्हूण समजात.

म्हजे पांय म्हाका पळोवंक मेळनात हाचेवल्यान तुमी कल्पना करात. कित्याक म्हणजे? हें पोट आडवें येता न्हय! भुरगो आसतना पांय पळयल्ले तें फावलें. आतां सादो कांटो तोपलो जाल्यार, तो काडपाक दुसऱ्याचो आदार घेवंचो पडटा. तुमचे हात पांयाक तेंकतात तशे म्हणजे तेंकनात. (ओणव घालून दाखयता) पळयात- पळयात. तेंकतात? आगा, बूट घालूंक जमना म्हूणन हें जोतें घालून भोंवतां.



१५

एक दीस हांव बस-स्टॉपार उबो रावून पेपर वाचतालों. इतल्यान एका ल्हान भुरग्यान म्हज्या पांयाक वेंग मारली. कोणालो भुरगो म्हूण पळोवपाक केल्यार म्हाका ताचें तोंडच दिसना. निमाणें बचकुलाक धरून वयर उबारलो जाल्यार हो  पोर तांदळाच्या साकार बशिल्लेवरी म्हज्या पोटार बसलो न्हय!

''म्हज्या पांयांक वेंग कित्याक मारली रे तुवें?'' म्हणून विचारल्यार ताणें कितें सांगलें जाणा?'' -''वोत लागता म्हूण सावळेक राविल्लों. म्हज्या पोटाची सावळी घेसर थंय कितें झाडां नासलीं? तवनास पोर!''




पोटांत कावळे रडले. तुमचेकडें उलोवंक रावल्यार हांव पोट भरूक पावचोना. घुंवळ येवन पडलो जाल्यार तुमचेर अपसरण नाका. पयली पोटभर खातां आनी मागीर विमानतळार वतां. कित्याक म्हणजे? म्हजो भाव येवंचो आसा.

हयवय तोच. भायर गेला तो. वर्सान एकदां येता. एकलोच भाव तो म्हजो. खूब मोग करता.



एक दीस हांव बस-स्टॉपार उबो रावून पेपर वाचतालों. इतल्यान एका ल्हान भुरग्यान म्हज्या पांयाक वेंग मारली. कोणालो भुरगो म्हूण पळोवपाक केल्यार म्हाका ताचें तोंडच दिसना. निमाणें बचकुलाक धरून वयर उबारलो जाल्यार हो  पोर तांदळाच्या साकार बशिल्लेवरी म्हज्या पोटार बसलो न्हय!

''म्हज्या पांयांक वेंग कित्याक मारली रे तुवें?'' म्हणून विचारल्यार ताणें कितें सांगलें जाणा?'' -''वोत लागता म्हूण सावळेक राविल्लों. म्हज्या पोटाची सावळी घेसर थंय कितें झाडां नासलीं? तवनास पोर!''



पोटांत कावळे रडले. तुमचेकडें उलोवंक रावल्यार हांव पोट भरूक पावचोना. घुंवळ येवन पडलो जाल्यार तुमचेर अपसरण नाका. पयली पोटभर खातां आनी मागीर विमानतळार वतां. कित्याक म्हणजे? म्हजो भाव येवंचो आसा.

हयवय तोच. भायर गेला तो. वर्सान एकदां येता. एकलोच भाव तो म्हजो. खूब मोग करता.

१६

विमानांतल्यान देवल्याबराबर खाणाच्यो काशी म्हज्या हातांत दिता.

तो आनी कितें सांगता रे? उपाय? पोट भितर वचपाचो! आसूं! थोडे उपाय केलेना! दर एकलो नवो उपाय सांगता. हांवें सगलें करून पळयलें. पयरूच एकल्यान सोपो म्हूण उपाय सांगलो. उमथो न्हिदपाचो.

आतां तुमीच सांगात, हे परिस्थितीत म्हज्यान उमथो न्हिदूंक जायत? फकत पोट जमनीक तेंकता. तकली उशार धरना आनी पांय जमनीक तेंकनात. सामको उदकांत पेंवल्लेभशेन जाता म्हाका.

तुमीय असलोच कितेंतरी उपाय सांगतले. म्हजें पोट भितर घालपाचो रामबाण उपाय म्हाका खबर आसा. आतां हांवें सामको निश्चय केला- तो उपाय हांव बेगिनांत बेगीन सुरू करतलों आनी हें धोल पोल करून उडयतलों.

तुमकां सांगू? सांगतां-सांगतां!- तो उपाय म्हणल्यार दिसभर काम करप, पोट दुखसर व्यायाम करप, गरज तितलेंच खावप आनी सुमानांतल्यान एक दीस उपास करप.

केन्ना म्हणजे? आत्तां सुरू करतां. बऱ्या कामाक वेळ नाका. मातशे रावात! उपाय सुरू करचे पयलीं विमानतळावर वचून भाव हाडटलो त्यो खाणाच्यो काशी सोंपयतां. मागीर रोखडोच उपाय सुरू! बरें. चल्लो हांव. वेंताक चुकल्यार वांवाक चुकतलो. (वता)

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**पोटां खरीक वचप–** पोटांक खांपट्यो पडप, **आडभरयां–** खंयच्याय वेळार आनी सुमाराभायर, **गत–** दशा, **बॉडी-बिल्डर–** पेलवान, **धांपेवप–** खरशेवप, **तवनास–** वाळेस, **अपसरण–** आळ, **उमथो –** पोट जमनीक तेंकोवन

**वाक्प्रचार :**

**पोटांत कावळे रडप –** खूब भूक लागप.

**भाशाकार्य :**

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी फावो तीं क्रियापदां वापरात.**

१. आडभरयां खावन ही दशा करून..............

२. भुकेन घुंवळ मात.............



विमानांतल्यान देवल्याबराबर खाणाच्यो काशी म्हज्या हातांत दिता.

तो आनी कितें सांगता रे? उपाय? पोट भितर वचपाचो! आसूं! थोडे उपाय केलेना! दर एकलो नवो उपाय सांगता. हांवें सगलें करून पळयलें. पयरूच एकल्यान सोपो म्हूण उपाय सांगलो. उमथो न्हिदपाचो.

आतां तुमीच सांगात, हे परिस्थितीत म्हज्यान उमथो न्हिदूंक जायत? फकत पोट जमनीक तेंकता. तकली उशार धरना आनी पांय जमनीक तेंकनात. सामको उदकांत पेंवल्लेभशेन जाता म्हाका.

तुमीय असलोच कितेंतरी उपाय सांगतले. म्हजें पोट भितर घालपाचो रामबाण उपाय म्हाका खबर आसा. आतां हांवें सामको निश्चय केला- तो उपाय हांव बेगिनांत बेगीन सुरू करतलों आनी हें धोल पोल करून उडयतलों.

तुमकां सांगू? सांगतां-सांगतां!- तो उपाय म्हणल्यार दिसभर काम करप, पोट दुखसर व्यायाम करप, गरज तितलेंच खावप आनी सुमानांतल्यान एक दीस उपास करप.

केन्ना म्हणजे? आत्तां सुरू करतां. बऱ्या कामाक वेळ नाका. मातशे रावात! उपाय सुरू करचे पयलीं विमानतळावर वचून भाव हाडटलो त्यो खाणाच्यो काशी सोंपयतां. मागीर रोखडोच उपाय सुरू! बरें. चल्लो हांव. वेंताक चुकल्यार वांवाक चुकतलो. (वता)

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**पोटां खरीक वचप–** पोटांक खांपट्यो पडप, **आडभरयां–** खंयच्याय वेळार आनी सुमाराभायर, **गत–** दशा, **बॉडी-बिल्डर–** पेलवान, **धांपेवप–** खरशेवप, **तवनास–** वाळेस, **अपसरण–** आळ, **उमथो –** पोट जमनीक तेंकोवन

**वाक्प्रचार :**

**पोटांत कावळे रडप –** खूब भूक लागप.

**भाशाकार्य :**

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी फावो तीं क्रियापदां वापरात.**

१. आडभरयां खावन ही दशा करून..............

२. भुकेन घुंवळ मात.............

१७

३. चड उलयल्यार खरस.............

४. जाचें.......ताका..........

५. दर एकलो नवो उपाय..............

**स्वाध्याय :**

हें आपउलोवप पाठ करून अभिनयासयत माचयेर करून दाखयात.

**आ)** **'उडटा तो बुडटा'** हे म्हणीचो अर्थ– आपणाक व्हड समजुपी मनशाचे निमणें लुकसाण जाता.

**'करतलो तो भोगतलो'** म्हणल्यार– जो वायट कर्म करतलो ताकाच ख्यास्त भोगची पडटली.

हे तरेन सकयल दिल्ल्या म्हणींचे अर्थ तुमच्या उतरांनी बरयात.

१) **''जाचें जळटा ताका कळटा''**

२) **''वेतांक चुकल्यार वांवाक चुकतलों.''**



३. चड उलयल्यार खरस.............

४. जाचें.......ताका..........

५. दर एकलो नवो उपाय..............

**स्वाध्याय :**

हें आपउलोवप पाठ करून अभिनयासयत माचयेर करून दाखयात.

**आ)** **'उडटा तो बुडटा'** हे म्हणीचो अर्थ– आपणाक व्हड समजुपी मनशाचे निमणें लुकसाण जाता.

**'करतलो तो भोगतलो'** म्हणल्यार– जो वायट कर्म करतलो ताकाच ख्यास्त भोगची पडटली.

हे तरेन सकयल दिल्ल्या म्हणींचे अर्थ तुमच्या उतरांनी बरयात.

१) **''जाचें जळटा ताका कळटा''**

२) **''वेतांक चुकल्यार वांवाक चुकतलों.''**

१८

# ७. एक चीट

सुशांत सुवारीस,
नेहरू नगर,
आल्त-परवरी,
गोंय. ४०३ ५२१
१ डिसेंबर, १९९५
सेवेक,

सरपंच,
ग्रामपंचायत
पेन्ह द फ्रांस
बारदेस-गोंय.

**विशय- गांवचे नितळसाणेविशीं**

भौमानेस्त

हांव आल्त-परवरीचो एक नागरीक. गांवच्या लोकांचेवतीन गांवचे नितळसाणेविशीं एक अडचण तुमचेमुखार दवरूंक सोदतां.

वाड्यावाड्यांनी तुमी कोयरा- आयदनां दवरल्यांत. हांचो आमकां खूब फायदो जाता. लोकांक नितळसाणेची बरी संवंय लागल्या हातूंत दुबाव ना. पूण लोकवस्ती वाडिल्ल्यान तुमी दवरिल्ली कोयरा-आयदनां आतां पावनात. तीं रोखडींच भरतात आनी उडयल्लो कोयर आयदनांभायर पडटा. तशेंच वेळचेवेळार ती आयदनां निवळ करिनात. देखून घाणी आनी कुसुट्टाणी पडल्यात. ताकालागून गांवची भलायकी इबाडपाची शक्यताय आसा.

तेन्ना लोकांचेवतीन हांव तुमचेलागीं कांय मागण्यो करतां.

१. कोयरा- आयदनां आनीक चड सुवातांनी दवरचीं आनी सप्तकांतल्यान दोन फावटी तरी कोयरा-आयदनां निवळ करचीं आनी ते सुवातेर जंतूनाशकां मारचीं.

म्हज्या सुचोवण्यांचेर तुमी विचार करतले अशी आस्त बाळगितां.

बरें मागून,
तुमचो,
सुशांत सुवारीस.



# ७. एक चीट

सुशांत सुवारीस,
नेहरू नगर,
आल्त-परवरी,
गोंय. ४०३ ५२१
१ डिसेंबर, १९९५
सेवेक,

सरपंच,
ग्रामपंचायत
पेन्ह द फ्रांस
बारदेस-गोंय.

**विशय- गांवचे नितळसाणेविशीं**

भौमानेस्त

हांव आल्त-परवरीचो एक नागरीक. गांवच्या लोकांचेवतीन गांवचे नितळसाणेविशीं एक अडचण तुमचेमुखार दवरूंक सोदतां.

वाड्यावाड्यांनी तुमी कोयरा- आयदनां दवरल्यांत. हांचो आमकां खूब फायदो जाता. लोकांक नितळसाणेची बरी संवंय लागल्या हातूंत दुबाव ना. पूण लोकवस्ती वाडिल्ल्यान तुमी दवरिल्ली कोयरा-आयदनां आतां पावनात. तीं रोखडींच भरतात आनी उडयल्लो कोयर आयदनांभायर पडटा. तशेंच वेळचेवेळार ती आयदनां निवळ करिनात. देखून घाणी आनी कुसुट्टाणी पडल्यात. ताकालागून गांवची भलायकी इबाडपाची शक्यताय आसा.

तेन्ना लोकांचेवतीन हांव तुमचेलागीं कांय मागण्यो करतां.

१. कोयरा- आयदनां आनीक चड सुवातांनी दवरचीं आनी सप्तकांतल्यान दोन फावटी तरी कोयरा-आयदनां निवळ करचीं आनी ते सुवातेर जंतूनाशकां मारचीं.

म्हज्या सुचोवण्यांचेर तुमी विचार करतले अशी आस्त बाळगितां.

बरें मागून,
तुमचो,
सुशांत सुवारीस.

१९

# ८. तियात्र

तियात्र हें उतर गोंयकारांक नवें न्हय. फाटलीं शंबर वर्सांसावन तियात्र चलत आसात. हो नाट्यप्रकार ख्रिश्चन समाजांत चड आवडीचो. तियात्र म्हणल्यार लोक सामके पिशे जातात.

१८९२ वर्सा मुंबय शारांत 'इतालियन भुरगो' नांवाचो एक तियात्र जाल्लो. हो कोंकणीतलो पयलो तियात्र अशें मानतात. लुकासीनबाब रिबैर ह्या गोंयकारान तो आपणेंच बरोवन सादर केल्लो.

तियात्र ही कोंकणी भाशेंलीच खाशेली नाट्यकला. ती हेर भासांनी मेळना. गोंयचे कलेच्या इतिहासाचेर नदर मारली तर तियात्र कित्याचेर आदारून आसा तें कळटा. आदीं गोंयांत गांवां-गावांनी परबेवेळार जागर जाताले. ह्या जागरांक माची बी लागनाशिल्ली. ते उगत्या मळार वा मांडार जाताले. जागर पळोवक गांवचे लोक एकठांय जाताले. जागरांत समाजांतल्या वेगळ्यावेगळ्या लोकांची सवंगां करताले. जागराक बरप लागनासलें. मनांत येता तें उलोवप. भायर कांतारां आसतालीं.





# ८. तियात्र

तियात्र हें उतर गोंयकारांक नवें न्हय. फाटलीं शंबर वर्सांसावन तियात्र चलत आसात. हो नाट्यप्रकार ख्रिश्चन समाजांत चड आवडीचो. तियात्र म्हणल्यार लोक सामके पिशे जातात.

१८९२ वर्सा मुंबय शारांत 'इतालियन भुरगो' नांवाचो एक तियात्र जाल्लो. हो कोंकणीतलो पयलो तियात्र अशें मानतात. लुकासीनबाब रिबैर ह्या गोंयकारान तो आपणेंच बरोवन सादर केल्लो.

तियात्र ही कोंकणी भाशेंलीच खाशेली नाट्यकला. ती हेर भासांनी मेळना. गोंयचे कलेच्या इतिहासाचेर नदर मारली तर तियात्र कित्याचेर आदारून आसा तें कळटा. आदीं गोंयांत गांवां-गावांनी परबेवेळार जागर जाताले. ह्या जागरांक माची बी लागनाशिल्ली. ते उगत्या मळार वा मांडार जाताले. जागर पळोवक गांवचे लोक एकठांय जाताले. जागरांत समाजांतल्या वेगळ्यावेगळ्या लोकांची सवंगां करताले. जागराक बरप लागनासलें. मनांत येता तें उलोवप. भायर कांतारां आसतालीं.



२०

हीं कांतारां मोगाचीं, भाटकाराची टिका करपी पूण विनोदी आसतालीं. ह्या जागराचें बदल्लेलें एक रूप म्हणल्यार तियात्र! देखून गोंय हें तियात्राचें कुळार.

नाटकाच्या भागांक अंक म्हणटात तशें तियात्राच्या भागांक पड्डे म्हणटात. तियात्राक चडांत चड सात पड्डे आसतात. तियात्राचे दोन मुखेल भाग करतात. पयल्या भागांत चार पड्डे आनी दुसऱ्या भागांत तीन पड्डे. चार पड्ड्यां उपरांत मध्यंतर जाता. दरेका पड्ड्याक दोन वा तीन देखाव आसतात.

तियात्राचें खाशेलें आंग म्हणल्यार कांतारां. दरेक पड्डो सोंपलेउपरांत हीं कांतारां गायतात. कांतार गायतल्याक 'कांतारिस्त' म्हणटात. ही कांतारां वेगळ्या-वेगळ्या विशयांचेर रचिल्ली आसतात. तियात्राच्या कथानकाक आनी गायतात त्या कांताराक कसलोच संबंद आसना. कांय कांतारां चालू घडणुकांचेर रचिल्लीं आसतात तर कांय निबर टिका करपी आसतात. विनोदी कांतारां तर प्रेक्षकांक खूब आवडटात. दोन कांतारिस्त गायतात त्या कांताराक 'ड्युएट' म्हणटात. तर तीन कांतारिस्त गायतात ताका 'त्रियो' म्हणटात.

बँड हे तियात्राचो जीव! बँड नासताना तियात्र मातलेगीत सोबना. तियात्राक आरंब करचेपयली बँड वाजोवन प्रेक्षकांक येवकार दितात. दरेका कांताराक बँड साथ दिता. गावपी बँडाच्या सुरा-तालार आपलें कांतार गायता. बँडाच्या वाजपाचेर तियात्र बरो जालो काय वायट हें थारता.

हाली-हाली तियात्रांत खूब बदल जाल्लो दिसता. आतांच्या तियात्रांनी कथानकाक चड म्हत्व दितात. तियात्राच्या कथानकाक सोबसारकी माची, पड्डे हांचो वापर जाता. तशेंच बरी उजवाडा येवजण करतात.

आयची तरणी पिळगी आपखोशयेन तियात्रांत सवंगां करूंक लागल्या. आयज पयलींपरस चड चलयो तियात्रांनी कामां करतना दिसतात.

हालीं बरे बरे तियात्र करपी खूब पंगड तयार जाल्यात. ते आपले तियात्र देशांत तशेंच विदेशांत सादर करतात. जाग्या-जाग्यार तियात्रांच्यो सतींलेगीत जातात.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**माची**–उंचायेर बांदिल्ली बसका, रंगमाची, **कांतारां**– तियात्रातलीं गितां, **मध्यंतर**– विसव घेवपाखातीर दिल्लो वेळ, **देखाव**– काणयेचो एक वांटो, **कथानकाक**– काणयेक, **प्रेक्षक**– पळोवपी, **पिळगी**– एका काळांतले लोक.



हीं कांतारां मोगाचीं, भाटकाराची टिका करपी पूण विनोदी आसतालीं. ह्या जागराचें बदल्लेलें एक रूप म्हणल्यार तियात्र! देखून गोंय हें तियात्राचें कुळार.

नाटकाच्या भागांक अंक म्हणटात तशें तियात्राच्या भागांक पड्डे म्हणटात. तियात्राक चडांत चड सात पड्डे आसतात. तियात्राचे दोन मुखेल भाग करतात. पयल्या भागांत चार पड्डे आनी दुसऱ्या भागांत तीन पड्डे. चार पड्ड्यां उपरांत मध्यंतर जाता. दरेका पड्ड्याक दोन वा तीन देखाव आसतात.

तियात्राचें खाशेलें आंग म्हणल्यार कांतारां. दरेक पड्डो सोंपलेउपरांत हीं कांतारां गायतात. कांतार गायतल्याक 'कांतारिस्त' म्हणटात. ही कांतारां वेगळ्या-वेगळ्या विशयांचेर रचिल्ली आसतात. तियात्राच्या कथानकाक आनी गायतात त्या कांताराक कसलोच संबंद आसना. कांय कांतारां चालू घडणुकांचेर रचिल्लीं आसतात तर कांय निबर टिका करपी आसतात. विनोदी कांतारां तर प्रेक्षकांक खूब आवडटात. दोन कांतारिस्त गायतात त्या कांताराक 'ड्युएट' म्हणटात. तर तीन कांतारिस्त गायतात ताका 'त्रियो' म्हणटात.

बँड हे तियात्राचो जीव! बँड नासताना तियात्र मातलेगीत सोबना. तियात्राक आरंब करचेपयली बँड वाजोवन प्रेक्षकांक येवकार दितात. दरेका कांताराक बँड साथ दिता. गावपी बँडाच्या सुरा-तालार आपलें कांतार गायता. बँडाच्या वाजपाचेर तियात्र बरो जालो काय वायट हें थारता.

हाली-हाली तियात्रांत खूब बदल जाल्लो दिसता. आतांच्या तियात्रांनी कथानकाक चड म्हत्व दितात. तियात्राच्या कथानकाक सोबसारकी माची, पड्डे हांचो वापर जाता. तशेंच बरी उजवाडा येवजण करतात.

आयची तरणी पिळगी आपखोशयेन तियात्रांत सवंगां करूंक लागल्या. आयज पयलींपरस चड चलयो तियात्रांनी कामां करतना दिसतात.

हालीं बरे बरे तियात्र करपी खूब पंगड तयार जाल्यात. ते आपले तियात्र देशांत तशेंच विदेशांत सादर करतात. जाग्या-जाग्यार तियात्रांच्यो सतींलेगीत जातात.

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**माची**–उंचायेर बांदिल्ली बसका, रंगमाची, **कांतारां**– तियात्रातलीं गितां, **मध्यंतर**– विसव घेवपाखातीर दिल्लो वेळ, **देखाव**– काणयेचो एक वांटो, **कथानकाक**– काणयेक, **प्रेक्षक**– पळोवपी, **पिळगी**– एका काळांतले लोक.

२१

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) कोंकणींतल्या पयल्या तियात्राचें नांव कितें?

२) जागरांतलीं कांतारां कसलीं आसतालीं?

३) तियात्राच्या भागांक कितें म्हणटात?

४) कांतार गायतल्याक कितें म्हणटात?

५) 'ड्युएट' म्हणल्यार कितें?

६) तियात्र बरो जालो काय वायट हें कशें थारता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप चार–पांच वळींनी बरयात.**

१) आदीं जागर कशे जाताले?

२) तियात्र कित्याचेर आधारून असा?

३) तियात्राचे भाग कशें केल्ले आसात?

४) तियात्रांतल्या कातारांचें वर्णन करात.

५) 'बँड हें तियात्राचो जीव' अशें कित्याक म्हणटात?

६) आतांचे तियात्र कशें जातात?

**भाशाकार्य :**

**सकयल दिल्ल्या उतरांचें वचन बदलून बरयात.**

१) तियात्र २) जागर ३) सवंगां ४) कांतारां ५) अंक ६) पड्डे ७) देखाव ८) माची ९) पिळगी १०) पंगड ११) चलयो १२) सर्ती

**स्वाध्याय :**

तुमी आयकल्लें एक कांतार बरोवन काडात.

❏❏❏



**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) कोंकणींतल्या पयल्या तियात्राचें नांव कितें?

२) जागरांतलीं कांतारां कसलीं आसतालीं?

३) तियात्राच्या भागांक कितें म्हणटात?

४) कांतार गायतल्याक कितें म्हणटात?

५) 'ड्युएट' म्हणल्यार कितें?

६) तियात्र बरो जालो काय वायट हें कशें थारता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप चार–पांच वळींनी बरयात.**

१) आदीं जागर कशे जाताले?

२) तियात्र कित्याचेर आधारून असा?

३) तियात्राचे भाग कशें केल्ले आसात?

४) तियात्रांतल्या कातारांचें वर्णन करात.

५) 'बँड हें तियात्राचो जीव' अशें कित्याक म्हणटात?

६) आतांचे तियात्र कशें जातात?

**भाशाकार्य :**

**सकयल दिल्ल्या उतरांचें वचन बदलून बरयात.**

१) तियात्र २) जागर ३) सवंगां ४) कांतारां ५) अंक ६) पड्डे ७) देखाव ८) माची ९) पिळगी १०) पंगड ११) चलयो १२) सर्ती

**स्वाध्याय :**

तुमी आयकल्लें एक कांतार बरोवन काडात.

❏❏❏

२२

# ९. किरा किरा



किरा किरा उलय उलय
पेर दितां म्हाका पळय
पोपटी रंगा आंगलें घालून
तांबडी चोंच म्हाका दाखय

मिरसांगेच्यो बियो खावन
किरा किरा उलय उलय
तीख तीख खावन असो
गोड गोड उलोवन दाखय

किरा किरा पांद्यांत कित्याक
बंदी जावन रावंक जाय?
भिरी भिरी मळबांत उडूंक
तुका अजून कळना काय?

किरा, तुजी सोबितकाय
पळोवंक नवी नदर जाय
दार उगडें करतां हांव
उडूंक पांखांत तांक लाय

–सुरेश रामचंद्र पै



# ९. किरा किरा



किरा किरा उलय उलय
पेर दितां म्हाका पळय
पोपटी रंगा आंगलें घालून
तांबडी चोंच म्हाका दाखय

मिरसांगेच्यो बियो खावन
किरा किरा उलय उलय
तीख तीख खावन असो
गोड गोड उलोवन दाखय

किरा किरा पांद्यांत कित्याक
बंदी जावन रावंक जाय?
भिरी भिरी मळबांत उडूंक
तुका अजून कळना काय?

किरा, तुजी सोबितकाय
पळोवंक नवी नदर जाय
दार उगडें करतां हांव
उडूंक पांखांत तांक लाय

–सुरेश रामचंद्र पै

२३

# १०. गिरनार

पालीताणा हें गुजरात राज्यांतले एक नामनेचे शार. जैन लोक ह्या शाराक पवित्र तिर्थसुवात मानतात. हांगा एकापरस एक सोबीत अशी संगमरवरी फातराचीं ८६३ देवळां बांदिल्ली आसात. गिरनार, शेत्रूंजय, संमेतशिखर, अबू आनी तरंग हे हांगासल्ले पांच नांवाजते दोंगर. जैन लोक मोठे उमेदीन हे दोंगर चडटात.

शेत्रूंजय दोंगराउप्रांत लागता तो गिनरनार दोंगर. गिरनारच्या मुळसामेरेन वचपाक बस वा घोड्या–गाड्यांची तजवीज केल्ली आसा. फुडली दोंगरा–भोंवडी पांयांनी वा माचुलांनी करची पडटा. दोंगराच्या मुळसाक वस्त्रपथ महादेव आनी भवनाथ हांची देवळां आमकार–सामकार आसात.

३६६६ फूट उंचायेचो गिरनार चडपाक सपणां बांदल्यांत. पूण ही सपणां खुबूच उबार आनी अशीर आशिल्ल्यान तीं चडटना जीव गळ्याकडेन येता. जाणट्यांखातीर हांगा माचुलांची खाशेली तजवीज केल्ली आसा. माचुलाची भोंवडे–दर माचुलांत मनशाक बसयतात तर दुसऱ्या दाल्यांत ताच्या वजनाइतलेच फातर घालतात. जितलो मनीस जड तितले दाल्यांतले फातर चड. जितले फार चड तितले दुडू चड. मनशांची अशी फातरांनी केल्ली मोलावणी पळोवन हांसूंक आयलेबगर रावना.

गिरनारार पांयांनी भोंवपाक खुबूच मजा येता. पूण चडणेचो भार इतलो जड आसता कीं कोंड्याची दाटी–मोटी बडी आधाराक घेवंचीच पडटा. असल्यो कोंड्यो–बडयो थंय भाड्याक मेळटात. फांतोडेर सुरू केल्ली ही चडणी सोपून सगळो डोंगर भोंवून येता म्हणसर दनपार जाता.

गिरनारचे तेंगशेवयल्यान पयस पयसुल्ले सोबीत देखाव दिश्टी पडटात. गिरनारार एकवीस तेमकां आसात. तातुंतलीं अंबा, गोंरक्ष, दत्त आनी नेमिनाथ हीं नामनेचीं तेमकां. दोंगराच्या तेमकांक हांगा ‘टूक’ अशें म्हणटात. गिरनारचे अर्दे चडणेर अंबादेवीचें तेमूक मेळटा. हांगा अंबादेवींचे विशाळ अशें सोबीत देवूळ बांदलां. दुसरें तेमूक गोरक्ष. सगल्यांत उंचायेचें तेमूक तें हें. गोरक्षाउपरांत दत्त तेमूक लागता. हांगा श्री दत्तमहाराजान तप केल्लें अशी एक आयकीव



# १०. गिरनार

पालीताणा हें गुजरात राज्यांतले एक नामनेचे शार. जैन लोक ह्या शाराक पवित्र तिर्थसुवात मानतात. हांगा एकापरस एक सोबीत अशी संगमरवरी फातराचीं ८६३ देवळां बांदिल्ली आसात. गिरनार, शेत्रूंजय, संमेतशिखर, अबू आनी तरंग हे हांगासल्ले पांच नांवाजते दोंगर. जैन लोक मोठे उमेदीन हे दोंगर चडटात.

शेत्रूंजय दोंगराउप्रांत लागता तो गिनरनार दोंगर. गिरनारच्या मुळसामेरेन वचपाक बस वा घोड्या–गाड्यांची तजवीज केल्ली आसा. फुडली दोंगरा–भोंवडी पांयांनी वा माचुलांनी करची पडटा. दोंगराच्या मुळसाक वस्त्रपथ महादेव आनी भवनाथ हांची देवळां आमकार–सामकार आसात.

३६६६ फूट उंचायेचो गिरनार चडपाक सपणां बांदल्यांत. पूण ही सपणां खुबूच उबार आनी अशीर आशिल्ल्यान तीं चडटना जीव गळ्याकडेन येता. जाणट्यांखातीर हांगा माचुलांची खाशेली तजवीज केल्ली आसा. माचुलाची भोंवडे–दर माचुलांत मनशाक बसयतात तर दुसऱ्या दाल्यांत ताच्या वजनाइतलेच फातर घालतात. जितलो मनीस जड तितले दाल्यांतले फातर चड. जितले फार चड तितले दुडू चड. मनशांची अशी फातरांनी केल्ली मोलावणी पळोवन हांसूंक आयलेबगर रावना.

गिरनारार पांयांनी भोंवपाक खुबूच मजा येता. पूण चडणेचो भार इतलो जड आसता कीं कोंड्याची दाटी–मोटी बडी आधाराक घेवंचीच पडटा. असल्यो कोंड्यो–बडयो थंय भाड्याक मेळटात. फांतोडेर सुरू केल्ली ही चडणी सोपून सगळो डोंगर भोंवून येता म्हणसर दनपार जाता.

गिरनारचे तेंगशेवयल्यान पयस पयसुल्ले सोबीत देखाव दिश्टी पडटात. गिरनारार एकवीस तेमकां आसात. तातुंतलीं अंबा, गोंरक्ष, दत्त आनी नेमिनाथ हीं नामनेचीं तेमकां. दोंगराच्या तेमकांक हांगा ‘टूक’ अशें म्हणटात. गिरनारचे अर्दे चडणेर अंबादेवीचें तेमूक मेळटा. हांगा अंबादेवींचे विशाळ अशें सोबीत देवूळ बांदलां. दुसरें तेमूक गोरक्ष. सगल्यांत उंचायेचें तेमूक तें हें. गोरक्षाउपरांत दत्त तेमूक लागता. हांगा श्री दत्तमहाराजान तप केल्लें अशी एक आयकीव

२४

कथा आसा. तांच्यो पादुका थंय आसात. ह्या दोनूय तेमकांमदी नेमिनाथ तेमूक लागता. जैन लोकांचे पवित्र स्थळ तें हेंच. हें तेमूक चडपाक खूब आडखळीचें. धड सपणांय नात आनी धड रस्तोय ना. पूण नेमिनाथाचें देवूळ पळयलेउपरांत हो शीण पयसावता. पयली हें देवूळ लाकडांनी बांदिल्ले आशिल्लें. तें मोडून आतां फातरांनी बांदलां. काळ्या तुकतुकीत फातराची नेमिनाथाची मूर्त खुबूच देखणी आसा. नेमिनाथ हो जैनांचो बाविसावो तिर्थंकार. श्रीकृष्ण आनी बलराम हांचो तो बापोलभाव लागता असें जैनपुराण सांगता. हाचेवयल्यान जैन आनी हिंदू ह्या दोनूय धर्मांचे नातें आसुंये अशें दिसता. सम्राट अशोकान दिल्लो अहिंसेचो मंत्र हांगा फातराचेर कोरांतला. अशें जायते शिलालेख हांगा आसात.

गिरनाराच्या लागींच सासणगिरच्या रानांत व्हडा संख्येन शींव रावतात. आख्ख्या संवसारांत आफ्रिकेचें रान आनी सासणगिरचें रान ह्या दोनूच सुवातांनी शींव मेकळेपणान भोंविल्ले दिसतात. रानाच्या राजाक रानांत मेकळो भोंवता तो लागींच्यान पळोवन मन धादोस जाता. शिंवांक लागीच्यान पळोवपाची संद लोकांक मेळची हेखातीर गुजरात सरकारान तशी खाशेली वेवस्था केल्ली आसा. रानाच्या मदल्या भागांत सरकारी बंगलो आसा. थंय विसव घेतलेउपरांत शींव पळोवंक भायर सरपाचें.

गिरनाराची भोंवडी केल्ल्या भोंवडेकारांच्या काळजांत गिरनार अशेतरेन आपलो उगडास दवरता.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**मुळसांत**–दोंगराच्या पांयांकडेन, **तजवीज**– वेवस्था, **विशाळ**– खूब व्हड, **देखणी**– सोबीत, पळोवपासारकी, **मंत्र**– परिणाम घडोवपी उतरां, **तिर्थंकार**– जैनांचो गुरू, **आयकीव**– आयकल्ली, **शीण पयसावप**– जिवाक थाकाय मेळप.

**वाक्प्रचार :**

**जीव गळ्याकडेन येवप**– थकप, खूब खरशेवप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) पालीताणा शार खंयच्या राज्यांत आसा?



कथा आसा. तांच्यो पादुका थंय आसात. ह्या दोनूय तेमकांमदी नेमिनाथ तेमूक लागता. जैन लोकांचे पवित्र स्थळ तें हेंच. हें तेमूक चडपाक खूब आडखळीचें. धड सपणांय नात आनी धड रस्तोय ना. पूण नेमिनाथाचें देवूळ पळयलेउपरांत हो शीण पयसावता. पयली हें देवूळ लाकडांनी बांदिल्ले आशिल्लें. तें मोडून आतां फातरांनी बांदलां. काळ्या तुकतुकीत फातराची नेमिनाथाची मूर्त खुबूच देखणी आसा. नेमिनाथ हो जैनांचो बाविसावो तिर्थंकार. श्रीकृष्ण आनी बलराम हांचो तो बापोलभाव लागता असें जैनपुराण सांगता. हाचेवयल्यान जैन आनी हिंदू ह्या दोनूय धर्मांचे नातें आसुंये अशें दिसता. सम्राट अशोकान दिल्लो अहिंसेचो मंत्र हांगा फातराचेर कोरांतला. अशें जायते शिलालेख हांगा आसात.

गिरनाराच्या लागींच सासणगिरच्या रानांत व्हडा संख्येन शींव रावतात. आख्ख्या संवसारांत आफ्रिकेचें रान आनी सासणगिरचें रान ह्या दोनूच सुवातांनी शींव मेकळेपणान भोंविल्ले दिसतात. रानाच्या राजाक रानांत मेकळो भोंवता तो लागींच्यान पळोवन मन धादोस जाता. शिंवांक लागीच्यान पळोवपाची संद लोकांक मेळची हेखातीर गुजरात सरकारान तशी खाशेली वेवस्था केल्ली आसा. रानाच्या मदल्या भागांत सरकारी बंगलो आसा. थंय विसव घेतलेउपरांत शींव पळोवंक भायर सरपाचें.

गिरनाराची भोंवडी केल्ल्या भोंवडेकारांच्या काळजांत गिरनार अशेतरेन आपलो उगडास दवरता.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**मुळसांत**–दोंगराच्या पांयांकडेन, **तजवीज**– वेवस्था, **विशाळ**– खूब व्हड, **देखणी**– सोबीत, पळोवपासारकी, **मंत्र**– परिणाम घडोवपी उतरां, **तिर्थंकार**– जैनांचो गुरू, **आयकीव**– आयकल्ली, **शीण पयसावप**– जिवाक थाकाय मेळप.

**वाक्प्रचार :**

**जीव गळ्याकडेन येवप**– थकप, खूब खरशेवप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) पालीताणा शार खंयच्या राज्यांत आसा?

२५

२)	पालीताणा शारांतल्या पांच नांवाजत्या दोंगरांचीं नांवां बरयात.

३)	गिरनाराच्या मुळसाक कितलीं देवळां आसात?

४)	गिरनारचेर नांवाजतीं तेमकां आसात तांचीं नांवां बरयात.

५)	टूक म्हणल्यार कितें?

६)	नेमिनाथाचे देवूळ पळोंवन कसलो शीण पयसावता?

७)	संवसारांतल्या खंयच्या सुवातांनी रानांत मेकळेपणानं भोंवपी शीव दिश्टी पडटात?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)	गिरनार दांगरावयली भोंवडी करपाक कसली वेवस्था केल्ली आसा?

२)	माचुलाची भोंवडे-दर कशी थारायतात?

**भाशाकार्य :**

जैन लोक ह्या शाराक पवित्र तिर्थसुवात मानतात.

ह्या वाक्यांत 'मानतात' हे उतर चालू काळ दाखयता. अशे तरेची वर्तमानकाळ दाखोवपी पाठांतलींच धा उतरां सोदून बरयात.

**स्वाध्याय :**

तुमी पिकनिकेवेळार पळयल्ल्या थळाचें वर्णन धा-बारा वळींनी बरयात.



२)	पालीताणा शारांतल्या पांच नांवाजत्या दोंगरांचीं नांवां बरयात.

३)	गिरनाराच्या मुळसाक कितलीं देवळां आसात?

४)	गिरनारचेर नांवाजतीं तेमकां आसात तांचीं नांवां बरयात.

५)	टूक म्हणल्यार कितें?

६)	नेमिनाथाचे देवूळ पळोंवन कसलो शीण पयसावता?

७)	संवसारांतल्या खंयच्या सुवातांनी रानांत मेकळेपणानं भोंवपी शीव दिश्टी पडटात?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)	गिरनार दांगरावयली भोंवडी करपाक कसली वेवस्था केल्ली आसा?

२)	माचुलाची भोंवडे-दर कशी थारायतात?

**भाशाकार्य :**

जैन लोक ह्या शाराक पवित्र तिर्थसुवात मानतात.

ह्या वाक्यांत 'मानतात' हे उतर चालू काळ दाखयता. अशे तरेची वर्तमानकाळ दाखोवपी पाठांतलींच धा उतरां सोदून बरयात.

**स्वाध्याय :**

तुमी पिकनिकेवेळार पळयल्ल्या थळाचें वर्णन धा-बारा वळींनी बरयात.

# ११. पांयगूण

चंद्रपूर गांवांतले चार वेपारी कापसाचो धंदो करताले. तांचे एकमेकांकडेन बरे संबंद आशिल्ले. कापसाचे साक दवरपाक आसा तो जागो उणो पडटा म्हूण चौगांनीय मेळून एक व्हडलोसो गुदांव भाड्यान घेतलो.

कांय दीस गेले. एक दीस एका वेपाऱ्यान सकाळींफुडें गुदादंव उगडलो. एक माजर ल्हवूच भितर सरलें. मानायांनी ताका धांवडावपाचो यत्न केलो. पूण तें कशेंच भायर सरलें ना. तें पळोवन वेपाऱ्यान म्हणले, ''आसूं रे तें आयचो दीस भितर. फाल्यां पळोवया. तुमचें काम तुमी करात.'' ते मांजर त्या दिसा गुदावांतच उरलें.

दिस्त त्या दिसा वेपाऱ्यांक कापसाचेर खूब फायदो मेळ्ळो. चूगूय खोशी जाले. एकलो म्हणूंक लागलो, ''पळयलें, हो सगलो त्या माजराचो पांयगूण! त्या माजरान आमच्या गुदावांत पांय दवरलो आनी आमकां इतलो फायदो जालो. तें जर सदांच आमच्या गुदावांत रावले जाल्यार आमकां फायदोच फायदो जातलो.'' बाकीच्या वेपाऱ्यांक ताचें म्हणणें पटलें आनी त्या माजराक गुदावांतच दवरपाचें तांणी थारायलें.

हेवटेन गुदावांतले हुंदीर खावन माजरान दोन राती काडल्यो. तिसऱ्या दिसा वेपारी परत गुदावांत आयले. माजर म्यांव म्यांव करीत भुकेनं सामकें वळवळटालें. गुदावांचे दार उगतें जायनाफुडें ते भायर वचपाक सोदूंक लागलें. पूण बऱ्या पांयगुणाच्या माजराक हातचें कशें सोडप असो विचार करून त्या वेपाऱ्यांनी ताका कशेंच भायर वचूंक दिले ना. माजराच्या रडपावयल्यान तें भुकेलां म्हणपाचें तांच्या लक्षांत आयलें. मानायांक धाडून तांणी दूद आनी उंडो हाडून घेतलो. दुदांत फुगोवन ताका खावयलो. एका रित्या साकाची घडी पातळावन माजराक बरें हातरूण करून दिलें.

पूण ही तोखणाय एका दिसाची जाली. फाल्यां कितें? ताका सकाळ-सांज खाण-जेवण कोण दितलो? ते वेपारी सदांच काय गुदावांकडे येनाशिल्ले. हाचेर तांणी एक उपाय सोदून काडलो. सद्दां सकाळीं एकेकल्यान माजराखातीर दूद, उंडो, शीत, नुस्तें हाडून गुदावांत दवरप. तंणी आपसांत दीस वांटून घेतले. आपणाक कितलेय त्रास सोसचे पडल्यार पडूं पूण ह्या बऱ्या पांयगुणाच्या माजराक मात हातचें सोडप ना अशें तांणी थारायलें.

मागीर कितें पळयतले माजराचे थाट! ताका सद्दां बरें बरें नुस्ते, शीत, हुमण मेळूंक लागलें. त्या माजराचें नांव तांणी 'लक्ष्मी' दवरलें. गुदांव उगडून 'लक्ष्मी' म्हूण उलो केलो म्हणटकर खंयूय आशिल्लें माजर 'म्यांव म्यांव' करून वेपाऱ्याच्या म्हऱ्यांत येतालें. ताच्या



# ११. पांयगूण

चंद्रपूर गांवांतले चार वेपारी कापसाचो धंदो करताले. तांचे एकमेकांकडेन बरे संबंद आशिल्ले. कापसाचे साक दवरपाक आसा तो जागो उणो पडटा म्हूण चौगांनीय मेळून एक व्हडलोसो गुदांव भाड्यान घेतलो.

कांय दीस गेले. एक दीस एका वेपाऱ्यान सकाळींफुडें गुदादंव उगडलो. एक माजर ल्हवूच भितर सरलें. मानायांनी ताका धांवडावपाचो यत्न केलो. पूण तें कशेंच भायर सरलें ना. तें पळोवन वेपाऱ्यान म्हणले, ''आसूं रे तें आयचो दीस भितर. फाल्यां पळोवया. तुमचें काम तुमी करात.'' ते मांजर त्या दिसा गुदावांतच उरलें.

दिस्त त्या दिसा वेपाऱ्यांक कापसाचेर खूब फायदो मेळ्ळो. चूगूय खोशी जाले. एकलो म्हणूंक लागलो, ''पळयलें, हो सगलो त्या माजराचो पांयगूण! त्या माजरान आमच्या गुदावांत पांय दवरलो आनी आमकां इतलो फायदो जालो. तें जर सदांच आमच्या गुदावांत रावले जाल्यार आमकां फायदोच फायदो जातलो.'' बाकीच्या वेपाऱ्यांक ताचें म्हणणें पटलें आनी त्या माजराक गुदावांतच दवरपाचें तांणी थारायलें.

हेवटेन गुदावांतले हुंदीर खावन माजरान दोन राती काडल्यो. तिसऱ्या दिसा वेपारी परत गुदावांत आयले. माजर म्यांव म्यांव करीत भुकेनं सामकें वळवळटालें. गुदावांचे दार उगतें जायनाफुडें ते भायर वचपाक सोदूंक लागलें. पूण बऱ्या पांयगुणाच्या माजराक हातचें कशें सोडप असो विचार करून त्या वेपाऱ्यांनी ताका कशेंच भायर वचूंक दिले ना. माजराच्या रडपावयल्यान तें भुकेलां म्हणपाचें तांच्या लक्षांत आयलें. मानायांक धाडून तांणी दूद आनी उंडो हाडून घेतलो. दुदांत फुगोवन ताका खावयलो. एका रित्या साकाची घडी पातळावन माजराक बरें हातरूण करून दिलें.

पूण ही तोखणाय एका दिसाची जाली. फाल्यां कितें? ताका सकाळ-सांज खाण-जेवण कोण दितलो? ते वेपारी सदांच काय गुदावांकडे येनाशिल्ले. हाचेर तांणी एक उपाय सोदून काडलो. सद्दां सकाळीं एकेकल्यान माजराखातीर दूद, उंडो, शीत, नुस्तें हाडून गुदावांत दवरप. तंणी आपसांत दीस वांटून घेतले. आपणाक कितलेय त्रास सोसचे पडल्यार पडूं पूण ह्या बऱ्या पांयगुणाच्या माजराक मात हातचें सोडप ना अशें तांणी थारायलें.

मागीर कितें पळयतले माजराचे थाट! ताका सद्दां बरें बरें नुस्ते, शीत, हुमण मेळूंक लागलें. त्या माजराचें नांव तांणी 'लक्ष्मी' दवरलें. गुदांव उगडून 'लक्ष्मी' म्हूण उलो केलो म्हणटकर खंयूय आशिल्लें माजर 'म्यांव म्यांव' करून वेपाऱ्याच्या म्हऱ्यांत येतालें. ताच्या

२७

पांयांक घश्टतालें. आनी ताणे हाडिल्ल्या खाणा-जेवणार ताव मारताले. रुचीक खाण-जेवण मेळिल्ल्यान लक्ष्मी बरें गुबगुबीत जाल्लें. जेन्ना जेन्ना फायदो जातलो तेन्ना तेन्ना तो माजराच्या पांयगुणानूच अशे तांकां दिसतालें.

अशेतरेन ५/६ म्हयने गेले. दिवाळी चार दिसांचेर आयली. पावस सोंपतलो. आनी लग्नाचो मोसम जातलो, गादयो-उशाखातीर कापसाक बरें मोल येतलें म्हूण चौगूय वेपारी उमेदींत आशिल्ले.

एक दीस वेपारी गुदांवाचे दार धांपता आसताना लक्ष्मी अकस्मात दाराकडे धावलें आनी ताचो पांय दाराखाचींत चिड्डलो. दाराचो पत्रो लागून ताच्या पांयांक घाय जालो. लक्ष्मीचें आकांताळें म्यांव म्यांव आयकून वेपारी सामको भियेलो. ताणें बेगीबेगीन दार उगडलें. पळय जाल्यार लक्ष्मीच्या दावकुलांतल्यान रगत व्हांवता. ताणें आनी कळाव केला? लक्ष्मीक उखल्लें आनी तो दोतोरागेर धांवलो. दोतोरान वखद-विरसद करून ताच्या दुखऱ्या पांयांक मलमपट्टी बांदली. वेपारी ताका ल्हान भुरग्यावरी धरून घेवन आयलो. साकार साक घालून ताचें हातरूण बरें दाट-दाट केलें. आनी ताका अचळय हातरुणार दवरलें. बाकीच्या तिगाय वेपाऱ्यांक ही खबर कळनाफुडें ते धांवत धांवत लक्ष्मीक पळोवंक आयले. जण एकल्यान ताका सांसपिलें-पोशेलें.

दिवाळी दिसा लक्ष्मीक जेवण दिवपाची ज्या वेपाऱ्याची पाळी आशिल्ली, ताका कशेंच गुदांवाकडे येवंक मेळ्ळें ना. म्हूण ताणें आपल्या घरातल्या मानायांक सांगले, ''तूं गुदावांत वचून लक्ष्मीक जेवण दिवन यो.'' धनयांचे सांगणेप्रमाण तो गुदांवांकडे गेलो. दार उगडटकर दारांत अनवळखी मनीस पळोवन लक्ष्मी काचाबूल जालें. आनी सट्ट करून दाराभायर सरलें. मानाय ताका धरूनक वता म्हणसर ते थंयच्यान नाच जालें.

मानाय भिलो. धनयांक कळ्ळ्यार आनी आनी माणसुकी ना. ताणें पांच-धा मिनटां वाट पळयली. पूण लक्ष्मी काय परत आयलें ना. आतां किर्ते करचें ह्या विचारान ताणें हेवटेन तेवटेन पळयलें. गुंदावांक एक ल्हानशे जनेल आसा तें ताका दिसलें. ताणें जेवण गुदावांत दवरलें आनी जनेल उगडलें. 'भूक लागतकर येतलें जनेलांतल्यान' असो विचार करून तो गुदांव धांपून घरा गेलो.

लक्ष्मी कुटत कुटत गांवभर भोवलें. इतले म्हणसर तिनसांज जाली. लोकांनी तुळशीकडें पोरसांत, बल्कावांत सगळेकडें पणट्यो पेटयल्ल्यो लक्ष्मी कुटत कुटत हेवटेन तेवटेन भोंवतना ताच्या दांवखुलाची मलमपट्टी सदळजावन एके पणटेक लागली. मलमपट्टेक उजो पेटलो. लक्ष्मीक धग लागली. तें भियेलें. गुदावांचे दिकेन धांवत सुटलें. आनी उगत्या जनेलांतल्यान ताणें भितर उडकी मारली.



पांयांक घश्टतालें. आनी ताणे हाडिल्ल्या खाणा-जेवणार ताव मारताले. रुचीक खाण-जेवण मेळिल्ल्यान लक्ष्मी बरें गुबगुबीत जाल्लें. जेन्ना जेन्ना फायदो जातलो तेन्ना तेन्ना तो माजराच्या पांयगुणानूच अशे तांकां दिसतालें.

अशेतरेन ५/६ म्हयने गेले. दिवाळी चार दिसांचेर आयली. पावस सोंपतलो. आनी लग्नाचो मोसम जातलो, गादयो-उशाखातीर कापसाक बरें मोल येतलें म्हूण चौगूय वेपारी उमेदींत आशिल्ले.

एक दीस वेपारी गुदांवाचे दार धांपता आसताना लक्ष्मी अकस्मात दाराकडे धावलें आनी ताचो पांय दाराखाचींत चिड्डलो. दाराचो पत्रो लागून ताच्या पांयांक घाय जालो. लक्ष्मीचें आकांताळें म्यांव म्यांव आयकून वेपारी सामको भियेलो. ताणें बेगीबेगीन दार उगडलें. पळय जाल्यार लक्ष्मीच्या दावकुलांतल्यान रगत व्हांवता. ताणें आनी कळाव केला? लक्ष्मीक उखल्लें आनी तो दोतोरागेर धांवलो. दोतोरान वखद-विरसद करून ताच्या दुखऱ्या पांयांक मलमपट्टी बांदली. वेपारी ताका ल्हान भुरग्यावरी धरून घेवन आयलो. साकार साक घालून ताचें हातरूण बरें दाट-दाट केलें. आनी ताका अचळय हातरुणार दवरलें. बाकीच्या तिगाय वेपाऱ्यांक ही खबर कळनाफुडें ते धांवत धांवत लक्ष्मीक पळोवंक आयले. जण एकल्यान ताका सांसपिलें-पोशेलें.

दिवाळी दिसा लक्ष्मीक जेवण दिवपाची ज्या वेपाऱ्याची पाळी आशिल्ली, ताका कशेंच गुदांवाकडे येवंक मेळ्ळें ना. म्हूण ताणें आपल्या घरातल्या मानायांक सांगले, ''तूं गुदावांत वचून लक्ष्मीक जेवण दिवन यो.'' धनयांचे सांगणेप्रमाण तो गुदांवांकडे गेलो. दार उगडटकर दारांत अनवळखी मनीस पळोवन लक्ष्मी काचाबूल जालें. आनी सट्ट करून दाराभायर सरलें. मानाय ताका धरूनक वता म्हणसर ते थंयच्यान नाच जालें.

मानाय भिलो. धनयांक कळ्ळ्यार आनी आनी माणसुकी ना. ताणें पांच-धा मिनटां वाट पळयली. पूण लक्ष्मी काय परत आयलें ना. आतां किर्ते करचें ह्या विचारान ताणें हेवटेन तेवटेन पळयलें. गुंदावांक एक ल्हानशे जनेल आसा तें ताका दिसलें. ताणें जेवण गुदावांत दवरलें आनी जनेल उगडलें. 'भूक लागतकर येतलें जनेलांतल्यान' असो विचार करून तो गुदांव धांपून घरा गेलो.

लक्ष्मी कुटत कुटत गांवभर भोवलें. इतले म्हणसर तिनसांज जाली. लोकांनी तुळशीकडें पोरसांत, बल्कावांत सगळेकडें पणट्यो पेटयल्ल्यो लक्ष्मी कुटत कुटत हेवटेन तेवटेन भोंवतना ताच्या दांवखुलाची मलमपट्टी सदळजावन एके पणटेक लागली. मलमपट्टेक उजो पेटलो. लक्ष्मीक धग लागली. तें भियेलें. गुदावांचे दिकेन धांवत सुटलें. आनी उगत्या जनेलांतल्यान ताणें भितर उडकी मारली.

२८

मानांय माजराक पळोवपाखातीर परत गुदावांकडें येतालो. ताणें लक्ष्मीक जनेलांतल्यान भितर वतना दिस्त पळयलें आनी बेगीबेगीन गुदांवाचें दार उगडूंक गेलो.

मानाय दार उगडून पळयत जाल्यार कापसाच्या सगळ्या साकांनी पेट घेतिल्लो.

खबर कळनाफुडें वेपारी धांवत धांवत गुदावांकडे आयले. कितें घडलें तें तांकां मानायांकडल्यान कळ्ळें. पांयगुणाचेर विश्वास दवरून माजराक गुदावांत दवरलें म्हूण ते एकमेकांक दोश दिवंक लागले. ह्या विज्ञानयुगांत अशेतरेचे अंधश्रद्धेचेर विस्वास दवरप कितलें चुकीचें म्हणपाचे तांकां पटलें.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**अचळय–** अळंग, **अंधश्रद्धा–** कुड्डो समज, **आकांताळें–** भिरांकूळ.

**प्रस्न :**

**अ) दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) चंद्रपूरचे चार वेपारी कसलो धंदो करताले?
२) गुदांवाचें दार उगडनाफुडें कोण भितर सरले?
३) माजरान गुदांवांत कितें खावन दोन राती काडल्यो?
४) वेपाऱ्यांनी माजराचें नांव कितें दवरलें?
५) मानायन गुदांवाचें दार उगडटकर लक्ष्मी काचाबूल कित्याक जालें?

**आ) दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) वेपाऱ्यांनी लक्ष्मीक गुदांवांतच दवरपाचें कित्याक थारायलें?
२) वेपारी लक्ष्मीची कशी अपुरबाय करताले?
३) लक्ष्मीच्या पांयांक घाय कसो जालो?
४) गुदांवांक उजो कसो पेटलो?
५) हे घडणुकेवेल्यान वेपाऱ्यांनी कितें देख घेतली?

**भाशाकार्य :**

'वेपाऱ्यांक कापसाचेर खूब फायदो मेळ्ळो.' ह्या वाक्यांत 'मेळ्ळो' हें उतर फाटलो काळ दाखयता. अशेतरेचीं भूतकाळ दाखोवपी पाठांतलीच धा उतरां सोदून बरयात.

**स्वाध्याय :**

अशे तरेच्यो आमचेमदी आशिल्ल्यो आनिकय कांय अंधश्रद्धा समजून घेवन तांचेर विस्वास दवरप काय ना हाचेर वर्गांत भासाभास करात.



मानांय माजराक पळोवपाखातीर परत गुदावांकडें येतालो. ताणें लक्ष्मीक जनेलांतल्यान भितर वतना दिस्त पळयलें आनी बेगीबेगीन गुदांवाचें दार उगडूंक गेलो.

मानाय दार उगडून पळयत जाल्यार कापसाच्या सगळ्या साकांनी पेट घेतिल्लो.

खबर कळनाफुडें वेपारी धांवत धांवत गुदावांकडे आयले. कितें घडलें तें तांकां मानायांकडल्यान कळ्ळें. पांयगुणाचेर विश्वास दवरून माजराक गुदावांत दवरलें म्हूण ते एकमेकांक दोश दिवंक लागले. ह्या विज्ञानयुगांत अशेतरेचे अंधश्रद्धेचेर विस्वास दवरप कितलें चुकीचें म्हणपाचे तांकां पटलें.

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**अचळय–** अळंग, **अंधश्रद्धा–** कुड्डो समज, **आकांताळें–** भिरांकूळ.

**प्रस्न :**

**अ) दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) चंद्रपूरचे चार वेपारी कसलो धंदो करताले?
२) गुदांवाचें दार उगडनाफुडें कोण भितर सरले?
३) माजरान गुदांवांत कितें खावन दोन राती काडल्यो?
४) वेपाऱ्यांनी माजराचें नांव कितें दवरलें?
५) मानायन गुदांवाचें दार उगडटकर लक्ष्मी काचाबूल कित्याक जालें?

**आ) दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) वेपाऱ्यांनी लक्ष्मीक गुदांवांतच दवरपाचें कित्याक थारायलें?
२) वेपारी लक्ष्मीची कशी अपुरबाय करताले?
३) लक्ष्मीच्या पांयांक घाय कसो जालो?
४) गुदांवांक उजो कसो पेटलो?
५) हे घडणुकेवेल्यान वेपाऱ्यांनी कितें देख घेतली?

**भाशाकार्य :**

'वेपाऱ्यांक कापसाचेर खूब फायदो मेळ्ळो.' ह्या वाक्यांत 'मेळ्ळो' हें उतर फाटलो काळ दाखयता. अशेतरेचीं भूतकाळ दाखोवपी पाठांतलीच धा उतरां सोदून बरयात.

**स्वाध्याय :**

अशे तरेच्यो आमचेमदी आशिल्ल्यो आनिकय कांय अंधश्रद्धा समजून घेवन तांचेर विस्वास दवरप काय ना हाचेर वर्गांत भासाभास करात.

२९

# १२. पर्यावरण



**रूख** : आरे, आरे, सुनील, हें कितें उडयता रे हांगा? ए ऽ, थंय कितें पळयता? हांगा पळय. हेवटेन, फाटल्यान. हय रे. हांवच रे, हांव येदो व्हडलो रूख हांगा उबों आसां तो तुका दिसना? सुनील, आतां तुवें म्हज्या मुळांत कितें उडयलां तें जाणा तूं?

**सुनील** : हय. सायकलीचे आटे पेत्रोलान बरे पुसल्यात आनी तें म्हेंळें पेत्रोल हांगा उडयला.

**रूख** : पेत्रोलाचे इबाड करता मरें तूं! आटे उदकान धुवंक येनासले? आनी तें म्हेंळे पेत्रोल म्हज्या मुळांतच कित्याक उडोवंक जाय आसलें?

**सुनील** : खंयूय तरी उडोवपाचें तें तुज्या मुळांत उडयलें.



# १२. पर्यावरण



**रूख** : आरे, आरे, सुनील, हें कितें उडयता रे हांगा? ए ऽ, थंय कितें पळयता? हांगा पळय. हेवटेन, फाटल्यान. हय रे. हांवच रे, हांव येदो व्हडलो रूख हांगा उबों आसां तो तुका दिसना? सुनील, आतां तुवें म्हज्या मुळांत कितें उडयलां तें जाणा तूं?

**सुनील** : हय. सायकलीचे आटे पेत्रोलान बरे पुसल्यात आनी तें म्हेंळें पेत्रोल हांगा उडयला.

**रूख** : पेत्रोलाचे इबाड करता मरें तूं! आटे उदकान धुवंक येनासले? आनी तें म्हेंळे पेत्रोल म्हज्या मुळांतच कित्याक उडोवंक जाय आसलें?

**सुनील** : खंयूय तरी उडोवपाचें तें तुज्या मुळांत उडयलें.

३०

**रूख** : ह्या म्हेळ्या पेत्रोलान म्हाका कितले त्रास भोगचे पडटात, ते जाणा तूं?

**सुनील** : तुका आनी कसले त्रास तातूंत? हावें तें तुज्या मुळांत, जमनीर उडयलां.

**रूख** : हीच ती पिशेपणां. हे धर्तरी मातेक तुमी असल्यानीच काबार करतात. भुंयेवांगडा आपलेय लुकसाण करून घेतात तुमी.

**सुनील** : तें कशें?

**रूख** : पृथ्वीचेर जीवसृश्ट आसा म्हूण जाणा मरे तूं?

**सुनील** : हय.

**रूख** : हय मरे. आतां सांग. अशे हे धर्तरेची जतनाय करप ही तुमची लागणूक न्हय?

**सुनील** : पूण रूखा, तुका त्रास जालो जाल्यार धर्तरेर कसलें अरिश्ट येतलें?

**रूख** : हेंच तें! तुज्यासारक्या भुरग्याक धर्तरेचें सगळें गिन्यान आसूंक जाय. ही जमीन बरी आसली, पिकाळ आसली जाल्यारूच सगळीं झाडां जिवीं उतरलीं. झाडां निरोगी उरलीं जाल्यारूच तुमची भलायकी बरी उरतली. तुमी मनीस आपणांक बुदवंत समजतात. पूण दिसपट्टीं झाडां कातरून आपलेंच मरण ओडून घेतात.

**सुनील** : मरण? तें कशें?

**रूख** : झाडां काबार जालीं जाल्यार मनीसजात ना नपयत जातली. तुमकां सगळ्यां प्राण्यांक गरजेची वस्त म्हणल्यार प्राणवाय. तो तुमकां आमी दितात. तुमकां खाण, जेवण, फळां, फुलां आमीच दितात. भुंयेची जतनाय बरेतरेन केली जाल्यारच सगले प्राणी जगतले. पूण तुमी उदरगतीच्या नांवान विध्वंस करीत आसात.

**सुनील** : विध्वंस? तो कसो? तूं कितें म्हणटा तें म्हाका बरें कळूंक ना.

**रूख** : हें पळय, सांगता. पोलिथीनाचीच देख घे. पोलिथीन हो एक भिरांकूळ पदार्थ.



**रूख** : ह्या म्हेळ्या पेत्रोलान म्हाका कितले त्रास भोगचे पडटात, ते जाणा तूं?

**सुनील** : तुका आनी कसले त्रास तातूंत? हावें तें तुज्या मुळांत, जमनीर उडयलां.

**रूख** : हीच ती पिशेपणां. हे धर्तरी मातेक तुमी असल्यानीच काबार करतात. भुंयेवांगडा आपलेय लुकसाण करून घेतात तुमी.

**सुनील** : तें कशें?

**रूख** : पृथ्वीचेर जीवसृश्ट आसा म्हूण जाणा मरे तूं?

**सुनील** : हय.

**रूख** : हय मरे. आतां सांग. अशे हे धर्तरेची जतनाय करप ही तुमची लागणूक न्हय?

**सुनील** : पूण रूखा, तुका त्रास जालो जाल्यार धर्तरेर कसलें अरिश्ट येतलें?

**रूख** : हेंच तें! तुज्यासारक्या भुरग्याक धर्तरेचें सगळें गिन्यान आसूंक जाय. ही जमीन बरी आसली, पिकाळ आसली जाल्यारूच सगळीं झाडां जिवीं उतरलीं. झाडां निरोगी उरलीं जाल्यारूच तुमची भलायकी बरी उरतली. तुमी मनीस आपणांक बुदवंत समजतात. पूण दिसपट्टीं झाडां कातरून आपलेंच मरण ओडून घेतात.

**सुनील** : मरण? तें कशें?

**रूख** : झाडां काबार जालीं जाल्यार मनीसजात ना नपयत जातली. तुमकां सगळ्यां प्राण्यांक गरजेची वस्त म्हणल्यार प्राणवाय. तो तुमकां आमी दितात. तुमकां खाण, जेवण, फळां, फुलां आमीच दितात. भुंयेची जतनाय बरेतरेन केली जाल्यारच सगले प्राणी जगतले. पूण तुमी उदरगतीच्या नांवान विध्वंस करीत आसात.

**सुनील** : विध्वंस? तो कसो? तूं कितें म्हणटा तें म्हाका बरें कळूंक ना.

**रूख** : हें पळय, सांगता. पोलिथीनाचीच देख घे. पोलिथीन हो एक भिरांकूळ पदार्थ.

३१

**सुनील** : भिरांकूळ कित्याक?

**रूख** : तो एकदां तयार जालो म्हणटकर केन्नाच नश्ट जायना. ल्हासून ताचो गोबर जायना वा कुसून ताचें सारें जायना.

**सुनील** : पूण ताचो उपेग कितलो जाता जाणा तूं? पयलीं सामान हाडपाक बाजारांत वतना पोतयो व्हरच्यो पडटाल्यो. सामान हाडटकर त्यो पोतयो उमळून, सुकोवन दुसरे फावटीं व्हरपाक सांबाळून दवरच्यो पडटलो. तशेंच दुदाक वतना पयली बाटली व्हरची पडटाली. आतां ती कटकट ना.
नुस्तें हाडलें, पोती भायर उडली. दुदाची पोती घेतली. दूद ओतलें, पोती भायर उडयली.

**रूख** : हय रे. पूण तुमी एका फाटल्यान एक पोलिथीनच्यो पोतयो भायर उडोवंक लागले जाल्यार तुमच्याच घरांतल्यो सप्तकाक कितल्यो पातयो भायर पडटल्यो हाची तूंच कल्पना कर.

**सुनील** : तशें जाल्यार मागीर हाचेर उपाय कितें?

**रूख** : उपाय तुमीच चितूंक जाय. तुमी जर अशोच पोतयो उडयत रावले तर एक दीस जमीन पोतयांनी भरून वतली. मागीर जमनीचो सार इबाडटलो. ती पीक दिवंक शकचीना. झाडां जगचीं नात. मागीर केदें अरिश्ट येतलें चितलां तुमी?

**सुनील** : आवयस्! हांवें हें चितूंकूच नाशिल्लें.

**रूख** : हें कांयच न्हय! पोलिथीनची पोती मातयेंत एकजीव जायना. ताकालागून तिचेर पडिल्लें हळशिकेंत,उदकांत जीवजंतू जातात. पोतयो वाऱ्यावांगडा हुबून पयस पावतात. आनी अशेतरेन रोग पातळपाक तें एक साधन जाता.

**सुनील** : म्हणटकर आयच्यान आमी पोलिथीनचो वापर सामको उणो करूंक जाय.

**रूख** : हय, आतां म्हाका एक सांग, घरांतलो दिसपट्टो कोयर तुमी खंय उडयतात?

**सुनील** : खंय म्हणल्यार नगरपालिकेच्या डब्यांत वा व्हाळांत.

३२

**सुनील** : भिरांकूळ कित्याक?

**रूख** : तो एकदां तयार जालो म्हणटकर केन्नाच नश्ट जायना. ल्हासून ताचो गोबर जायना वा कुसून ताचें सारें जायना.

**सुनील** : पूण ताचो उपेग कितलो जाता जाणा तूं? पयलीं सामान हाडपाक बाजारांत वतना पोतयो व्हरच्यो पडटाल्यो. सामान हाडटकर त्यो पोतयो उमळून, सुकोवन दुसरे फावटीं व्हरपाक सांबाळून दवरच्यो पडटलो. तशेंच दुदाक वतना पयली बाटली व्हरची पडटाली. आतां ती कटकट ना.
नुस्तें हाडलें, पोती भायर उडली. दुदाची पोती घेतली. दूद ओतलें, पोती भायर उडयली.

**रूख** : हय रे. पूण तुमी एका फाटल्यान एक पोलिथीनच्यो पोतयो भायर उडोवंक लागले जाल्यार तुमच्याच घरांतल्यो सप्तकाक कितल्यो पातयो भायर पडटल्यो हाची तूंच कल्पना कर.

**सुनील** : तशें जाल्यार मागीर हाचेर उपाय कितें?

**रूख** : उपाय तुमीच चितूंक जाय. तुमी जर अशोच पोतयो उडयत रावले तर एक दीस जमीन पोतयांनी भरून वतली. मागीर जमनीचो सार इबाडटलो. ती पीक दिवंक शकचीना. झाडां जगचीं नात. मागीर केदें अरिश्ट येतलें चितलां तुमी?

**सुनील** : आवयस्! हांवें हें चितूंकूच नाशिल्लें.

**रूख** : हें कांयच न्हय! पोलिथीनची पोती मातयेंत एकजीव जायना. ताकालागून तिचेर पडिल्लें हळशिकेंत,उदकांत जीवजंतू जातात. पोतयो वाऱ्यावांगडा हुबून पयस पावतात. आनी अशेतरेन रोग पातळपाक तें एक साधन जाता.

**सुनील** : म्हणटकर आयच्यान आमी पोलिथीनचो वापर सामको उणो करूंक जाय.

**रूख** : हय, आतां म्हाका एक सांग, घरांतलो दिसपट्टो कोयर तुमी खंय उडयतात?

**सुनील** : खंय म्हणल्यार नगरपालिकेच्या डब्यांत वा व्हाळांत.

**रूख** : आरे, पूण ताचेपरस एक सामको बरो उपाय आसा मरे. तुमी लोक तर सोपेपणान तो करूंक शकतात. घराकुशीक तरी मेकळो जागो असताच. ह्या जाग्यांत एक फोण खणून तातूंत हो कोयर दिसपट्टो उडोवचो. अर्दीमर्दी वयर मातयेचो थर घालचो. तीन-चार म्हयन्यांनी सारें तयार जाता. हें सारें आमकां उपेगी पडटा.

**सुनील** : पूण बाजारांत सारें मेळटा न्हय? बाबान पयर चिकू आनी निरपणसाच्या झाडांक घालूंक हाडिल्लें. विकतें मेळटा आसतना इतल्यो कटकटी कित्याक?

**रूख** : हेंच तें. आरे, विकतें हाडूक पयशे पडनात? दरेकल्यान हें सारें घराकडेन तयार केलें जाल्यार कोयराचो विलो लागतलो आनी सारेंय मेळटलें. अशेतरेन तुमी सगळ्यांनी पर्यावरणाची जतनाय घेतली जाल्यार धतरेवयलें अरिश्ट निस्तरतलें.

**सुनील** : रूखा, तूं बऱ्यो पर्यावरणाच्यो खबरो जाणा मरे. फाल्यांसावन हांव सुद्दां तुज्या म्हऱ्यांत येवन बसतलों. म्हाका अशोच पर्यावरणाच्यो खबरो सांग आं. पर्यावरणाची जतनाय कशी कशी घेवं येता, तेखातीर आमी कितें कितें करूंक जाय, सगळें सांग. हांव मागीर आई-बाबाक आनी शेजाऱ्यांक सांगतां. म्हज्या वर्गांतल्या म्हज्या इश्टांकलेगीत सांगतां. आनी सगळ्यांक पर्यावरणाची जतनाय घेवपाक लायतां.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**जीव सृश्ट–** सैमांतली जिवावळ, **ना नपयत–** सामकें नश्ट, **सार–** कस, **विलो लावप–** ना करप

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) सुनीलान पेट्रोल खंय रकयलें?

२) धतरीसंबंदान मनशाची लागणूक कितें?

३) आमकां प्राणवाय कोण दिता?

४) पोलिथीन हो भिरांकूळ पदार्थ कित्याक?



**रूख** : आरे, पूण ताचेपरस एक सामको बरो उपाय आसा मरे. तुमी लोक तर सोपेपणान तो करूंक शकतात. घराकुशीक तरी मेकळो जागो असताच. ह्या जाग्यांत एक फोण खणून तातूंत हो कोयर दिसपट्टो उडोवचो. अर्दीमर्दी वयर मातयेचो थर घालचो. तीन-चार म्हयन्यांनी सारें तयार जाता. हें सारें आमकां उपेगी पडटा.

**सुनील** : पूण बाजारांत सारें मेळटा न्हय? बाबान पयर चिकू आनी निरपणसाच्या झाडांक घालूंक हाडिल्लें. विकतें मेळटा आसतना इतल्यो कटकटी कित्याक?

**रूख** : हेंच तें. आरे, विकतें हाडूक पयशे पडनात? दरेकल्यान हें सारें घराकडेन तयार केलें जाल्यार कोयराचो विलो लागतलो आनी सारेंय मेळटलें. अशेतरेन तुमी सगळ्यांनी पर्यावरणाची जतनाय घेतली जाल्यार धतरेवयलें अरिश्ट निस्तरतलें.

**सुनील** : रूखा, तूं बऱ्यो पर्यावरणाच्यो खबरो जाणा मरे. फाल्यांसावन हांव सुद्दां तुज्या म्हऱ्यांत येवन बसतलों. म्हाका अशोच पर्यावरणाच्यो खबरो सांग आं. पर्यावरणाची जतनाय कशी कशी घेवं येता, तेखातीर आमी कितें कितें करूंक जाय, सगळें सांग. हांव मागीर आई-बाबाक आनी शेजाऱ्यांक सांगतां. म्हज्या वर्गांतल्या म्हज्या इश्टांकलेगीत सांगतां. आनी सगळ्यांक पर्यावरणाची जतनाय घेवपाक लायतां.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**जीव सृश्ट–** सैमांतली जिवावळ, **ना नपयत–** सामकें नश्ट, **सार–** कस, **विलो लावप–** ना करप

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) सुनीलान पेट्रोल खंय रकयलें?

२) धतरीसंबंदान मनशाची लागणूक कितें?

३) आमकां प्राणवाय कोण दिता?

४) पोलिथीन हो भिरांकूळ पदार्थ कित्याक?

३३

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) झाडां मनीसजातीक जिंवीं कशीं दवरतात?

२) पोलिथीनच्या पोतयांचो जमनीचेर वायट परिणाम कसो जाता?

३) घरांतल्या कोयराचो फाव तो उपेग आमच्यानी कसो करूं येता?

**भाशाकार्य :**

'फाल्यांसावन हांव सद्दां तुज्या म्हऱ्यांत येवन बसतलों.' ह्या वाक्यांत 'बसतलो' हें उतर फुडलो काळ दाखयता. अशेतरेचीं भविश्यकाळ दाखोवपी पाठांतलींच पांच-सात उतरां सोदून बरयांत.

**स्वाध्याय :**

'पर्यावरणाची जतनाय' ह्या विशयाचेर ७/८ वळींचो एक परिच्छेद बरयात.



**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) झाडां मनीसजातीक जिंवीं कशीं दवरतात?

२) पोलिथीनच्या पोतयांचो जमनीचेर वायट परिणाम कसो जाता?

३) घरांतल्या कोयराचो फाव तो उपेग आमच्यानी कसो करूं येता?

**भाशाकार्य :**

'फाल्यांसावन हांव सद्दां तुज्या म्हऱ्यांत येवन बसतलों.' ह्या वाक्यांत 'बसतलो' हें उतर फुडलो काळ दाखयता. अशेतरेचीं भविश्यकाळ दाखोवपी पाठांतलींच पांच-सात उतरां सोदून बरयांत.

**स्वाध्याय :**

'पर्यावरणाची जतनाय' ह्या विशयाचेर ७/८ वळींचो एक परिच्छेद बरयात.

३४

# १३. बापूजी

धन्य धन्य महात्मा गांधी
बापूजी आमचे म्हान
व्हड देशाचे व्हड नेते
उंचेलें तांचें स्थान

अहिंसेचो मार्ग आपणावन
राखलो मनीस-धर्म
एकूच विचार आसलो तांचो
करात बरें कर्म

व्हड देशाचे व्हड नेते
विशाल तांचें मन
एकचारांचे रोयलें रोप
देखलें एक सपन

शांतताये दूत जावन
रचलें एक कवन
सगलीं मेळून झटूंक जाय
करूंक भारत म्हान

–अमिता सुर्लकार



१३. बापूजी

धन्य धन्य महात्मा गांधी
बापूजी आमचे म्हान
व्हड देशाचे व्हड नेते
उंचेलें तांचें स्थान

अहिंसेचो मार्ग आपणावन
राखलो मनीस-धर्म
एकूच विचार आसलो तांचो
करात बरें कर्म

व्हड देशाचे व्हड नेते
विशाल तांचें मन
एकचारांचे रोयलें रोप
देखलें एक सपन

शांतताये दूत जावन
रचलें एक कवन
सगलीं मेळून झटूंक जाय
करूंक भारत म्हान

–अमिता सुर्लकार

३५

# १४. दोळ्यांची गरज

एका गांवांत एक पसरकार रावतालो. ताचें खरें नांव नागेश. पूण लोक ताका 'नागी पसरकार' म्हूण वळखताले. ताचे दोगूय पूत ल्हान आसतानाच ताची बायल भायर पडली. नागीन हाडांचीं काडां करून दोगांय पुतांक ल्हानाचे व्हड केले. बरें शिक्षण दिलें. व्हडल्या पुताक दोतोर केलो आनी धाकल्याक आदोगाद.

कांय वर्सां गेलीं. नागीं जाणटो जालो. ल्हवू-ल्हवू ताचे केंस पिकूंक लागले. दाव्या दोळ्यान दिसना जालें. उजव्या दोळ्यान उणें दिसपाक लागलें.

आपल्याक एका दोळ्यान दिसना ही खबर ताणें एकाय पुताक कळूंक दिलीना. तेच परिस्थितींत तो सगळीं कामां करतालो.

सदांच फांतोडेर पासयेक वचपाची ताका आदींपासुनूच संवंय आसली. नदर उणी जाली तरी पासयेक वचपाचें आनी पसऱ्यार रावपाचे ताणें सोडलें ना. तेचनिमतान आपणाक थोडो तरी व्यायाम जाता अशें तो म्हणटालो. सवकासायेन तो पासयेक वतालो आनी जमता तशीं पसऱ्यावयलीं कामां करतालो.

दोगूय पूत सभावान एकदम बरे आसले. बापायक खूब मान दिताले. ताका कांयच उणें पडूंक दिनासले. जाणटेपणांत बापायक चडांत चड विसव मेळचो म्हूण ते ताका पसरो बंद दवरूंक सांगताले. पूण नागी कानामनार घेनासलो.

एक दीस पासयेक वचपाक भायर सरता आसतना घरामुखारूच नागी एके मोटारीपोंदा पडपाचो. गाडयेचो ब्रेक लागलो म्हूण वाटावलो.

त्या दिसा दोगूय पूत बापायचेर खूब रागार जाले. दोगांयनी ताका बरोच तापयलो.

"पापा, तूं जाणटो जाला! पासयेक वचूं नाका." – व्हडलो पूत.

"पसरो उगतो करूं नाका. ओल्तेराचेर बसून विसव घे." धाकलो.

पुतांची मोगाळ तापोवणी नागीन तोंड धांपून आयकली. पसरो बंद केलो. पूण पासयेक गेलेबगर ताका बाबड्याक सूख लागनासलें. पूत उठचेपयलींच एक भोंवडी मारून तो येतालो.

कांय दिसांनी ताका उजव्याय दोळ्यान दिसना जाले. तो सामकोच कुड्डो जालो. आतां



# १४. दोळ्यांची गरज

एका गांवांत एक पसरकार रावतालो. ताचें खरें नांव नागेश. पूण लोक ताका 'नागी पसरकार' म्हूण वळखताले. ताचे दोगूय पूत ल्हान आसतानाच ताची बायल भायर पडली. नागीन हाडांचीं काडां करून दोगांय पुतांक ल्हानाचे व्हड केले. बरें शिक्षण दिलें. व्हडल्या पुताक दोतोर केलो आनी धाकल्याक आदोगाद.

कांय वर्सां गेलीं. नागीं जाणटो जालो. ल्हवू-ल्हवू ताचे केंस पिकूंक लागले. दाव्या दोळ्यान दिसना जालें. उजव्या दोळ्यान उणें दिसपाक लागलें.

आपल्याक एका दोळ्यान दिसना ही खबर ताणें एकाय पुताक कळूंक दिलीना. तेच परिस्थितींत तो सगळीं कामां करतालो.

सदांच फांतोडेर पासयेक वचपाची ताका आदींपासुनूच संवंय आसली. नदर उणी जाली तरी पासयेक वचपाचें आनी पसऱ्यार रावपाचे ताणें सोडलें ना. तेचनिमतान आपणाक थोडो तरी व्यायाम जाता अशें तो म्हणटालो. सवकासायेन तो पासयेक वतालो आनी जमता तशीं पसऱ्यावयलीं कामां करतालो.

दोगूय पूत सभावान एकदम बरे आसले. बापायक खूब मान दिताले. ताका कांयच उणें पडूंक दिनासले. जाणटेपणांत बापायक चडांत चड विसव मेळचो म्हूण ते ताका पसरो बंद दवरूंक सांगताले. पूण नागी कानामनार घेनासलो.

एक दीस पासयेक वचपाक भायर सरता आसतना घरामुखारूच नागी एके मोटारीपोंदा पडपाचो. गाडयेचो ब्रेक लागलो म्हूण वाटावलो.

त्या दिसा दोगूय पूत बापायचेर खूब रागार जाले. दोगांयनी ताका बरोच तापयलो.

"पापा, तूं जाणटो जाला! पासयेक वचूं नाका." – व्हडलो पूत.

"पसरो उगतो करूं नाका. ओल्तेराचेर बसून विसव घे." धाकलो.

पुतांची मोगाळ तापोवणी नागीन तोंड धांपून आयकली. पसरो बंद केलो. पूण पासयेक गेलेबगर ताका बाबड्याक सूख लागनासलें. पूत उठचेपयलींच एक भोंवडी मारून तो येतालो.

कांय दिसांनी ताका उजव्याय दोळ्यान दिसना जाले. तो सामकोच कुड्डो जालो. आतां

३६

ही गजाल लिपोवन दवरप शक्य नासलें. पुतांक कळपाचें कळ्ळेंच. ताणी ताका बेगोबेग दोळ्यांच्या दोतोराकडें व्हेलो. दोतोरान तपासणी करून सांगलें, ''ल्हानशें ऑपरेशन करचें पडटलें.''

'ऑपरेशन'हे उतर आयकून नागी मनांतल्याने भियेलो.

''ना. हांव ऑपरेशन करून कसोच घेवपाचों ना.'' ताणें म्हणलें.

पुतांनी ताका घरा हाडून खूब समजायलो पूण शस्त्रक्रिया करून घेवपाक तो कसोच तयार जालोना. ताणें म्हणलें, ''आतां म्हाकां दोळे कितें करूंक जाय? म्हजे कितलेशे दीस उरल्यात? हांव केन्ना मरन सांगू नज.''

''आमी तुजे येदे व्हडले जोडकार पूत आसताना तुवें असो कुड्डो जावन घरांत पडप?'' व्हडल्या पुतान म्हणलें.

नागीन शांतपणान आयकून घेतलें, ''पुतांनो, कोण म्हणटा हांव कुड्डो म्हूण? म्हाका एक आनी दोन न्हय, चार दोळे आसात चार! इतले दोळे आसतना हांव कुड्डो कसो? सांगात.''

नागीच्या उलोवपाचो तांकां कांयच बोध जालो ना.

''चार दोळे?'' दोगायनी एकदम विचारलें.

''हय. तुजी म्हजेर जिवापरस चड मोग करतात. तुमी दोगूय म्हजे पूत. मागीर तुमचे दोळेय म्हजेच जालेना? दोग जाणांचे चार दोळे.''

बापायची जाप आयकून पूत ओगी पडले. दोगूय आपापणाल्या कामाक गेले. नागी घरांत एकलोच उरलो. ताका वाज आयलो. दोळ्यांनी दिसनाशिल्ल्यान टिवीवयल्यो कार्यावळी ताका पळोवंक मेळनाशिल्ल्यो. खबरांपत्रांय वाचूंक शकनाशिल्लो. ताणे रेडियो लायलो आनी ओल्तेरांत लवंडून गितांच्या तालार पांय हालोवंक लागलो.

अकस्मात रेडियो बंद जालो. सुर्ऽ सुर्ऽऽ असो आवाज ताका आयकूंक आयलो. म्हणटा म्हणसर कितें तरी जळिल्ल्याचो वास आयलो. धुंवर त्याच्या नाकांत गेलो. पूण कुड्डो आशिल्ल्याने कितें घडटा तें ताका कशें दिसतलें?

वायरींचो उजो जनेलांच्या पड्ड्यांक लागलो. कागदां, कपडे, कदेली, मेजां, आलमारी



ही गजाल लिपोवन दवरप शक्य नासलें. पुतांक कळपाचें कळ्ळेंच. ताणी ताका बेगोबेग दोळ्यांच्या दोतोराकडें व्हेलो. दोतोरान तपासणी करून सांगलें, ''ल्हानशें ऑपरेशन करचें पडटलें.''

'ऑपरेशन'हे उतर आयकून नागी मनांतल्याने भियेलो.

''ना. हांव ऑपरेशन करून कसोच घेवपाचों ना.'' ताणें म्हणलें.

पुतांनी ताका घरा हाडून खूब समजायलो पूण शस्त्रक्रिया करून घेवपाक तो कसोच तयार जालोना. ताणें म्हणलें, ''आतां म्हाकां दोळे कितें करूंक जाय? म्हजे कितलेशे दीस उरल्यात? हांव केन्ना मरन सांगू नज.''

''आमी तुजे येदे व्हडले जोडकार पूत आसताना तुवें असो कुड्डो जावन घरांत पडप?'' व्हडल्या पुतान म्हणलें.

नागीन शांतपणान आयकून घेतलें, ''पुतांनो, कोण म्हणटा हांव कुड्डो म्हूण? म्हाका एक आनी दोन न्हय, चार दोळे आसात चार! इतले दोळे आसतना हांव कुड्डो कसो? सांगात.''

नागीच्या उलोवपाचो तांकां कांयच बोध जालो ना.

''चार दोळे?'' दोगायनी एकदम विचारलें.

''हय. तुजी म्हजेर जिवापरस चड मोग करतात. तुमी दोगूय म्हजे पूत. मागीर तुमचे दोळेय म्हजेच जालेना? दोग जाणांचे चार दोळे.''

बापायची जाप आयकून पूत ओगी पडले. दोगूय आपापणाल्या कामाक गेले. नागी घरांत एकलोच उरलो. ताका वाज आयलो. दोळ्यांनी दिसनाशिल्ल्यान टिवीवयल्यो कार्यावळी ताका पळोवंक मेळनाशिल्ल्यो. खबरांपत्रांय वाचूंक शकनाशिल्लो. ताणे रेडियो लायलो आनी ओल्तेरांत लवंडून गितांच्या तालार पांय हालोवंक लागलो.

अकस्मात रेडियो बंद जालो. सुर्ऽ सुर्ऽऽ असो आवाज ताका आयकूंक आयलो. म्हणटा म्हणसर कितें तरी जळिल्ल्याचो वास आयलो. धुंवर त्याच्या नाकांत गेलो. पूण कुड्डो आशिल्ल्याने कितें घडटा तें ताका कशें दिसतलें?

वायरींचो उजो जनेलांच्या पड्ड्यांक लागलो. कागदां, कपडे, कदेली, मेजां, आलमारी

३७

करतां करतां सगळें घरूच उज्यान पेटलें. नागी आकांतान हुयेली मारूंक लागलो. पूण घरांत आसा कोण ताका भायर काडपाक? वचत तेवटेन उज्याचो हुलप. उजो चुकोवन भायर येतलो म्हणल्यार ताका दिसनाशिल्लें.

वाड्यावयले सगळे लोक घराभोंवतणी एकठावले. उदक मारून उजो पालोवपाचो यत्न करूंक लागले. पूण पेट्ट्या घरांत नागीम्हऱ्यांत वचपाक कोणूच फुडें सरना जालो. एकल्यान कोणेतरी ताच्या व्हडल्या पुताक फोन केलो. दुसऱ्यान कोणेंतरी धाकल्या पुताक फोन केलो.

नागीक आपली चूक कळून आयली.

''पूत म्हजे खरे, तांचे दोळेय म्हजेच. पूण ह्या वेळार ते दोळे म्हाका खंय उपकारतात?'' आपणाकय दोश दीत तो पेट्ट्या घराभितर एकलोच रडपाक लागलो.

इतल्यांत उज्यांतल्यान वाट काडीत ताचे दोगूय पूत ताच्या म्हऱ्यांत पावले. दोगांयनी बापायक उबारलो आनी वाडट्या उज्याची पर्वा करिनासतना घराभायर हाडलो.

घराचो मात लासून गोबर जालो.

नागीन दोनूय हात पुतांच्या खांदार घालून म्हणलें, ''म्हाका आतांच्या आतां हॉस्पिटलांत व्हरात. हांव दोळ्यांचें ऑपरेशन करून घेवपाक तयार आसा. म्हज्या दोळ्यांची म्हाका गरज आसा.''

---

**वाक्प्रचार :**

**भायर पडप –** मरप, **हाडांचीं काडां करप–** खूब कश्ट करप, **कानामनार घेवप ना –** आयकप ना, **धारेर धरप–** तिडकीन उलोवप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) नागेशाक लोक कितें म्हणून वळखताले?

२) नागीक कसली संवंय आसली?

३) दोळ्यांची तपासणी करून दोतोरान कितें सांगलें?



करतां करतां सगळें घरूच उज्यान पेटलें. नागी आकांतान हुयेली मारूंक लागलो. पूण घरांत आसा कोण ताका भायर काडपाक? वचत तेवटेन उज्याचो हुलप. उजो चुकोवन भायर येतलो म्हणल्यार ताका दिसनाशिल्लें.

वाड्यावयले सगळे लोक घराभोंवतणी एकठावले. उदक मारून उजो पालोवपाचो यत्न करूंक लागले. पूण पेट्ट्या घरांत नागीम्हऱ्यांत वचपाक कोणूच फुडें सरना जालो. एकल्यान कोणेतरी ताच्या व्हडल्या पुताक फोन केलो. दुसऱ्यान कोणेंतरी धाकल्या पुताक फोन केलो.

नागीक आपली चूक कळून आयली.

''पूत म्हजे खरे, तांचे दोळेय म्हजेच. पूण ह्या वेळार ते दोळे म्हाका खंय उपकारतात?'' आपणाकय दोश दीत तो पेट्ट्या घराभितर एकलोच रडपाक लागलो.

इतल्यांत उज्यांतल्यान वाट काडीत ताचे दोगूय पूत ताच्या म्हऱ्यांत पावले. दोगांयनी बापायक उबारलो आनी वाडट्या उज्याची पर्वा करिनासतना घराभायर हाडलो.

घराचो मात लासून गोबर जालो.

नागीन दोनूय हात पुतांच्या खांदार घालून म्हणलें, ''म्हाका आतांच्या आतां हॉस्पिटलांत व्हरात. हांव दोळ्यांचें ऑपरेशन करून घेवपाक तयार आसा. म्हज्या दोळ्यांची म्हाका गरज आसा.''

**वाक्प्रचार :**

**भायर पडप –** मरप, **हाडांचीं काडां करप–** खूब कश्ट करप, **कानामनार घेवप ना –** आयकप ना, **धारेर धरप–** तिडकीन उलोवप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) नागेशाक लोक कितें म्हणून वळखताले?

२) नागीक कसली संवंय आसली?

३) दोळ्यांची तपासणी करून दोतोरान कितें सांगलें?

३८

४)   वाज आयलो तेन्ना नागीन किर्ते केलें?

५)   रेडियो कित्याकलागून बंद जालो?

६)   नागी उजो चुकोवन घरांतल्यान भायर कित्याक आयलो ना?

७)   नागीक उज्यांतल्यान कोणे वाटायलो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)   पूत बापायलागीं कशें वागताले?

२)   लोकांनी उजो पालोवखातीर किर्ते केलें?

३)   पेट्ट्या घराभितर एकलोच आसलो तेन्ना नागीच्या मनांत आयिल्ले विचार बरयात.

४)   आपणाक चार दोळे आसात अशें नागी कित्याक म्हणटालो?

**भाशाकार्य :**

**अ) सकयल दिल्यांत त्या उतरांचें लिंग वळखून बरयात.**

पसरो, दोळो, बायल, पूत, वर्स, फांतोड, ओल्तेर, पायस, तापोवणी, गजाल, सूट, कुड्डो.

**आ) सकयल दिल्लीं अक्षरां आनी कुरवो मेळोवन उतरां घडयात.**

प+ ू+ त,+ द + ो + त + ो + र, + फ + ां + त + ो + ड + ॅ + र, + त + प + ा + स + ण + ी

❑❑❑



४)   वाज आयलो तेन्ना नागीन किर्ते केलें?

५)   रेडियो कित्याकलागून बंद जालो?

६)   नागी उजो चुकोवन घरांतल्यान भायर कित्याक आयलो ना?

७)   नागीक उज्यांतल्यान कोणे वाटायलो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)   पूत बापायलागीं कशें वागताले?

२)   लोकांनी उजो पालोवखातीर किर्ते केलें?

३)   पेट्ट्या घराभितर एकलोच आसलो तेन्ना नागीच्या मनांत आयिल्ले विचार बरयात.

४)   आपणाक चार दोळे आसात अशें नागी कित्याक म्हणटालो?

**भाशाकार्य :**

**अ) सकयल दिल्यांत त्या उतरांचें लिंग वळखून बरयात.**

पसरो, दोळो, बायल, पूत, वर्स, फांतोड, ओल्तेर, पायस, तापोवणी, गजाल, सूट, कुड्डो.

**आ) सकयल दिल्लीं अक्षरां आनी कुरवो मेळोवन उतरां घडयात.**

प+ ू+ त,+ द + ो + त + ो + र, + फ + ां + त + ो + ड + ॅ + र, + त + प + ा + स + ण + ी

❑❑❑

३९

# १५. म्हजी जीण

म्हाका कुमारधंद्याखातीर मेळिल्लें भांगरापदक पळोवन कोणाकूय म्हजो अभिमान दिसूंक फाव. पूण हें जैत जोडूंक म्हाका खूब हाल उपाद्रे सोसचे पडल्यात.

म्हजो बापूय गांवांतलो नांवाजतो कुमार आशिल्लो त्या वेळार कुमारक बरेंच महत्व आशिल्लें. घरां-घरांनी मातयेच्या आयदनांचो वापर जातालो. रांदपा- सवरपाक गाडगे, बुडकुले, तवल्यो, माळट्यो, कुळणीं, तवें, सोला, तोरांचो पुरुमेंत करपाक कदीं, दोणां अशीं साबार आयदना. उदक थंडगार दवरूंक गुलगुलेत. दुडू सांबाळपाक मिलेर, फुलझाडां लावंक कुंड्यो. तशेंच पणट्यो, करे, धुपाटणीं अशे तरेकवार नग करून गांवाची गरज भागोवपाचें काम म्हजो घराबो पिळग्या-पिळग्यांनी करीत आयला.

बापायवांगडा हांवूय हें काम करीत आयलां. उपरांत ह्या धंद्यांत उदरगत जावंक लागली. तशें नवे नवे सोद लागले. लोकांचे आचार विचार बदलूंक लागले. तांबे, पितूळ, आलिमेन, स्टील ह्यांचो वापर जावंक लागलो. इतले मजगतीं प्लास्टीक आयलें. तरेकवार रंगयाळी आयदनां मन भुलोवंक लागलीं.

ह्या परिवर्तनाक लागून मातयेच्या आयदनांचो वापर खुबूच उणो जावंक लागलो. ल्हवू-ल्हवू आमचो धंदो बसलो. पोट भरप लेगीत कठीण जालें. हें पळोवन म्हज्या बापायचे हातपांय गळसणले. आमच्या फुडाराचें येवजून ताच्या दोळ्यांनी दुकां आयलीं.

चडशे कुमार गांव सोडून नोकरेच्या सोदाक शारांनी पावले. पूण म्हजो बापूय मात आपल्या पूर्वजांचो वेवसाय सोडूंक तयार नासलो. बापायचें पळोवन हांवेंय हो वेवसाय तसोच चालू दवरपाचो निश्चय केलो.

प्रयत्न केल्यार यश मेळटाच. आनी जालेंय तशेंच! गांवच्या एका जाणकारान म्हाका एक खबर दिली. सरकारान गांवगिरें जिवीत सुदारचेखातीर एक महामंडळ स्थापन केलां. ताचें नांव 'हस्तकला, ग्रामीण आनी लघु उद्योग विकास.' ताचेवरवीं तरेकवार येवजण्यो आंखल्यांत. ही खबर आयकून म्हजी उर्बा वाडली.

शारात वचून हांवें वासपूस केली. कुमार उद्योगाचे उदरगतीखातीर सरकाराची खास येवजण आशिल्ली. हे येवजणेखाला सोप्या अटींचेर आनी सवलतीच्या काळांतरान रीण मेळटालें. तेभायर नव्या कसबांचें गिन्यान तशेंच प्रशिक्षण दितालें. नवीं आवतां दितालें.



# १५. म्हजी जीण

म्हाका कुमारधंद्याखातीर मेळिल्लें भांगरापदक पळोवन कोणाकूय म्हजो अभिमान दिसूंक फाव. पूण हें जैत जोडूंक म्हाका खूब हाल उपाद्रे सोसचे पडल्यात.

म्हजो बापूय गांवांतलो नांवाजतो कुमार आशिल्लो त्या वेळार कुमारक बरेंच महत्व आशिल्लें. घरां-घरांनी मातयेच्या आयदनांचो वापर जातालो. रांदपा- सवरपाक गाडगे, बुडकुले, तवल्यो, माळट्यो, कुळणीं, तवें, सोला, तोरांचो पुरुमेंत करपाक कदीं, दोणां अशीं साबार आयदना. उदक थंडगार दवरूंक गुलगुलेत. दुडू सांबाळपाक मिलेर, फुलझाडां लावंक कुंड्यो. तशेंच पणट्यो, करे, धुपाटणीं अशे तरेकवार नग करून गांवाची गरज भागोवपाचें काम म्हजो घराबो पिळग्या-पिळग्यांनी करीत आयला.

बापायवांगडा हांवूय हें काम करीत आयलां. उपरांत ह्या धंद्यांत उदरगत जावंक लागली. तशें नवे नवे सोद लागले. लोकांचे आचार विचार बदलूंक लागले. तांबे, पितूळ, आलिमेन, स्टील ह्यांचो वापर जावंक लागलो. इतले मजगतीं प्लास्टीक आयलें. तरेकवार रंगयाळी आयदनां मन भुलोवंक लागलीं.

ह्या परिवर्तनाक लागून मातयेच्या आयदनांचो वापर खुबूच उणो जावंक लागलो. ल्हवू-ल्हवू आमचो धंदो बसलो. पोट भरप लेगीत कठीण जालें. हें पळोवन म्हज्या बापायचे हातपांय गळसणले. आमच्या फुडाराचें येवजून ताच्या दोळ्यांनी दुकां आयलीं.

चडशे कुमार गांव सोडून नोकरेच्या सोदाक शारांनी पावले. पूण म्हजो बापूय मात आपल्या पूर्वजांचो वेवसाय सोडूंक तयार नासलो. बापायचें पळोवन हांवेंय हो वेवसाय तसोच चालू दवरपाचो निश्चय केलो.

प्रयत्न केल्यार यश मेळटाच. आनी जालेंय तशेंच! गांवच्या एका जाणकारान म्हाका एक खबर दिली. सरकारान गांवगिरें जिवीत सुदारचेखातीर एक महामंडळ स्थापन केलां. ताचें नांव 'हस्तकला, ग्रामीण आनी लघु उद्योग विकास.' ताचेवरवीं तरेकवार येवजण्यो आंखल्यांत. ही खबर आयकून म्हजी उर्बा वाडली.

शारात वचून हांवें वासपूस केली. कुमार उद्योगाचे उदरगतीखातीर सरकाराची खास येवजण आशिल्ली. हे येवजणेखाला सोप्या अटींचेर आनी सवलतीच्या काळांतरान रीण मेळटालें. तेभायर नव्या कसबांचें गिन्यान तशेंच प्रशिक्षण दितालें. नवीं आवतां दितालें.

हांवें येवजेणेचो लाव घेवन प्रशिक्षण पुराय केलें. तातूंत मातयेक वेगवेगळे आकार दिवन सोबेच्यो वस्तू, नव्या आकाराची सोबीत गुलगुलेतां, फुलदाणयो, तरेकवार खेळणीं, नवे पद्दतीचे नळे आनी विटो तयार करूंक शिकलो.

ते उपरांतच म्हाका सरकारी रीण फाव जालें. हांवें वीजेचेर चलपी चाक, माती कालोवपाचें मिशीन आनी कांय सांचे सवलतीचे दरेन सरकाराकडल्यान विकतें घेतलें. नव्या नेटान हांवे म्हजो धंदो सुरू केलो.

तयार केल्लो म्हाका बाजारांत व्हरून विकची गरज पडना. सरकार आमचेकडल्यान तयार म्हाल विकतो घेता आनी विकता. ह्या म्हालाक माणगी वाडत आसा. सुदारीत आवतांक लागून चडांत चड म्हाल तयार करप शक्य जाता. आयज म्हज्या हाताखाला सात-आठ कारागीर काम करतात. अशेतरेन आमच्या धंद्याक बरे दीस आयल्यात.

म्हालाचो खूप वाडोवचेखातीर सरकार दर वर्सा तरेकवार वस्तुंचें प्रदर्शन घडावेन हाडटा. कारागिराक उर्बा येवची म्हूण तरेकवार वस्तुंच्यो सर्ती दवरता. दर वर्सा हांवूय कुमारकामाचे सर्तींत वांटो घेतां. अंदू कुमार हस्तकलेखातीर आशिल्लो पुरस्कार म्हाका फाव जालो.

म्हाका हो मान फाव जाल्ल्यान हांव खोशी जालां. तशेंच कुमार धंद्याची उदरगत पळोवन म्हाका समाधान भोगता.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**हालउपाद्रे–** खूब कश्ट, **प्रशिक्षण–** वेवसायांत कुशळताय मेळोवंक घेतिल्लें शिक्षण, **आवत–** अवजार

**वाक्प्रचार :**

**हात पांय गळसणप –** खूब निरशेवप, **धंदो बसप–** फायदो जावप ना.

**प्रस्न**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) कुमाराच्या बापायचे हातपांय कित्याक गळसणले?

२) गांवच्या जाणकार मनशान कुमाराक कसली खबर दिली?

३) कुमाराक आपलो तयार म्हाल बाजारांत व्हरून विकपाची गरज कित्याक पडली ना?



हांवें येवजेणेचो लाव घेवन प्रशिक्षण पुराय केलें. तातूंत मातयेक वेगवेगळे आकार दिवन सोबेच्यो वस्तू, नव्या आकाराची सोबीत गुलगुलेतां, फुलदाणयो, तरेकवार खेळणीं, नवे पद्दतीचे नळे आनी विटो तयार करूंक शिकलो.

ते उपरांतच म्हाका सरकारी रीण फाव जालें. हांवें वीजेचेर चलपी चाक, माती कालोवपाचें मिशीन आनी कांय सांचे सवलतीचे दरेन सरकाराकडल्यान विकतें घेतलें. नव्या नेटान हांवे म्हजो धंदो सुरू केलो.

तयार केल्लो म्हाका बाजारांत व्हरून विकची गरज पडना. सरकार आमचेकडल्यान तयार म्हाल विकतो घेता आनी विकता. ह्या म्हालाक माणगी वाडत आसा. सुदारीत आवतांक लागून चडांत चड म्हाल तयार करप शक्य जाता. आयज म्हज्या हाताखाला सात-आठ कारागीर काम करतात. अशेतरेन आमच्या धंद्याक बरे दीस आयल्यात.

म्हालाचो खूप वाडोवचेखातीर सरकार दर वर्सा तरेकवार वस्तुंचें प्रदर्शन घडावेन हाडटा. कारागिराक उर्बा येवची म्हूण तरेकवार वस्तुंच्यो सर्ती दवरता. दर वर्सा हांवूय कुमारकामाचे सर्तींत वांटो घेतां. अंदू कुमार हस्तकलेखातीर आशिल्लो पुरस्कार म्हाका फाव जालो.

म्हाका हो मान फाव जाल्ल्यान हांव खोशी जालां. तशेंच कुमार धंद्याची उदरगत पळोवन म्हाका समाधान भोगता.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**हालउपाद्रे–** खूब कश्ट, **प्रशिक्षण–** वेवसायांत कुशळताय मेळोवंक घेतिल्लें शिक्षण, **आवत–** अवजार

**वाक्प्रचार :**

**हात पांय गळसणप –** खूब निरशेवप, **धंदो बसप–** फायदो जावप ना.

**प्रस्न**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) कुमाराच्या बापायचे हातपांय कित्याक गळसणले?

२) गांवच्या जाणकार मनशान कुमाराक कसली खबर दिली?

३) कुमाराक आपलो तयार म्हाल बाजारांत व्हरून विकपाची गरज कित्याक पडली ना?

४१

४)	सरकार तरेकवार वस्तूंचें प्रदर्शन कित्याक घडोवन हाडटा?

५)	कुमाराक कसलो पुरस्कार फाव जालो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)	मातयेपसून कसलीं कसलीं आयदनां कुमार तयार करतालो?

२)	उदरगतीच्यावांगडा आयदनां मर्दीं कसले बदल जाले?

३)	कुमार वेवसायाक पुनर्जीण दिवचेखातीर सरकाराची कसली येवजण आसा?

**भाशाकार्य :**

१.	आमचे धंदो ल्हवू-ल्हवू बसलो.

२.	हाव फाल्यां येवचोंना.

३.	तो थंय बसला.

ह्या वाक्यातलीं वळी मारिल्लीं उतरां क्रियापदां आनी विशेशणा हांचेकडेन संबंद दवरतात आनी तांच्या अर्थात भर घालतात. अशे तरेचीं क्रियाविशेशण अव्ययां सकयल दिल्यांत ती वाक्यांत वापरात.

आयज, काल, सकयल, हांगा, बेगीन, दिस्त.



४)	सरकार तरेकवार वस्तूंचें प्रदर्शन कित्याक घडोवन हाडटा?

५)	कुमाराक कसलो पुरस्कार फाव जालो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)	मातयेपसून कसलीं कसलीं आयदनां कुमार तयार करतालो?

२)	उदरगतीच्यावांगडा आयदनां मर्दीं कसले बदल जाले?

३)	कुमार वेवसायाक पुनर्जीण दिवचेखातीर सरकाराची कसली येवजण आसा?

**भाशाकार्य :**

१.	आमचे धंदो ल्हवू-ल्हवू बसलो.

२.	हाव फाल्यां येवचोंना.

३.	तो थंय बसला.

ह्या वाक्यातलीं वळी मारिल्लीं उतरां क्रियापदां आनी विशेशणा हांचेकडेन संबंद दवरतात आनी तांच्या अर्थात भर घालतात. अशे तरेचीं क्रियाविशेशण अव्ययां सकयल दिल्यांत ती वाक्यांत वापरात.

आयज, काल, सकयल, हांगा, बेगीन, दिस्त.

४२

# १६. रेल्वे स्टेशन

(दीस सोमार आसलो. सुमानांतलो पयलो दीस. आयतारा दिसा सातवे यत्तेच्या विद्यार्थ्यांक रेल्वे-स्टेशन दाखोवन हाडिल्लें. रेल्वे-स्टेशनार किते किते पळयलें हाची नोंद करपाक विद्यार्थ्यांक पयलींच सुचोवणी केल्ली. आयज वर्गांत रेल्वे-स्टेशनाविशींच्यो खबरो चलताल्यो. टिचर वर्गांत आयली. विद्यार्थ्यांनी मानान तिका येवकार दिलो.)

**टिचर** : भुरग्यांनो, बसात. काल आमी रेल्वे-स्टेशन पळोवपाक मुजरत गेल्ली न्हय? थंय तुमी किते पळयलें?

**कायतान** : टिचर, हांवें पयलेच फावट रेल्वे-स्टेशन पळयलें देखून म्हाका खूब बरें दिसलें.

**फिलू** : टिचर, रेल्वे स्टेशनार भितर वचपाक कसल्यो तिकेटी काडिल्ल्यो?

**टिचर** : रेल्वे स्टेशनार पावतकर तिकेटी विकतात त्या जनेलाकडें वचून हांवें थंय प्लॅटफॉर्म तिकेटी काडल्यो. प्लॅटफॉर्मार तिकेट काडलेबगर भितर वचूंक मेळना.

**आशा** : रेलगाडयेन प्रवास करचो आसल्यार तिकेटी खंय मेळटात?

**टिचर** : तिकेट-घराक दोन जनेलां आसतात. एका जनेलांत चालू तिकेटी मेळटात आनी दुसऱ्या जनेलांत आरक्षण तिकेटी मेळटात. बसींत प्रवास करतना आमकां बसींतूय तिकेटी मेळटात, पूण रेल्वेंत मात तशें नासता. रेल्वेच्यो तिकेटी तिकेट-घरांतूच काडच्यो पडटात.

**जॉय** : टिचर, आरक्षण म्हणल्यार किते?

**टिचर** : आरक्षण म्हणल्यार रिझर्वेशन वा सुगूर करप. समज तुका थोड्या दिसांनी रेल्वेन प्रवास करपाचो आसा तर आदीं तुजी तिकेट विकती घेवन तुजो जागो राखून दवरू येता. अशें केल्यार बसपाची सुवात वा न्हिदपाचो बांक प्रवास करचेआदी सुगूर करूं येता.

**मार्कूस** : टिचर, काळो कोट आनी धवी पँट घालून स्टेशनाच्या दारार उबो आशिल्लो तो कोण?

**टिचर** : तो टी. सी., टी. सी. म्हणल्यार तिकेट चेकर. ताका तिकेट तपासक



# १६. रेल्वे स्टेशन

(दीस सोमार आसलो. सुमानांतलो पयलो दीस. आयतारा दिसा सातवे यत्तेच्या विद्यार्थ्यांक रेल्वे-स्टेशन दाखोवन हाडिल्लें. रेल्वे-स्टेशनार किते किते पळयलें हाची नोंद करपाक विद्यार्थ्यांक पयलींच सुचोवणी केल्ली. आयज वर्गांत रेल्वे-स्टेशनाविशींच्यो खबरो चलताल्यो. टिचर वर्गांत आयली. विद्यार्थ्यांनी मानान तिका येवकार दिलो.)

**टिचर** : भुरग्यांनो, बसात. काल आमी रेल्वे-स्टेशन पळोवपाक मुजरत गेल्ली न्हय? थंय तुमी किते पळयलें?

**कायतान** : टिचर, हांवें पयलेच फावट रेल्वे-स्टेशन पळयलें देखून म्हाका खूब बरें दिसलें.

**फिलू** : टिचर, रेल्वे स्टेशनार भितर वचपाक कसल्यो तिकेटी काडिल्ल्यो?

**टिचर** : रेल्वे स्टेशनार पावतकर तिकेटी विकतात त्या जनेलाकडें वचून हांवें थंय प्लॅटफॉर्म तिकेटी काडल्यो. प्लॅटफॉर्मार तिकेट काडलेबगर भितर वचूंक मेळना.

**आशा** : रेलगाडयेन प्रवास करचो आसल्यार तिकेटी खंय मेळटात?

**टिचर** : तिकेट-घराक दोन जनेलां आसतात. एका जनेलांत चालू तिकेटी मेळटात आनी दुसऱ्या जनेलांत आरक्षण तिकेटी मेळटात. बसींत प्रवास करतना आमकां बसींतूय तिकेटी मेळटात, पूण रेल्वेंत मात तशें नासता. रेल्वेच्यो तिकेटी तिकेट-घरांतूच काडच्यो पडटात.

**जॉय** : टिचर, आरक्षण म्हणल्यार किते?

**टिचर** : आरक्षण म्हणल्यार रिझर्वेशन वा सुगूर करप. समज तुका थोड्या दिसांनी रेल्वेन प्रवास करपाचो आसा तर आदीं तुजी तिकेट विकती घेवन तुजो जागो राखून दवरू येता. अशें केल्यार बसपाची सुवात वा न्हिदपाचो बांक प्रवास करचेआदी सुगूर करूं येता.

**मार्कूस** : टिचर, काळो कोट आनी धवी पँट घालून स्टेशनाच्या दारार उबो आशिल्लो तो कोण?

**टिचर** : तो टी. सी., टी. सी. म्हणल्यार तिकेट चेकर. ताका तिकेट तपासक

४३

म्हणटात. रेल्वे-स्टेशनार प्रवेश करतल्यांच्यो तिकेटी तपासप हें ताचें काम. तुमकां याद आसा, ताणें काल आमच्यो सगल्यो तिकेटी तपासल्यो आनी मागीरूच आमकां वचूंक दिलें. आता सांगात, प्लॅटफॉर्मार पावनाफुडें तुमकां पयलेच कितें दिसलें?

**जॉन** : पयलींच नदरेक पडलो तो बूक-स्टॉल. हांगा खबरेपत्रां, मासिकां आनी जायतीं नेमाळीं विक्रेक आसलीं.

**कायतान** : ताचेकुशीक एक च्या चें कॅंटीन आसलें. थंय खावचे वा पिवंचे जिनस आसले. तेभायर हांगासून गाडयेन प्रवास करप्यांक डब्यांनी च्या व्हरून विकताले तेंय पळयलें.

**टिचर** : कँटीनाकुशीक कितें आसलें हाची याद कोणाक आसा?

**लिना** : टिचर, म्हाका सारकी याद आसा. थंय प्रवाशांक विसव घेवपाक खाशेली सुवात आसली.

**टिचर** : ताका वेटींग रूम अशें म्हणटात. हांगा बसपाक बांक आसतात. कांय मेजांय आसतात.

**लिना** : फकत जाचेकडेन तिकेट आसा ताकाच हांगा विसव घेवंक मेळटा अशें थंय बरयल्लें आसा. ताचे कुशीक रिटायरींग रूम आसलो तो कित्याक?

**टिचर** : थंय इंजीन ड्रायव्हर, गार्ड वा टी. सी. विसव घेतात. तांकां विसव घेवपाक थंय खाटी-बिटी आसतात. ताका तेंकून एक ऑफीस आसलें ते कसलें तें जाणात तुमी?

**सुनिता** : हांवे पळयलां टिचर. स्टेशनमास्तरांचे ऑफिस तें. स्टेशनमास्तराचें काम कितें टिचर?

**टिचर** : स्टेशनमास्तर स्टेशनाचो मुखेल. ताका सदांच जागरूक रावचें पडटा. गाडी सोडपाची परवानगी तोच दिता. ताच्या आदेशाबगर स्टेशनार आयिल्ली गाडी सुटना.

**पिटर** : टिचर, स्टेशनमास्तराच्या ऑफिसाकुशीक 'पार्सल-रूम' आसा तो कित्याखातीर?

४४

म्हणटात. रेल्वे-स्टेशनार प्रवेश करतल्यांच्यो तिकेटी तपासप हें ताचें काम. तुमकां याद आसा, ताणें काल आमच्यो सगल्यो तिकेटी तपासल्यो आनी मागीरूच आमकां वचूंक दिलें. आता सांगात, प्लॅटफॉर्मार पावनाफुडें तुमकां पयलेच कितें दिसलें?

**जॉन** : पयलींच नदरेक पडलो तो बूक-स्टॉल. हांगा खबरेपत्रां, मासिकां आनी जायतीं नेमाळीं विक्रेक आसलीं.

**कायतान** : ताचेकुशीक एक च्या चें कॅंटीन आसलें. थंय खावचे वा पिवंचे जिनस आसले. तेभायर हांगासून गाडयेन प्रवास करप्यांक डब्यांनी च्या व्हरून विकताले तेंय पळयलें.

**टिचर** : कँटीनाकुशीक कितें आसलें हाची याद कोणाक आसा?

**लिना** : टिचर, म्हाका सारकी याद आसा. थंय प्रवाशांक विसव घेवपाक खाशेली सुवात आसली.

**टिचर** : ताका वेटींग रूम अशें म्हणटात. हांगा बसपाक बांक आसतात. कांय मेजांय आसतात.

**लिना** : फकत जाचेकडेन तिकेट आसा ताकाच हांगा विसव घेवंक मेळटा अशें थंय बरयल्लें आसा. ताचे कुशीक रिटायरींग रूम आसलो तो कित्याक?

**टिचर** : थंय इंजीन ड्रायव्हर, गार्ड वा टी. सी. विसव घेतात. तांकां विसव घेवपाक थंय खाटी-बिटी आसतात. ताका तेंकून एक ऑफीस आसलें ते कसलें तें जाणात तुमी?

**सुनिता** : हांवे पळयलां टिचर. स्टेशनमास्तरांचे ऑफिस तें. स्टेशनमास्तराचें काम कितें टिचर?

**टिचर** : स्टेशनमास्तर स्टेशनाचो मुखेल. ताका सदांच जागरूक रावचें पडटा. गाडी सोडपाची परवानगी तोच दिता. ताच्या आदेशाबगर स्टेशनार आयिल्ली गाडी सुटना.

**पिटर** : टिचर, स्टेशनमास्तराच्या ऑफिसाकुशीक 'पार्सल-रूम' आसा तो कित्याखातीर?

४४

| | | |
|---|---|---|
| **टिचर** | : | रेलगाडयेंतल्यान आपणालें सामान पार्सल करून धाडटात. ते सामान पार्सल रूमांत दवरतात. |
| **रोजी** | : | क्लॉक रूमांत कितें आसता? |
| **टिचर** | : | जायते फावटी प्रवासी आपणालें जड सामान घेवन भोवंक सोदिनात. तें क्लॉक-रूमांत सुरक्षीत दवरतात. |
| **शबनम** | : | टिचर, आंगाक तांबडी खोमसां घाल्ले कांय लोक गाडी येनाफुडें धांवत गाडयेम्हऱ्यांत आयले ते कोण? |
| **टिचर** | : | ते कुली. प्रवाशांचें सामान हाडपा- व्हरपाचें काम ते करतात. आतां हें सांगात, गाडी स्टेशनर पावली तेन्ना कितें घडलें? |
| **शबनम** | : | गाडी स्टेशनार येतना तुमी आमकां कडेक कित्याक काडलीं टिचर? |
| **यास्मीन** | : | तुमी आमकां आदींच कडेक काडून बरें केलें आं टिचर! गाडयेंत चडपी लोक गाडयेच्या डब्यांनी भितर सरपाक गर्दी करताले तर देंवपी लोक गाडयेतल्यान भायर सरपाक नेट करताले. त्याच बोवाळांत 'गरम च्याय, गरम च्याय' म्हणीत च्या विकपी तशेंच हेर खाणां विकपी गाडयेम्हऱ्यांत भोंवताले. |
| **टिचर** | : | गाडी सुटपाच्यावेळार कितें घडलें? |
| **बेला** | : | पयली लांब घांट वाजली. मागीर इंजिनाची शिटी वाजली. गार्डान पिल्लूक मारली आनी पाचवो बावटो दाखयलो. परतून शिटी वाजली आनी ल्हवू ल्हवू गाडी फुडें सरपाक लागली. प्लॅटफॉर्मार आशिल्ल्या लोकांनी आपणाल्या सोयऱ्यांक, इश्टांक हात हालोवन निरोप दिलो. |
| **टिचर** | : | एक म्हत्वाची गजला पळोवपाक तुमी विसरलींशी दिसतात. |
| **बेला** | : | खंयची टिचर? |
| **टिचर** | : | तांबडी-पाचवी लायट पेट्टाली ती तुमी पळयली ना? |
| **मार्था** | : | हांवे पळयल्या टिचर. तांबडी लायट पालोवन पाचवी लायट पेटली तेन्ना गाडी सुटली. |

(इतल्यांत मदले सुटयेची लांब घांट वाजली. विद्यार्थी भायर धांवले.)




टिचर : रेलगाडयेंतल्यान आपणालें सामान पार्सल करून धाडटात. ते सामान पार्सल रूमांत दवरतात.
रोजी : क्लॉक रूमांत कितें आसता?
टिचर : जायते फावटी प्रवासी आपणालें जड सामान घेवन भोवंक सोदिनात. तें क्लॉक-रूमांत सुरक्षीत दवरतात.
शबनम : टिचर, आंगाक तांबडी खोमसां घाल्ले कांय लोक गाडी येनाफुडें धांवत गाडयेम्हऱ्यांत आयले ते कोण?
टिचर : ते कुली. प्रवाशांचें सामान हाडपा- व्हरपाचें काम ते करतात. आतां हें सांगात, गाडी स्टेशनर पावली तेन्ना कितें घडलें?
शबनम : गाडी स्टेशनार येतना तुमी आमकां कडेक कित्याक काडलीं टिचर?
यास्मीन : तुमी आमकां आदींच कडेक काडून बरें केलें आं टिचर! गाडयेंत चडपी लोक गाडयेच्या डब्यांनी भितर सरपाक गर्दी करताले तर देंवपी लोक गाडयेतल्यान भायर सरपाक नेट करताले. त्याच बोवाळांत 'गरम च्याय, गरम च्याय' म्हणीत च्या विकपी तशेंच हेर खाणां विकपी गाडयेम्हऱ्यांत भोंवताले.
टिचर : गाडी सुटपाच्यावेळार कितें घडलें?
बेला : पयली लांब घांट वाजली. मागीर इंजिनाची शिटी वाजली. गार्डान पिल्लूक मारली आनी पाचवो बावटो दाखयलो. परतून शिटी वाजली आनी ल्हवू ल्हवू गाडी फुडें सरपाक लागली. प्लॅटफॉर्मार आशिल्ल्या लोकांनी आपणाल्या सोयऱ्यांक, इश्टांक हात हालोवन निरोप दिलो.
टिचर : एक म्हत्वाची गजला पळोवपाक तुमी विसरलींशी दिसतात.
बेला : खंयची टिचर?
टिचर : तांबडी-पाचवी लायट पेट्टाली ती तुमी पळयली ना?
मार्था : हांवे पळयल्या टिचर. तांबडी लायट पालोवन पाचवी लायट पेटली तेन्ना गाडी सुटली.
(इतल्यांत मदले सुटयेची लांब घांट वाजली. विद्यार्थी भायर धांवले.)
४५

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**मुजरत–** मुद्दाम, **परवानगी–** मान्यताय.

**प्रस्न :**

**अ) एकेका वाक्यांत जाप बरयात.**

१) टिचरीन विद्यार्थ्यांक कसली नोंद करपाक सांगिल्लें?

२) रेल्वे-स्टेशनांत भितर वचपाक कसल्यो तिकेटी काडच्यो पडटात?

३) रेलगाडयेच्यो तिकेटी खंय मेळटात?

४) आरक्षण म्हणल्यार कितें?

५) टी. सी. कसलें काम करता?

६) रेल्वे-स्टेशनाचो मुखेली कोण?

७) प्रवासी आपणालें जड सामान खंय दवरता?

८) कुली कितें करतात?

९) कसल्या रंगाची लायट पेट्टकच गाडी सुटली?

**आ) ३/४ वळींनी जाप बरयात.**

१) तिकेट-घर कशें आसता?

२) आरक्षण केल्यार कसलो लाव मेळटा?

३) रेल्वे-स्टेशनार क्लॉक रूम कित्याखातीर आसता?

**इ) सकयल दिल्ल्यो घडणुको योग्य क्रमान बरयात.**

१) इंजिनाची शिटी वाजली.

२) लांब घांट वाजली.

३) ल्हवू-ल्हवू गाडी फुडें सरपाक लागली.

४) गार्डान पिल्लूक मारली आनी पाचवो बावटो दाखयलो.

५) परतून शिटी वाजली.

६) इंजीन डायव्हरान पाचवो बावटो दाखयलो.



**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**मुजरत–** मुद्दाम, **परवानगी–** मान्यताय.

**प्रस्न :**

**अ) एकेका वाक्यांत जाप बरयात.**

१) टिचरीन विद्यार्थ्यांक कसली नोंद करपाक सांगिल्लें?

२) रेल्वे-स्टेशनांत भितर वचपाक कसल्यो तिकेटी काडच्यो पडटात?

३) रेलगाडयेच्यो तिकेटी खंय मेळटात?

४) आरक्षण म्हणल्यार कितें?

५) टी. सी. कसलें काम करता?

६) रेल्वे-स्टेशनाचो मुखेली कोण?

७) प्रवासी आपणालें जड सामान खंय दवरता?

८) कुली कितें करतात?

९) कसल्या रंगाची लायट पेट्टकच गाडी सुटली?

**आ) ३/४ वळींनी जाप बरयात.**

१) तिकेट-घर कशें आसता?

२) आरक्षण केल्यार कसलो लाव मेळटा?

३) रेल्वे-स्टेशनार क्लॉक रूम कित्याखातीर आसता?

**इ) सकयल दिल्ल्यो घडणुको योग्य क्रमान बरयात.**

१) इंजिनाची शिटी वाजली.

२) लांब घांट वाजली.

३) ल्हवू-ल्हवू गाडी फुडें सरपाक लागली.

४) गार्डान पिल्लूक मारली आनी पाचवो बावटो दाखयलो.

५) परतून शिटी वाजली.

६) इंजीन डायव्हरान पाचवो बावटो दाखयलो.

४६

**भाशाकार्य :**

'जनेलाकडें' ह्या उतरांत– 'जनेल' ह्या उतरांक जोडिल्लें 'कडे' हें उतर म्हणल्यार संबंदी अव्यय. हें उतर वाक्याचो अर्थ अदींक स्पश्ट करता.

**देखीक :**

आदेशाबगर, गाडयेम्हन्यांत, कित्याखातीर, जाचेकडेन हीं उतरां वापरून वाक्यां घडयात.

**स्वाध्याय :**

ह्या पाठांतलें हाडपा– व्हरपाचें हें एक जोड उतर. तुमकां खबर आशिल्ल्या अशे तरेच्या कांय जोड उतरांची वळेरी करात.

❑❑❑



**भाशाकार्य :**

'जनेलाकडें' ह्या उतरांत– 'जनेल' ह्या उतरांक जोडिल्लें 'कडे' हें उतर म्हणल्यार संबंदी अव्यय. हें उतर वाक्याचो अर्थ अदींक स्पश्ट करता.

**देखीक :**

आदेशाबगर, गाडयेम्हन्यांत, कित्याखातीर, जाचेकडेन हीं उतरां वापरून वाक्यां घडयात.

**स्वाध्याय :**

ह्या पाठांतलें हाडपा– व्हरपाचें हें एक जोड उतर. तुमकां खबर आशिल्ल्या अशे तरेच्या कांय जोड उतरांची वळेरी करात.

❑❑❑

# १७. शेतकार

आशेचो दोंगर रचून
शेतकार देंवलो शेतांत
खोपींतल्यान भायर सरून
बैलांची दावीं काडून

रगताचें उदक करूंक
शेतकार देवलो शेतांत
माथ्यार पेजेची धार घेवन
रखरखत्या वोतांत

वेंतभर  पोटांची चरी भरूंक
शेतकार देंवलो शेतांत
जमनीचें भांगर करूंक
सैमाची सोबा वाडोवंक

कपलावयलो घाम पिळून
शेतकार देंवलो शेतांत
बैलांचे मानेर जूं दवरून
कणसांची मोतयां करूंक

**–प्रकाश द. नायक**



१७. शेतकार

आशेचो दोंगर रचून
शेतकार देंवलो शेतांत
खोपींतल्यान भायर सरून
बैलांची दावीं काडून

रगताचें उदक करूंक
शेतकार देवलो शेतांत
माथ्यार पेजेची धार घेवन
रखरखत्या वोतांत

वेंतभर  पोटांची चरी भरूंक
शेतकार देंवलो शेतांत
जमनीचें भांगर करूंक
सैमाची सोबा वाडोवंक

कपलावयलो घाम पिळून
शेतकार देंवलो शेतांत
बैलांचे मानेर जूं दवरून
कणसांची मोतयां करूंक

–प्रकाश द. नायक

४८

# १८. एका खिणाचो कळाव

ही गजाल तामिळनाडू राज्यांतली. कुरूबरापल्ली गांवचे माध्यमिक शाळेंतल्या एका भुरग्याची. गोविंदन ताचें नांव.

गोविंदन हो सातवेच्या वर्गाचो मुखेली आशिल्लो. तो वर्ग बरेतरेन सांबाळटालो. आपल्या वांगड्यांक अभ्यासांत मदत करतालो. ताच्या वर्गातलो रवी हो ताचो घट इश्ट. रवी शाळेत येनाशिल्लो त्या दिसा गोविंदनाक टिफीन खावपाक लेगीत मन येनाशिल्लें. इतलीं तांची दाट इश्टागत आशिल्ली. शाळा सुट्टकच दोगूय जाण गजाली मारीत मारीत रस्त्यांतल्यान चलत घरा वताले.

३ सप्टेंबर १९७९ दिसा रवी शाळेत येवंक नाशिल्लो. शाळा सुट्टकच गोविंदन एकटोच पुस्तकांचे बॅग घेवन भायर सरलो. ताणें भोंवतणी नदर मारली. रवी नाशिल्ल्यान एकटोच घरा वचपाक ताका वाज आयिल्लो. आयज ताणें टिफीन खावंक नाशिल्ल्यान ताका भुकूय लागिल्ली म्हण तो लागींचे वाटेन चलूंक लागलो.

शाळेमुखावेल्या रस्त्याच्या मोड्णाचेरूच एक ट्रक उबो आशिल्लो. ट्रकाफाटसून एक मनीस अकस्मात रस्त्यार आयलो. ताच्या पांयांत जोतेंलेगीत नाशिल्लें. तो एक विटिल्ली लुंगी न्हेशिल्लो. एका हातांत थाळी आशिल्ली. तो कुड्डो आशिल्ल्यान बडी तेंकयत तेंकयत ल्हवू-ल्हवू चलतालो. ताका पळोवन गोविंदनान मनांत म्हणलें, ''हो भिकारी कुड्डो सो दिसता.''

गोविंदनाक त्या भिकाऱ्याची काकुळट दिसली. आयज आपणे टिफीन खावंक ना म्हणपाची ताका याद जाली. टिफिनांतल्यो बिस्कुत्यो त्या भिकाऱ्याक दिवपाखातीर ताणें बॅगांत हात घालो. इतल्यांत ताका पयसुल्ल्यान एक ट्रक व्हडा वेगान येता तो दिसलो. ''कितलो वेगान ट्रक चलयता हो ड्रायव्हर! ताका तो मोड्णाचेर उबो केल्लो ट्रकूय दिसचोना आनी ट्रकाफाटसून येता तो कुड्डो भिकारीय दिसचोना. ह्या भिकाऱ्याक उडयता सो दिसता हो!'' असो विचार मनांत येनाफुडें ताणें आड्डून म्हणलें,

''ए ऽ ए ऽऽ फाटीं सर, हो तो पळय एक ट्रक सरळ तुजेवटेनूच येता.''

भिकारी बाबडो काचाबूल जालो. तो ट्रक वेगान येत आशिल्लो. हेवटेन ट्रक तेवटेन भिकारी! गोविंदनाक कितें करचें तें सुचना जालें. भिकाऱ्याक वाटोवपाखातीर कितेंय तरी करूंक जाय आनी तें आतांच- ह्याच खिणाक. नाजाल्यार खूब कळाव जातलो. फाटीं फुडें विचार करिनासतना गोविंदनान भिकाऱ्यावटेन धांव मारली. रस्त्याचे दिकेन धांव घेतां



# १८. एका खिणाचो कळाव

ही गजाल तामिळनाडू राज्यांतली. कुरूबरापल्ली गांवचे माध्यमिक शाळेंतल्या एका भुरग्याची. गोविंदन ताचें नांव.

गोविंदन हो सातवेच्या वर्गाचो मुखेली आशिल्लो. तो वर्ग बरेतरेन सांबाळटालो. आपल्या वांगड्यांक अभ्यासांत मदत करतालो. ताच्या वर्गातलो रवी हो ताचो घट इश्ट. रवी शाळेत येनाशिल्लो त्या दिसा गोविंदनाक टिफीन खावपाक लेगीत मन येनाशिल्लें. इतलीं तांची दाट इश्टागत आशिल्ली. शाळा सुट्टकच दोगूय जाण गजाली मारीत मारीत रस्त्यांतल्यान चलत घरा वताले.

३ सप्टेंबर १९७९ दिसा रवी शाळेत येवंक नाशिल्लो. शाळा सुट्टकच गोविंदन एकटोच पुस्तकांचे बॅग घेवन भायर सरलो. ताणें भोंवतणी नदर मारली. रवी नाशिल्ल्यान एकटोच घरा वचपाक ताका वाज आयिल्लो. आयज ताणें टिफीन खावंक नाशिल्ल्यान ताका भुकूय लागिल्ली म्हण तो लागींचे वाटेन चलूंक लागलो.

शाळेमुखावेल्या रस्त्याच्या मोड्णाचेरूच एक ट्रक उबो आशिल्लो. ट्रकाफाटसून एक मनीस अकस्मात रस्त्यार आयलो. ताच्या पांयांत जोतेंलेगीत नाशिल्लें. तो एक विटिल्ली लुंगी न्हेशिल्लो. एका हातांत थाळी आशिल्ली. तो कुड्डो आशिल्ल्यान बडी तेंकयत तेंकयत ल्हवू-ल्हवू चलतालो. ताका पळोवन गोविंदनान मनांत म्हणलें, ''हो भिकारी कुड्डो सो दिसता.''


गोविंदनाक त्या भिकाऱ्याची काकुळट दिसली. आयज आपणे टिफीन खावंक ना म्हणपाची ताका याद जाली. टिफिनांतल्यो बिस्कुत्यो त्या भिकाऱ्याक दिवपाखातीर ताणें बॅगांत हात घालो. इतल्यांत ताका पयसुल्ल्यान एक ट्रक व्हडा वेगान येता तो दिसलो. ''कितलो वेगान ट्रक चलयता हो ड्रायव्हर! ताका तो मोड्णाचेर उबो केल्लो ट्रकूय दिसचोना आनी ट्रकाफाटसून येता तो कुड्डो भिकारीय दिसचोना. ह्या भिकाऱ्याक उडयता सो दिसता हो!'' असो विचार मनांत येनाफुडें ताणें आड्डून म्हणलें,

''ए ऽ ए ऽऽ फाटीं सर, हो तो पळय एक ट्रक सरळ तुजेवटेनूच येता.''

भिकारी बाबडो काचाबूल जालो. तो ट्रक वेगान येत आशिल्लो. हेवटेन ट्रक तेवटेन भिकारी! गोविंदनाक कितें करचें तें सुचना जालें. भिकाऱ्याक वाटोवपाखातीर कितेंय तरी करूंक जाय आनी तें आतांच- ह्याच खिणाक. नाजाल्यार खूब कळाव जातलो. फाटीं फुडें विचार करिनासतना गोविंदनान भिकाऱ्यावटेन धांव मारली. रस्त्याचे दिकेन धांव घेतां

४९

घेतां ट्रकाचे दिकेन हात करीत 'राव, राव, वेग उणो कर' अशें तो आड्डूंक लागलो. ट्रकाच्या ड्रायव्हराक दिसलें, हो भुरगो लिफ्ट मागपाक आपणाक राव म्हणटा. ताणें ट्रक थांबयलोचना. रस्तो हुपुंक सोदता त्या गोविंदनाकडेन पळोवन ताणे आपले भाशेंत एक गाळ घाली आनी हॉर्न वाजयत ब्रेकाचेर पांय दवरलो. भिकारी आनी गोविंदन दोगूय रस्त्याचे कडेक शेंवटले. भिकाऱ्याच्या हातांतली बडी आनी थाळी उसळून पयस पडली.




तो ट्रक मातसो फुडें वचून थांबलो. किते घडलां ते भिकाऱ्यांक कांय कळ्ळें ना. पूण इतल्या लागींच्यान ट्रकाचो आवाज आयकून कितें जालां जावंये हाचो अदमास ताका आयलो. तो धडपडून उठपाचो यत्न करूंक लागलो. गोविंदनान ताका आधार दिलो आनी ताच्या हाताक धरून ताका एका फातरार बसयलो. गोविंदनाचीं दोनूय धोपरां फुटिल्लीं. कोंपर झरकटिल्ले. ताचे तोंड आदळिल्ल्यान ओठांतल्यान रगत येतालें. तो बरोच निण्णा-वलो. पूण ताची पर्वा करिनासतना ताणें भिकाऱ्याची बडी आनी थाळी सोदून ताच्या हातांत दिली.

इतलें म्हणसर त्या ट्रकाचो ड्रायवर रागान दांत ओंठ खायत गोविंदनासरी आयलो. ताणें



घेतां ट्रकाचे दिकेन हात करीत 'राव, राव, वेग उणो कर' अशें तो आड्डूंक लागलो. ट्रकाच्या ड्रायव्हराक दिसलें, हो भुरगो लिफ्ट मागपाक आपणाक राव म्हणटा. ताणें ट्रक थांबयलोचना. रस्तो हुपुंक सोदता त्या गोविंदनाकडेन पळोवन ताणे आपले भाशेंत एक गाळ घाली आनी हॉर्न वाजयत ब्रेकाचेर पांय दवरलो. भिकारी आनी गोविंदन दोगूय रस्त्याचे कडेक शेंवटले. भिकाऱ्याच्या हातांतली बडी आनी थाळी उसळून पयस पडली.



तो ट्रक मातसो फुडें वचून थांबलो. किते घडलां ते भिकाऱ्यांक कांय कळ्ळें ना. पूण इतल्या लागींच्यान ट्रकाचो आवाज आयकून कितें जालां जावंये हाचो अदमास ताका आयलो. तो धडपडून उठपाचो यत्न करूंक लागलो. गोविंदनान ताका आधार दिलो आनी ताच्या हाताक धरून ताका एका फातरार बसयलो. गोविंदनाचीं दोनूय धोपरां फुटिल्लीं. कोंपर झरकटिल्ले. ताचे तोंड आदळिल्ल्यान ओठांतल्यान रगत येतालें. तो बरोच निण्णा-वलो. पूण ताची पर्वा करिनासतना ताणें भिकाऱ्याची बडी आनी थाळी सोदून ताच्या हातांत दिली.

इतलें म्हणसर त्या ट्रकाचो ड्रायवर रागान दांत ओंठ खायत गोविंदनासरी आयलो. ताणें

५०

आपलें भाशेंत कितेंतरी विचारलें. तें गोविंदनाक कळ्ळेंच ना. ताका दिसलें. खरें म्हणल्यार आपणे हाचेकडल्यान जातलो आशिल्लो तो अपघात चुकयला. हाका त्रासांतल्यान सोडयला. तरीय हाका इतलो राग कित्याक येवंचो? गोविंदनान हातवारे करून मोडके-तोडके इंग्लीशींत म्हणलें, ''दॅट ऑल्ड मॅन...ब्लायंड...ॲक्सीडेंट--'' पूण ड्रायवराक तो कितें सांगता तें कळ्ळेच ना. ताणें रागान ताच्या खोमसाक धरून ताका हालयलो आनी थापट मारपाक हात वयर उखल्लो. तेन्नाच ''धरात ताका, धरात ताका!'' अशें आड्डत शाळेंतले भुरगे म्होवांमुसांवरी धांवत आयले. अजापीत जाल्ल्या ड्रायवरान वळून पळयलें. सगळीं भुरगीं जमिल्लीं आनी 'गोविंदनाक सोड, गोविंदनाक सोड' अशें म्हणटालीं. तरीय तो गोविंदनाक कसोच सोडिना हें पळोवन सगळीं भुरगीं ड्रायवराच्या अंगार गेलीं. तीं ताका मारपाचींच. इतल्यांत शाळेचे मुख्याध्यापक थंय पावले. तांणी म्हणलें, ''भुरग्यांनो, हे कितें चलयलां? चलात, फाटी सरात.''

भुरगीं फाटीं सरलीं आनी रागान फुतफुतूंक लागलीं, ''फाटीं सरात खंय! ताका पुलिसेंत दिवंक जाय.''

मुख्याध्यापकानी मायेन गोविंदनाचे फाटीर हात भोंवडायलो आनी म्हणलें, ''गोविंदन, कितें जालांतें सगळें हांवें पळयलां. एका खिणाचोलेगीत कळाव जाल्लो जाल्यार हो जाणटो मनीस वांचचो नाशिल्लो.'' अशें म्हणून तांणी ड्रायवराकडेन पळयलें.

''गोविंदनान रस्त्यार उडकी कित्याक मारली हें हांव तुका सांगता!'' खरें कितें घडिल्लें तें मुख्याध्यापकानी ड्रायवराक हिंदीतल्यांन सांगलें. तें आयकून ड्रायवर जाग्यार आयलो. ताका आपकी चूक होलमली. तो गोविंदनाम्हऱ्यांत आयलो आनी ताणें ताका शाबासकी दिली.

ह्याच गोविंदनाक त्या वर्साचो भुरग्यांच्या साहसाखातीर आशिल्लो 'राष्ट्रीय बाल शौर्य पुरस्कार'फाव जालो.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**मोड्ण-** वळण, **बिटिल्ली-** विटकी, **धेंप-** दांग, **चूक होलमली-** चूक कळ्ळी, **णिण्णावलो-** दुखापतीन वळवळ्ळो.

**वाक्प्रचार :**

**जाग्यार येवप –** खरें कितें तें कळप
**मन येना जावप –** उमेद नासप
**रागान दांत-ओंठ खावप –** रागान दांत-ओंठ चाबप



आपलें भाशेंत कितेंतरी विचारलें. तें गोविंदनाक कळ्ळेंच ना. ताका दिसलें. खरें म्हणल्यार आपणे हाचेकडल्यान जातलो आशिल्लो तो अपघात चुकयला. हाका त्रासांतल्यान सोडयला. तरीय हाका इतलो राग कित्याक येवंचो? गोविंदनान हातवारे करून मोडके-तोडके इंग्लीशींत म्हणलें, ''दॅट ऑल्ड मॅन...ब्लायंड...ॲक्सीडेंट--'' पूण ड्रायवराक तो कितें सांगता तें कळ्ळेच ना. ताणें रागान ताच्या खोमसाक धरून ताका हालयलो आनी थापट मारपाक हात वयर उखल्लो. तेन्नाच ''धरात ताका, धरात ताका!'' अशें आड्डत शाळेंतले भुरगे म्होवांमुसांवरी धांवत आयले. अजापीत जाल्ल्या ड्रायवरान वळून पळयलें. सगळीं भुरगीं जमिल्लीं आनी 'गोविंदनाक सोड, गोविंदनाक सोड' अशें म्हणटालीं. तरीय तो गोविंदनाक कसोच सोडिना हें पळोवन सगळीं भुरगीं ड्रायवराच्या अंगार गेलीं. तीं ताका मारपाचींच. इतल्यांत शाळेचे मुख्याध्यापक थंय पावले. तांणी म्हणलें, ''भुरग्यांनो, हे कितें चलयलां? चलात, फाटी सरात.''

भुरगीं फाटीं सरलीं आनी रागान फुतफुतूंक लागलीं, ''फाटीं सरात खंय! ताका पुलिसेंत दिवंक जाय.''

मुख्याध्यापकानी मायेन गोविंदनाचे फाटीर हात भोंवडायलो आनी म्हणलें, ''गोविंदन, कितें जालांतें सगळें हांवें पळयलां. एका खिणाचोलेगीत कळाव जाल्लो जाल्यार हो जाणटो मनीस वांचचो नाशिल्लो.'' अशें म्हणून तांणी ड्रायवराकडेन पळयलें.

''गोविंदनान रस्त्यार उडकी कित्याक मारली हें हांव तुका सांगता!'' खरें कितें घडिल्लें तें मुख्याध्यापकानी ड्रायवराक हिंदीतल्यांन सांगलें. तें आयकून ड्रायवर जाग्यार आयलो. ताका आपकी चूक होलमली. तो गोविंदनाम्हऱ्यांत आयलो आनी ताणें ताका शाबासकी दिली.

ह्याच गोविंदनाक त्या वर्साचो भुरग्यांच्या साहसाखातीर आशिल्लो 'राष्ट्रीय बाल शौर्य पुरस्कार'फाव जालो.

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**मोड्ण-** वळण, **बिटिल्ली-** विटकी, **धेंप-** दांग, **चूक होलमली-** चूक कळ्ळी, **णिण्णावलो-** दुखापतीन वळवळ्ळो.

**वाक्प्रचार :**

**जाग्यार येवप –** खरें कितें तें कळप
**मन येना जावप –** उमेद नासप
**रागान दांत-ओंठ खावप –** रागान दांत-ओंठ चाबप

५१

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) ही गजाल खंयच्या राज्यांत घडिल्ली?
२) गोविंदन खंयचे यत्तेंत शिकतालो?
३) गोविंदन केन्ना केन्नाय, टिफीन कित्याक खायनाशिल्लो?
४) ट्रक खंय थारिल्लो?
५) भिकाऱ्याच्या हातांत कितें आशिल्लें?
६) गोविंदनाक कसलो पुरस्कार फाव जालो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप दोन–तीन वाक्यांनी बरयात.**

१) ३ सप्टें. १९७९ दिसा गोविंदन लागींचे वाटेन घरा कित्याक वतालो?
२) वेगान येवपी ट्रक पळोवन गोविंदनाच्या मनांत कितें विचार आयले?
३) आपणाक दुखापत जाल्ली आसतनाय गोविंदनान भिकाऱ्याक कसो आदार दिलो?
४) ड्रायवरान गोविंदनाक कितें केलें?
५) ड्रायवरान आपणाली चूक केन्ना होलमली?
६) गोविंदनान भिकाऱ्याक कसो वाटयलो?

**भाशाकार्य :**

भुरगीं फाटीं सरलीं **आनी** रागान फुतफुतूंक लागलीं.

ह्या वाक्यांत **आनी** हें उतर दोन वाक्यांक एकठांय जोडटा. अशे तरेचीं दोन उतरांक वा वाक्यांक जोडपी जोड–अव्ययां सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी आसात, तीं सोदून काडात.

१) ताका भूक लागली म्हूण ताणें उंडो खालो.
२) ताणें हॉर्न वाजयलो आनी ब्रेकाचेर पांय दवरलो.
३) भिकाऱ्याच्या हातांतली बडी आनी थाळी उसळून पयस पडली.
४) हांव थंय बेगीन पावलों पूण भितर गेलोना.
५) हांव आपयतलों तेन्ना तो येतलो.

**स्वाध्याय :**

तुमी वा तुमच्या इश्टान दुसऱ्याचेर केल्ल्या उपकाराची खबर धा वळींनी बरयात.



**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) ही गजाल खंयच्या राज्यांत घडिल्ली?
२) गोविंदन खंयचे यत्तेंत शिकतालो?
३) गोविंदन केन्ना केन्नाय, टिफीन कित्याक खायनाशिल्लो?
४) ट्रक खंय थारिल्लो?
५) भिकाऱ्याच्या हातांत कितें आशिल्लें?
६) गोविंदनाक कसलो पुरस्कार फाव जालो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप दोन–तीन वाक्यांनी बरयात.**

१) ३ सप्टें. १९७९ दिसा गोविंदन लागींचे वाटेन घरा कित्याक वतालो?
२) वेगान येवपी ट्रक पळोवन गोविंदनाच्या मनांत कितें विचार आयले?
३) आपणाक दुखापत जाल्ली आसतनाय गोविंदनान भिकाऱ्याक कसो आदार दिलो?
४) ड्रायवरान गोविंदनाक कितें केलें?
५) ड्रायवरान आपणाली चूक केन्ना होलमली?
६) गोविंदनान भिकाऱ्याक कसो वाटयलो?

**भाशाकार्य :**

भुरगीं फाटीं सरलीं **आनी** रागान फुतफुतूंक लागलीं.

ह्या वाक्यांत **आनी** हें उतर दोन वाक्यांक एकठांय जोडटा. अशे तरेचीं दोन उतरांक वा वाक्यांक जोडपी जोड–अव्ययां सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी आसात, तीं सोदून काडात.

१) ताका भूक लागली म्हूण ताणें उंडो खालो.
२) ताणें हॉर्न वाजयलो आनी ब्रेकाचेर पांय दवरलो.
३) भिकाऱ्याच्या हातांतली बडी आनी थाळी उसळून पयस पडली.
४) हांव थंय बेगीन पावलों पूण भितर गेलोना.
५) हांव आपयतलों तेन्ना तो येतलो.

**स्वाध्याय :**

तुमी वा तुमच्या इश्टान दुसऱ्याचेर केल्ल्या उपकाराची खबर धा वळींनी बरयात.

५२

# १९. बँक

संजूचे शाळेक आयज सुटी आशिल्ली. खूब कामां आशिल्ल्यान संजूच्या बाबान रजा घेतिल्ली. संजू बाबावांगडा बाजाराक वचपाक भायर सरलो. बाबान संजूक म्हणलें, ''आमी पयली बँकेत वचुंया. म्हाका चेक वटोवपाचे आसात.''

मार्गाकुशीक आशिल्ले बँकेत दोगय भितर सरले. भितर लोकांची खेट पळोवन संजून बाबाक विचारलें, ''बाबा, हे सगळे लोक हांगा चेक वटोवपाकच आयल्यात?'' '' ना. कांय लोक आपणाल्या खात्यार पयशे भरपाक आयल्यात. कांय जाण आपणाल्या खात्यांतले पयशे काडपाक आयल्यांत.'' बाबान समजावन सांगलें.

''पूण बाबा, म्हाका एक कळना, लोक आपणाले पयशे बँकेत कित्याक हाडून दवरतात? गरज लागता तेन्ना तेन्ना तांकां बँकेत येवचें पडलें ना?''

''हातांत गरजेपरस चड पयशे आसले म्हणटकच आमी नश्टो खर्च करीत रावतात. बँकेत जमा केल्ले आमचे पयशे सुगूर उरतात आनी आमकां गरज उप्रासता तेन्ना काडुंकूय मेळटात. बँक आमकां फुडाराखातीरची तजवीज करूंक शिकयता. इतलेंच न्हय तर आमी जमा केल्ल्या ह्या पयशांचेर आमकां येणावळ मेळटा.'' बाबान सांगलें.

''येणावळ? ती कशेतरेन?'' संजून अजापान विचारलें.

''खात्यांत जमा केल्ल्या पयशांचेर बँक आमकां कळंतर दिता. आनी अशेतरेन कळंतराच्या रुपान आमकां येणावळ मेळटा.'' बाबान सांगले आनी आपणाकडलो एक चेक आपणाल्या खात्यार घालपाक नाबीवयलो एक फॉर्म बरोवपाक घेतलो. ''बाबा, हो फॉर्म कसलो?'' संजून प्रस्न केलो. ''हाका 'जमा-पर्ची' वा 'क्रेडीट स्लीप' अशें म्हणटात. पयशे, चेक खात्यार घालता आसतना ही स्लीप बरोवन दिवंची पडटा.

''बाबा, एक विचारूं?''

''विचार. आतां आमी बँकेत आयल्यातूच न्हय? बँकेच्या सगळ्या वेवाराची हांव तुका म्हायती दितां.''

''हो चेक तुवें खंयच्याच हाडलो?''

''आरे, मुंबयच्या तुज्या जगूकाकान म्हाका पयशे दिवपाचे आशिल्ले. तितल्या पयशांचो ताणे म्हाका चेक बरोवन दिला. तो चेक हांव म्हज्या खात्यार घालता.'' बाबान जाप दिली.



# १९. बँक

संजूचे शाळेक आयज सुटी आशिल्ली. खूब कामां आशिल्ल्यान संजूच्या बाबान रजा घेतिल्ली. संजू बाबावांगडा बाजाराक वचपाक भायर सरलो. बाबान संजूक म्हणलें, ''आमी पयली बँकेत वचुंया. म्हाका चेक वटोवपाचे आसात.''

मार्गाकुशीक आशिल्ले बँकेत दोगय भितर सरले. भितर लोकांची खेट पळोवन संजून बाबाक विचारलें, ''बाबा, हे सगळे लोक हांगा चेक वटोवपाकच आयल्यात?'' '' ना. कांय लोक आपणाल्या खात्यार पयशे भरपाक आयल्यात. कांय जाण आपणाल्या खात्यांतले पयशे काडपाक आयल्यांत.'' बाबान समजावन सांगलें.

''पूण बाबा, म्हाका एक कळना, लोक आपणाले पयशे बँकेत कित्याक हाडून दवरतात? गरज लागता तेन्ना तेन्ना तांकां बँकेत येवचें पडलें ना?''

''हातांत गरजेपरस चड पयशे आसले म्हणटकच आमी नश्टो खर्च करीत रावतात. बँकेत जमा केल्ले आमचे पयशे सुगूर उरतात आनी आमकां गरज उप्रासता तेन्ना काडुंकूय मेळटात. बँक आमकां फुडाराखातीरची तजवीज करूंक शिकयता. इतलेंच न्हय तर आमी जमा केल्ल्या ह्या पयशांचेर आमकां येणावळ मेळटा.'' बाबान सांगलें.

''येणावळ? ती कशेतरेन?'' संजून अजापान विचारलें.

''खात्यांत जमा केल्ल्या पयशांचेर बँक आमकां कळंतर दिता. आनी अशेतरेन कळंतराच्या रुपान आमकां येणावळ मेळटा.'' बाबान सांगले आनी आपणाकडलो एक चेक आपणाल्या खात्यार घालपाक नाबीवयलो एक फॉर्म बरोवपाक घेतलो. ''बाबा, हो फॉर्म कसलो?'' संजून प्रस्न केलो. ''हाका 'जमा-पर्ची' वा 'क्रेडीट स्लीप' अशें म्हणटात. पयशे, चेक खात्यार घालता आसतना ही स्लीप बरोवन दिवंची पडटा.

''बाबा, एक विचारूं?''

''विचार. आतां आमी बँकेत आयल्यातूच न्हय? बँकेच्या सगळ्या वेवाराची हांव तुका म्हायती दितां.''

''हो चेक तुवें खंयच्याच हाडलो?''

''आरे, मुंबयच्या तुज्या जगूकाकान म्हाका पयशे दिवपाचे आशिल्ले. तितल्या पयशांचो ताणे म्हाका चेक बरोवन दिला. तो चेक हांव म्हज्या खात्यार घालता.'' बाबान जाप दिली.

५३




“पूण ते पयशे तुका हांगा कशे मेळटले?”

“आयक. जगूकाकान जो चेक दिला तो मुंबयचे बँकेचो. ही बँक ते बँकेकडल्यान जगूकाकाल्या खात्यांतले पयशे घेतली आनी ते पयशे म्हज्या खात्यार घालतली.”

“खात्यार? खात्यार कित्यार तर?” संजून विचारलें. “हें पळय. ह्या चेकाच्या कोनशार जगूकाकान दोन आडव्यो वळी मारल्यात. असले तरेच्या चेकाक ‘क्रॉस्ड चेक’ म्हणटात. अशा चेकाचे पयशे खात्यारूच जमा जातात.

“आनी कोणाच्यानूय खंयचेच बँकेचो चेक दीवं येता बाबा?”

“हय. पूण त्या मनशांचे बँकेत खातें आसचें पडटा.” बाबान म्हणलें आनी हातांतल्या बँगांतल्यान एक चेक बूक भायर काडलो.

“आता हातुंतलो एक चेक हांव हेच बँकेतल्या म्हज्या खात्यातल्यान पयशें काडपाक बरयतां.

“हे पयशे बँक तुका आतां रोखडीच दितली?” संजून विचारलें.

“हय. बँकेकडेन म्हजे सयेचो नमुनो आसा. ह्या नमुन्याकडेन बँकेचे अधिकारी म्हज्या






“पूण ते पयशे तुका हांगा कशे मेळटले?”

“आयक. जगूकाकान जो चेक दिला तो मुंबयचे बँकेचो. ही बँक ते बँकेकडल्यान जगूकाकाल्या खात्यांतले पयशे घेतली आनी ते पयशे म्हज्या खात्यार घालतली.”

“खात्यार? खात्यार कित्यार तर?” संजून विचारलें. “हें पळय. ह्या चेकाच्या कोनशार जगूकाकान दोन आडव्यो वळी मारल्यात. असले तरेच्या चेकाक ‘क्रॉस्ड चेक’ म्हणटात. अशा चेकाचे पयशे खात्यारूच जमा जातात.

“आनी कोणाच्यानूय खंयचेच बँकेचो चेक दीवं येता बाबा?”

“हय. पूण त्या मनशांचे बँकेत खातें आसचें पडटा.” बाबान म्हणलें आनी हातांतल्या बँगांतल्यान एक चेक बूक भायर काडलो.

“आता हातुंतलो एक चेक हांव हेच बँकेतल्या म्हज्या खात्यातल्यान पयशें काडपाक बरयतां.

“हे पयशे बँक तुका आतां रोखडीच दितली?” संजून विचारलें.

“हय. बँकेकडेन म्हजे सयेचो नमुनो आसा. ह्या नमुन्याकडेन बँकेचे अधिकारी म्हज्या

५४

चेकावयली सय जुळोवन पळयतले आनी सय जुळ्ळी जाल्यारूच म्हाका पयशे दितले. आनीक एक गजाल आयक. आपणाक जर बँकेत येवपाक फुरसत नासत तर आपणाले सयेचो चेक कोणायकडेन धाडून दीव येता. जो कोण हो चेक घेवन येता. ताका त्या चेकाचे पयशे मेळटात. कळ्ळें?

''कळ्ळें बाबा. बाबा, हांगा बचत खातें अशें कित्याक बरयलां?''

''बचत खातें आनी चालू खातें अशीं बँकेतलीं दोन मुखेल खातीं आसतात.''

''सेवींग अकाउंट म्हणल्यार कितें तर?'' संजून प्रस्न केलो. बाबान सांगलें, सेवींग अकाउंट म्हणल्यार बचत खातें. बँकेन थारायिल्ले उण्यांत उणे पयशे भरून हें खातें उगडूं येता. खात्यांत जमा केल्ल्या पयशांचेर बँक कळंतर दिता. खातें उगडटकच बँक पास-बूक दिता.''

''पास-बुकाचेर खातेदाराचें नांव, खातें क्रमांक आसता. आपणाल्या खात्यांत कितलेय फावटी पयशे भरूं येतात, पूण काडूंक मात सप्तकांतल्यान दोनदाच मेळटात.''

'म्हणटकच बाबा, कितले पयशे भरले आनी कितले पयशे काडले हाचो हिशोब आमी त्या पास-बुकाचेर बरोवपाचो?'' संजून विचारलें.

''ना. पयश भरिल्ल्याची आनी काडिल्ल्याची तारखेवार नोंद बँकच आमच्या पास-बुकांत करता. जशीती आमच्या पास-बुकाचेर नोंद करता तशी ती आपणालें नोंद-पटयेंतूय करता.'' बाबान सांगलें.

''म्हणल्यार पयशे जमा करतना वा पयशे काडटना पास-बूक व्हरप खूप गरजेचो तर?''

''हय. पास-बुकांत कितेय चूक घडल्या आसत तर ती तांचे नदरेक हाडून दिवप भोवच गरजेचें.''

''आमचे पयशे दवरून घेवन बँकेक कसलो लाव मेळटा तर?'' संजू.

''आमी जमा केल्ले पयशे बँक गरजेवंताक रीण म्हूण दिता. ह्या रिणाचेर बँकेक कळंतर मेळटा.''

''बँक रीण दिता?''

''हय. म्हणुनूच तर बँक ही समाजाची उपकारी संस्था!'' अशें म्हणून बाबान चेकाचे पयशे घेतले आनी दोगूय बँकेतल्यान भायर सरले.

---



चेकावयली सय जुळोवन पळयतले आनी सय जुळ्ळी जाल्यारूच म्हाका पयशे दितले. आनीक एक गजाल आयक. आपणाक जर बँकेत येवपाक फुरसत नासत तर आपणाले सयेचो चेक कोणायकडेन धाडून दीव येता. जो कोण हो चेक घेवन येता. ताका त्या चेकाचे पयशे मेळटात. कळ्ळें?

''कळ्ळें बाबा. बाबा, हांगा बचत खातें अशें कित्याक बरयलां?''

''बचत खातें आनी चालू खातें अशीं बँकेतलीं दोन मुखेल खातीं आसतात.''

''सेवींग अकाउंट म्हणल्यार कितें तर?'' संजून प्रस्न केलो. बाबान सांगलें, सेवींग अकाउंट म्हणल्यार बचत खातें. बँकेन थारायिल्ले उण्यांत उणे पयशे भरून हें खातें उगडूं येता. खात्यांत जमा केल्ल्या पयशांचेर बँक कळंतर दिता. खातें उगडटकच बँक पास-बूक दिता.''

''पास-बुकाचेर खातेदाराचें नांव, खातें क्रमांक आसता. आपणाल्या खात्यांत कितलेय फावटी पयशे भरूं येतात, पूण काडूंक मात सप्तकांतल्यान दोनदाच मेळटात.''

'म्हणटकच बाबा, कितले पयशे भरले आनी कितले पयशे काडले हाचो हिशोब आमी त्या पास-बुकाचेर बरोवपाचो?'' संजून विचारलें.

''ना. पयश भरिल्ल्याची आनी काडिल्ल्याची तारखेवार नोंद बँकच आमच्या पास-बुकांत करता. जशीती आमच्या पास-बुकाचेर नोंद करता तशी ती आपणालें नोंद-पटयेंतूय करता.'' बाबान सांगलें.

''म्हणल्यार पयशे जमा करतना वा पयशे काडटना पास-बूक व्हरप खूप गरजेचो तर?''

''हय. पास-बुकांत कितेय चूक घडल्या आसत तर ती तांचे नदरेक हाडून दिवप भोवच गरजेचें.''

''आमचे पयशे दवरून घेवन बँकेक कसलो लाव मेळटा तर?'' संजू.

''आमी जमा केल्ले पयशे बँक गरजेवंताक रीण म्हूण दिता. ह्या रिणाचेर बँकेक कळंतर मेळटा.''

''बँक रीण दिता?''

''हय. म्हणुनूच तर बँक ही समाजाची उपकारी संस्था!'' अशें म्हणून बाबान चेकाचे पयशे घेतले आनी दोगूय बँकेतल्यान भायर सरले.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**खेट–** गर्दी, **सुगूर–** सुरक्षीत, **येणावळ–** मिळकत

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) संजू बाबावांगडा खंय वचूंक भायर सरिल्लो?

२) संजूचो बाबा बँकेत कित्याक गेल्लो?

३) बँकेंतली मुखेल खातीं खंयची?

४) ‘क्रॉस्ड चेक’ म्हणल्यार कितें?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नांच्यो जापो ३/४ वाक्यांनी बरयात.**

१) पास-बूक आमकां कित्याक गरजेचो आसता?

२) जगूकाकान दिल्ल्या चेकाचे पयशे बाबाक कशे मेळटले?

३) बँकेचो लाव समाजाक कसो मेळटा?

❑❑❑



**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**खेट–** गर्दी, **सुगूर–** सुरक्षीत, **येणावळ–** मिळकत

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) संजू बाबावांगडा खंय वचूंक भायर सरिल्लो?

२) संजूचो बाबा बँकेत कित्याक गेल्लो?

३) बँकेंतली मुखेल खातीं खंयची?

४) ‘क्रॉस्ड चेक’ म्हणल्यार कितें?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नांच्यो जापो ३/४ वाक्यांनी बरयात.**

१) पास-बूक आमकां कित्याक गरजेचो आसता?

२) जगूकाकान दिल्ल्या चेकाचे पयशे बाबाक कशे मेळटले?

३) बँकेचो लाव समाजाक कसो मेळटा?


❑❑❑

५६

# २०. शेरूक

सवण्यांची चिंवचिंव आयकून जीव सुखावना असो कोण आसा? तांचे रंगरूप कितलें सोबीत! तांचें उडप, तांची घोटेर- बांदणी पळोवन मन भुल्लूसता. शेतांत, रानांत घरार, रुखार, मैदानार, दोंगरार, न्हंयेदेगेर वा उगत्या मळार सवण्यांचो राबितो आसता. दरेक सवणें आपणाल्या खाशेल्या गुणांनी नटलां.

शेरूक ह्या सवण्याचो झोपाळ्यावरी हुमकळपी घोंटेर सगल्यांचेच वळखीचो. चड करून शेतालागसार आशिल्ल्या माडाचेर वा उंचेल्या रूखाचेर शेरूक घोंटेर बांदता. लांब तणाच्यो काडयो, उसाच्यो चोयट्यो, पानांचे बारीक-मोटे दोर, माडाच्यो चुडट्यो हें ताच्या घोटेंराक लागपी सामान. हें सामान एकठांय केलेउपरांत एक एक काडी घेवन शेरूक घोंटेर विणपाक





# २०. शेरूक

सवण्यांची चिंवचिंव आयकून जीव सुखावना असो कोण आसा? तांचे रंगरूप कितलें सोबीत! तांचें उडप, तांची घोटेर- बांदणी पळोवन मन भुल्लूसता. शेतांत, रानांत घरार, रुखार, मैदानार, दोंगरार, न्हंयेदेगेर वा उगत्या मळार सवण्यांचो राबितो आसता. दरेक सवणें आपणाल्या खाशेल्या गुणांनी नटलां.

शेरूक ह्या सवण्याचो झोपाळ्यावरी हुमकळपी घोंटेर सगल्यांचेच वळखीचो. चड करून शेतालागसार आशिल्ल्या माडाचेर वा उंचेल्या रूखाचेर शेरूक घोंटेर बांदता. लांब तणाच्यो काडयो, उसाच्यो चोयट्यो, पानांचे बारीक-मोटे दोर, माडाच्यो चुडट्यो हें ताच्या घोटेंराक लागपी सामान. हें सामान एकठांय केलेउपरांत एक एक काडी घेवन शेरूक घोंटेर विणपाक



५७

लागता. पानाची वावळी तर केंसाइतली बारीक करता. ती पानापासून कशी सोलून काडटा तें शेरूकूच जाणा. चोंचींत दोन वेगळ्यो-वेगळ्यो काडयो घेवन त्या काड्यांची एकजोड करता आनी सोबीत विणीन घोंटेर विणटा.

घोंटेराचे सकयलेवटेन एक लांब आनी पोकळ अशी वाट आसता. हेंच घोंटेरांचें दार. मदेकाकय घोंटेराचो आकार फुगीर आसता. आनी वयलेवटेन घोंटेर बारीक जायत माडाचे चुडटेक वा रुखाखांदयेच्या तोंकाक गुठलायिल्लो आसता. घोंटेराचो मदलो फुगीर भाग होच तांचो रावपा-बिवपाचो जागो. हुंदीर, जिवाणी हांचेपसून तांतयां तशेंच पिलां सुगूर उरचीं अशी घोंटेराची बांदणी केल्ली आसता. शेरकाची ही घोंटेर विणपाची खाशेली कला पळोवन मनीस अजापभरीत जाता. खरेंच कोणें शिकयली काय शेरकाक ही विणपाची कला?

शेरकाची एकेक गजाल अजापाचीच. घोटेर फकत नर शेरूकच बांदता. मे ते सप्तेंबर मेरेनच्या काळांत तो खुबशे घोंटेर बांदता. नर शेरकान बांदिल्ले चार-पांच तरी घोंटेर मादी शेरूक नियाळटा उपरांत घट असो सोबित विणीचो घोटेर ती पसंत करता. ह्या घोंटेरांत भितर ती आपणाक जाय तशी वेवस्था करता. तांतयां, पिलां घोंटेरांतल्यान सकयल पडचीं न्हय म्हूण घोंटेराच्या फुगीर भागांत शेतांतलो चिखल थापता. पांखा हाडून थंयच मांडटा आनी पिलांखातीर मोव-मोव गादी तयार करता. आपणाल्या पिलांक ती ती भात तशेंच किडी, तोळ ह्या सारकेले जीव हाडून खावपाक दिता. नितळसाण हो तिचो खाशेलो गूण. दिसाक कितलेशेच फावटी ती घोंटेर निवळ करीत आसता.

ह्या सवण्याक वेगवेगळ्या नांवांनी वळखतात. कोण ताका सुगरण म्हणटा, कोण विणकर तर कोण बया! चिमणेयेद्या आकाराच्या ह्या सवण्याक फाटीर पुडीकोराचीं तर पोटाकडें धव्या कोराचीं वाटकुळसार पांखां आसतात. पांय मोटवे पूण निबर, चोंच मातशी आखूड पूण तोंकाळ! शियाळ्यांत आनी उबाळांत नर आनी मादी शेरूक रंगान सारकींच दिसतात.  पूण घोंटेर विणटा त्या दिसांनी मात ना शेरकाच्या रंगांत बदल जाता. ताचे तकलेवयलो आनी हड्ड्याकडलो भाग हळदुवो जाता. पोटाकडलो भाग धवसार जाता. मादीच्या रंगांत मात इल्लोय बदल जायना.

शेरकां शेतांतलें भात खावन शेताचें लुकसाण करतात हें खरें पूण शेतांतल्यो किडी, तोळ ह्या सारकेले जीव मारून तीं शेतकामत्यांक आदारय दितात. भिऱ्यांनीच रावपी शेरूक म्हणल्यार सैमांतलें एक अप्रुपूच.



लागता. पानाची वावळी तर केंसाइतली बारीक करता. ती पानापासून कशी सोलून काडटा तें शेरूकूच जाणा. चोंचींत दोन वेगळ्यो-वेगळ्यो काडयो घेवन त्या काड्यांची एकजोड करता आनी सोबीत विणीन घोंटेर विणटा.

घोंटेराचे सकयलेवटेन एक लांब आनी पोकळ अशी वाट आसता. हेंच घोंटेरांचें दार. मदेकाकय घोंटेराचो आकार फुगीर आसता. आनी वयलेवटेन घोंटेर बारीक जायत माडाचे चुडटेक वा रुखाखांदयेच्या तोंकाक गुठलायिल्लो आसता. घोंटेराचो मदलो फुगीर भाग होच तांचो रावपा-बिवपाचो जागो. हुंदीर, जिवाणी हांचेपसून तांतयां तशेंच पिलां सुगूर उरचीं अशी घोंटेराची बांदणी केल्ली आसता. शेरकाची ही घोंटेर विणपाची खाशेली कला पळोवन मनीस अजापभरीत जाता. खरेंच कोणें शिकयली काय शेरकाक ही विणपाची कला?

शेरकाची एकेक गजाल अजापाचीच. घोटेर फकत नर शेरूकच बांदता. मे ते सप्तेंबर मेरेनच्या काळांत तो खुबशे घोंटेर बांदता. नर शेरकान बांदिल्ले चार-पांच तरी घोंटेर मादी शेरूक नियाळटा उपरांत घट असो सोबित विणीचो घोटेर ती पसंत करता. ह्या घोंटेरांत भितर ती आपणाक जाय तशी वेवस्था करता. तांतयां, पिलां घोंटेरांतल्यान सकयल पडचीं न्हय म्हूण घोंटेराच्या फुगीर भागांत शेतांतलो चिखल थापता. पांखा हाडून थंयच मांडटा आनी पिलांखातीर मोव-मोव गादी तयार करता. आपणाल्या पिलांक ती ती भात तशेंच किडी, तोळ ह्या सारकेले जीव हाडून खावपाक दिता. नितळसाण हो तिचो खाशेलो गूण. दिसाक कितलेशेच फावटी ती घोंटेर निवळ करीत आसता.

ह्या सवण्याक वेगवेगळ्या नांवांनी वळखतात. कोण ताका सुगरण म्हणटा, कोण विणकर तर कोण बया! चिमणेयेद्या आकाराच्या ह्या सवण्याक फाटीर पुडीकोराचीं तर पोटाकडें धव्या कोराचीं वाटकुळसार पांखां आसतात. पांय मोटवे पूण निबर, चोंच मातशी आखूड पूण तोंकाळ! शियाळ्यांत आनी उबाळांत नर आनी मादी शेरूक रंगान सारकींच दिसतात.  पूण घोंटेर विणटा त्या दिसांनी मात ना शेरकाच्या रंगांत बदल जाता. ताचे तकलेवयलो आनी हड्ड्याकडलो भाग हळदुवो जाता. पोटाकडलो भाग धवसार जाता. मादीच्या रंगांत मात इल्लोय बदल जायना.

शेरकां शेतांतलें भात खावन शेताचें लुकसाण करतात हें खरें पूण शेतांतल्यो किडी, तोळ ह्या सारकेले जीव मारून तीं शेतकामत्यांक आदारय दितात. भिऱ्यांनीच रावपी शेरूक म्हणल्यार सैमांतलें एक अप्रुपूच.

५८

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**उसाच्यो चोयट्यो–** ऊस पिळून जाल्लो चोथो, **राबितो–** रावप, **नियाळप–** पारखप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) सवण्यांचो राबितो खंय खंय आसता?
२) नर शेरूक मादी शेरकापरस वेगळो केन्ना दिसता?
३) शेरूक घोंटेर खंय बांदता?
४) शेरकाच्या घोंटेराक कसलें सामान लागता?
५) मादी शेरकाचो खाशेलो गूण खंयचो?

**आ) सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो ३/४ वळींनी बरयात.**

१) शेरकाच्या घोंटेराचें वर्णन कारत.
२) घोंटेर बांदतात त्या दिसांनी नर शेरकांत कसलो बदल घडटा?
३) मादी शेरूक घोंटेरांत पिलांखातीर कितें वेवस्था करता?

**स्वाध्याय:**

तुमी पळयल्ल्या सवण्यांची नियाळणी करून सकयल दिल्ल्यो नोंदी तुमचे चोंपडेंत बरयात.

१) सवणें दिसलां तो जागो.
२) सवण्याचें नांव, रंग, आकार, ताच्या आंगांचे वर्णन.
३) सवणें दिलां तो दीस, तारीख, म्हयनो, रुतू.
४) सवण्याचो घोंटेर, ताचें खाण.
५) खबर आशिल्ल्या हेर सवण्याकडेन ताचें सारकेंपण.
देखीक : चिमणी, कावळो, साळोरी, पारवो.
६) सवणें कसलें– उदकांत रावपी, जमनीर रावपी.
७) दिसलां त्या सवण्याचें चित्र.

❑❑❑



**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**उसाच्यो चोयट्यो–** ऊस पिळून जाल्लो चोथो, **राबितो–** रावप, **नियाळप–** पारखप.

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) सवण्यांचो राबितो खंय खंय आसता?
२) नर शेरूक मादी शेरकापरस वेगळो केन्ना दिसता?
३) शेरूक घोंटेर खंय बांदता?
४) शेरकाच्या घोंटेराक कसलें सामान लागता?
५) मादी शेरकाचो खाशेलो गूण खंयचो?

**आ) सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो ३/४ वळींनी बरयात.**

१) शेरकाच्या घोंटेराचें वर्णन कारत.
२) घोंटेर बांदतात त्या दिसांनी नर शेरकांत कसलो बदल घडटा?
३) मादी शेरूक घोंटेरांत पिलांखातीर कितें वेवस्था करता?

**स्वाध्याय:**

तुमी पळयल्ल्या सवण्यांची नियाळणी करून सकयल दिल्ल्यो नोंदी तुमचे चोंपडेंत बरयात.

१) सवणें दिसलां तो जागो.
२) सवण्याचें नांव, रंग, आकार, ताच्या आंगांचे वर्णन.
३) सवणें दिलां तो दीस, तारीख, म्हयनो, रुतू.
४) सवण्याचो घोंटेर, ताचें खाण.
५) खबर आशिल्ल्या हेर सवण्याकडेन ताचें सारकेंपण.
देखीक : चिमणी, कावळो, साळोरी, पारवो.
६) सवणें कसलें– उदकांत रावपी, जमनीर रावपी.
७) दिसलां त्या सवण्याचें चित्र.

❑❑❑

५९

# २१. राखी

पिठावरी चान्नें न्हेसून
सोबीत पुनव आयली
भाऊ रायाक भयणीन
रस्मी राखी बांदली

चंद्रावरी शांत भाव
आयज म्हाका मेळ्ळो
गोरो न्हय जरी
कृष्णाभशेन सावळो

कौरवांच्या हातसून कृष्णा
लज म्हजी राखचेली
अशींच सदां आमचे मदीं
खोशये फुलां फुलचेलीं

भावा तुज्या मायेची रे
माळ एक गुंथचेली
दर वर्सा ह्याच दिसा
राखी तुका बांदचेली

—सुनील पालकर



# २१. राखी

पिठावरी चान्नें न्हेसून
सोबीत पुनव आयली
भाऊ रायाक भयणीन
रस्मी राखी बांदली

चंद्रावरी शांत भाव
आयज म्हाका मेळ्ळो
गोरो न्हय जरी
कृष्णाभशेन सावळो

कौरवांच्या हातसून कृष्णा
लज म्हजी राखचेली
अशींच सदां आमचे मदीं
खोशये फुलां फुलचेलीं

भावा तुज्या मायेची रे
माळ एक गुंथचेली
दर वर्सा ह्याच दिसा
राखी तुका बांदचेली

—सुनील पालकर

६०

# २२. डॉ. बाबासायब आंबेडकर

२० मार्च १९२७ हो दीस. महाराष्ट्रांतल्या कुलाबा जिल्ह्यांतलो महाड गांव उचांबळ जाल्लो. गांवांतल्या 'चवदार' 'तळ्याचेर' मोर्चो वचपाचो आसलो. गावांतले लोक त्या तळ्याचें उदक हरिजनाक पिवपाक दिनासले. इतलेंच न्हय तर उदकाक आफुडपाकलेगीत तांका बंदी आसली. ती बंदी मोडपाक एक तरनाटो वावूरतालो. गावांतल्या सगल्या हरिजनांक त्या तरनाट्यान घरा-घरांची भोवून जमा केल्ले. ताच्या आधाराक शेंकड्यांनी कार्यकर्ते एकठांय जाल्ले. मोर्च्याची कार्यावळ ताणें सगल्यांक समजावन सांगली, मोर्चो तळ्याचे देगेर पावलो पूण हरिजन लोक तळ्यांत देंवपाक अनमनताले. सगले फाटीं-फाटीं सरताले. त्या तरनाट्यान तांकां खूब समजायले. तरीय ते आयकनात तें पळोवन सगल्यांत पयलीं तो तळ्याची सपणां देंवलो. ताणें आपल्या पोशांत उदक घेतलें तेबराबर त्या तरनाट्याच्या नांवाचो मोर्च्यांतल्या लोकांनी जयजयकार केलो. एक एक करून सगले हरिजन उदक पियेले. ''तळें बाटयलें, धर्म बुडयलो.'' असो गांवच्या हेर लोकांनी बोवाळ सुरू केलो.

''तळ्याचें उदक पिवपाचो आमकांय अधिकार आसा. ह्या फुडें गांवांतल्या सगल्या तळ्याचें आनी बांयांचे उदक आमीय वापरतले. देवळांत वचून देवाचें दर्शन आमीय घेतले.''

भीड-भाड बाळगिनासतना अशेन सांगपी हो तरनाटो म्हणल्यार बाबासायब आंबेडकर.

१४ एप्रिल १८९१ दिसा मध्यप्रदेशांतल्या महू ह्या गांवांत बाबासायब आंबेडकर ह्यांचो जल्म जालो. तांच्या बापायचें नांव रामजी आनी आवयचें नांव भिमा. सकपाळ आंबेडकर हें तांचें आडनांव. आवयन अपुरबायेन आपल्या नांवावयल्यान तांकां 'भिमराव' हें नांव दवरलें. गांवांतले शाळेंत शिकतना हेर समाजांतल्या भुरग्यांकडल्यान तांकां अपमान सोसचे पडटाले. वर्गांत एका कोनशाक तांकां साकाकुडक्याचेर बसचें पडटाले. तांचे सावळेकलेगीत कोण उबो रावनासलो. अशी परिस्थिति आसली तरी तांणी शाळा सोडली ना. शिकपाक ते खुबच हुशार आसले. शिकपांतली तांची बुदवंतकाय पारखून ते शाळेंतल्या तांच्या आंबेडकर गुरुजीन तांकां खूब पालव दिलो. आपलो खाशेलो वेळ दिवन ते तांच्यो शिकपांतल्यो अडचणी सोडयताले. इतलेंच न्हय तर 'सकपाल आंबावडेकर' हें आडनांव बदलून आपलें 'आंबेडकर' हें आंडनांव दिलें. तेन्नासावन भिमराव आंबेडकर'' ह्या नांवान सगळे तांकां वळखूंक लागले.



# २२. डॉ. बाबासायब आंबेडकर

२० मार्च १९२७ हो दीस. महाराष्ट्रांतल्या कुलाबा जिल्ह्यांतलो महाड गांव उचांबळ जाल्लो. गांवांतल्या 'चवदार' 'तळ्याचेर' मोर्चो वचपाचो आसलो. गावांतले लोक त्या तळ्याचें उदक हरिजनाक पिवपाक दिनासले. इतलेंच न्हय तर उदकाक आफुडपाकलेगीत तांका बंदी आसली. ती बंदी मोडपाक एक तरनाटो वावूरतालो. गावांतल्या सगल्या हरिजनांक त्या तरनाट्यान घरा-घरांची भोवून जमा केल्ले. ताच्या आधाराक शेंकड्यांनी कार्यकर्ते एकठांय जाल्ले. मोर्च्याची कार्यावळ ताणें सगल्यांक समजावन सांगली, मोर्चो तळ्याचे देगेर पावलो पूण हरिजन लोक तळ्यांत देंवपाक अनमनताले. सगले फाटीं-फाटीं सरताले. त्या तरनाट्यान तांकां खूब समजायले. तरीय ते आयकनात तें पळोवन सगल्यांत पयलीं तो तळ्याची सपणां देंवलो. ताणें आपल्या पोशांत उदक घेतलें तेबराबर त्या तरनाट्याच्या नांवाचो मोर्च्यांतल्या लोकांनी जयजयकार केलो. एक एक करून सगले हरिजन उदक पियेले. ''तळें बाटयलें, धर्म बुडयलो.'' असो गांवच्या हेर लोकांनी बोवाळ सुरू केलो.

''तळ्याचें उदक पिवपाचो आमकांय अधिकार आसा. ह्या फुडें गांवांतल्या सगल्या तळ्याचें आनी बांयांचे उदक आमीय वापरतले. देवळांत वचून देवाचें दर्शन आमीय घेतले.''

भीड-भाड बाळगिनासतना अशेन सांगपी हो तरनाटो म्हणल्यार बाबासायब आंबेडकर.

१४ एप्रिल १८९१ दिसा मध्यप्रदेशांतल्या महू ह्या गांवांत बाबासायब आंबेडकर ह्यांचो जल्म जालो. तांच्या बापायचें नांव रामजी आनी आवयचें नांव भिमा. सकपाळ आंबेडकर हें तांचें आडनांव. आवयन अपुरबायेन आपल्या नांवावयल्यान तांकां 'भिमराव' हें नांव दवरलें. गांवांतले शाळेंत शिकतना हेर समाजांतल्या भुरग्यांकडल्यान तांकां अपमान सोसचे पडटाले. वर्गांत एका कोनशाक तांकां साकाकुडक्याचेर बसचें पडटाले. तांचे सावळेकलेगीत कोण उबो रावनासलो. अशी परिस्थिति आसली तरी तांणी शाळा सोडली ना. शिकपाक ते खुबच हुशार आसले. शिकपांतली तांची बुदवंतकाय पारखून ते शाळेंतल्या तांच्या आंबेडकर गुरुजीन तांकां खूब पालव दिलो. आपलो खाशेलो वेळ दिवन ते तांच्यो शिकपांतल्यो अडचणी सोडयताले. इतलेंच न्हय तर 'सकपाल आंबावडेकर' हें आडनांव बदलून आपलें 'आंबेडकर' हें आंडनांव दिलें. तेन्नासावन भिमराव आंबेडकर'' ह्या नांवान सगळे तांकां वळखूंक लागले.

६१

१९०७ वर्सा बाबासायब मॅट्रीकची परिक्षा पास जाले. गरिबीकलागून फुडलें शिक्षण घेवपाची आस्पत तांका नासली. त्या वेळार सयाजीराव गायकवाड हे बडोदा संस्थानचे राजा आसले. ताणी बाबासायबांची हुशारकाय पारखिली आनी शिकपाखातीर दुडवांचो आदार दिलो. तेचभशेन कोल्हापूरचे राजा भोसलें हाणींय तांकां शिकपाक पालव दिलो.

१९१३ वर्सा बाबासायब बी. ए. पास जाले आनी मागीर ताणी सैन्यांत लेफ्टनंटची नोकरी धरली. नोकरेंत तांचें मन लागनासलें. शिकपाची तळमळ तांकां सतायताली. तांची ही शिकपाची जिद्द पळोवन सयाजीराव गायकवाडांनी तांकां फुडल्या शिक्षणाखातीर अमेरीकेक धाडले. १९१६ वर्सा ताणी अमेरिकेच्या कोलंबिया विद्यापीठाची डॉक्टरेट पदवी मेळयली. मुखार ते बॅरिस्टर जाले. इतले उंचेलें शिक्षण घेवपी दलीत समाजांतले ते पयलेच विद्यार्थी.

आपल्या लोकांची आनी देशाची सेवा करपाखातीर ते भारतांत परतले. ताणी वकिली सुरू केली. आनी कांय कॉलेजींनी शिकोवपाचेंय काम करूंक लागले.

पूण आपल्या लोकांची आनी देशाची सेवा करपाक फाव तो वेळ मेळना हें पळोवन ताणी वकिली आनी शिकोवप सोडलें. पुराय वेळ दलीत लोकांचे सेवेखातीर दिवंक लागले. भुरगेपणांत ताणी सोशिल्ले अन्याय ते विसरूंक नासले. फुडले पिळगेक अशेच अन्याय सोसचे पडचे न्हय, समाज सुधारीत जावचो म्हूण 'बहिश्कृत हितकारणी सभा' नांवाची एक संस्था ताणी स्थापन केली.

भारत स्वतंत्र जालेउपरांत देशाचो कारभार लोकशाय पद्धतीन चलूंक लागलो. हे लोकशाय पद्धतीची राज्यघटना करपाच्या कामांत डॉ. बाबासायब आंबेडकरांनी मोलादीक वावर केलो. तेखातीर तांकां 'भारतीय राज्यघटनेचे शिल्पकार' अशें म्हणटात.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**उचांबळ जाल्लो–** खुबळिल्लो, **पालव–** आदार, **बहिश्कृत–** भायरायल्लो, **बुदवंत–** हुशार, **जबर–** खूब

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) बाबासायब आंबेडकर मोर्चो खंय व्हरपाचे आसले?

२) बाबासायब आंबेडकरांचो जल्म खंय आनी केन्ना जालो?

३) बाबासायब आंबेडकरांचे खरें नांव कितें?



१९०७ वर्सा बाबासायब मॅट्रीकची परिक्षा पास जाले. गरिबीकलागून फुडलें शिक्षण घेवपाची आस्पत तांका नासली. त्या वेळार सयाजीराव गायकवाड हे बडोदा संस्थानचे राजा आसले. ताणी बाबासायबांची हुशारकाय पारखिली आनी शिकपाखातीर दुडवांचो आदार दिलो. तेचभशेन कोल्हापूरचे राजा भोसलें हाणींय तांकां शिकपाक पालव दिलो.

१९१३ वर्सा बाबासायब बी. ए. पास जाले आनी मागीर ताणी सैन्यांत लेफ्टनंटची नोकरी धरली. नोकरेंत तांचें मन लागनासलें. शिकपाची तळमळ तांकां सतायताली. तांची ही शिकपाची जिद्द पळोवन सयाजीराव गायकवाडांनी तांकां फुडल्या शिक्षणाखातीर अमेरीकेक धाडले. १९१६ वर्सा ताणी अमेरिकेच्या कोलंबिया विद्यापीठाची डॉक्टरेट पदवी मेळयली. मुखार ते बॅरिस्टर जाले. इतले उंचेलें शिक्षण घेवपी दलीत समाजांतले ते पयलेच विद्यार्थी.

आपल्या लोकांची आनी देशाची सेवा करपाखातीर ते भारतांत परतले. ताणी वकिली सुरू केली. आनी कांय कॉलेजींनी शिकोवपाचेंय काम करूंक लागले.

पूण आपल्या लोकांची आनी देशाची सेवा करपाक फाव तो वेळ मेळना हें पळोवन ताणी वकिली आनी शिकोवप सोडलें. पुराय वेळ दलीत लोकांचे सेवेखातीर दिवंक लागले. भुरगेपणांत ताणी सोशिल्ले अन्याय ते विसरूंक नासले. फुडले पिळगेक अशेच अन्याय सोसचे पडचे न्हय, समाज सुधारीत जावचो म्हूण 'बहिश्कृत हितकारणी सभा' नांवाची एक संस्था ताणी स्थापन केली.

भारत स्वतंत्र जालेउपरांत देशाचो कारभार लोकशाय पद्धतीन चलूंक लागलो. हे लोकशाय पद्धतीची राज्यघटना करपाच्या कामांत डॉ. बाबासायब आंबेडकरांनी मोलादीक वावर केलो. तेखातीर तांकां 'भारतीय राज्यघटनेचे शिल्पकार' अशें म्हणटात.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**उचांबळ जाल्लो–** खुबळिल्लो, **पालव–** आदार, **बहिश्कृत–** भायरायल्लो, **बुदवंत–** हुशार, **जबर–** खूब

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) बाबासायब आंबेडकर मोर्चो खंय व्हरपाचे आसले?

२) बाबासायब आंबेडकरांचो जल्म खंय आनी केन्ना जालो?

३) बाबासायब आंबेडकरांचे खरें नांव कितें?

६२

४) गांवांतले शाळेंत शिकताना तांकां कोणाक कोणाकडल्यान त्रास सोसचे पडटाले?

५) तांकां फुलें शिक्षण घेवपाक दुडवांचो आदार कोणें कोणें दिलो?

६) बाबासायब आंबेडकरांक नोकरी कित्याक करची पडली?

**ब) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वाक्यांनी बरयात.**

१) बाबासायब आंबेडकरांनी शिकोवप आनी वकिली कित्याक सोडली?

२) बाबासायब आंबेडकर तळ्याचेर मोर्चो कित्याक व्हरपाचे आसले?

३) दलीत लोकांचे सेवेखातीर बाबासायब आंबेडकरांनी कितें कितें केलें?

४) सयाजीराव गायकवाडांनी तांकां कसलो कसलो पालव दिलो?

**भाशाकार्य :**

सकयल दिल्ल्या वाक्यांतलीं नामां सर्वनामां, विशेशणां आनी क्रियापदां वेगवेगळ्या खणांनी घालात.

१) महाराष्ट्रातल्या कुलाबा जिल्ह्यांतलो महाड हो गांव उचांबळ जाल्लो.

२) रामूक पळोवन नितान दार उगडलें.

३) एक मनीस लांब जाल्यार दुसरो मोटवो आसा.

४) चवथ ही गोंयची मुखेल परब.

| नाम | सर्वनाम | विशेशण | क्रियापद |
|---|---|---|---|
| | | | |

❑❑❑



४) गांवांतले शाळेंत शिकताना तांकां कोणाक कोणाकडल्यान त्रास सोसचे पडटाले?

५) तांकां फुलें शिक्षण घेवपाक दुडवांचो आदार कोणें कोणें दिलो?

६) बाबासायब आंबेडकरांक नोकरी कित्याक करची पडली?

**ब) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वाक्यांनी बरयात.**

१) बाबासायब आंबेडकरांनी शिकोवप आनी वकिली कित्याक सोडली?

२) बाबासायब आंबेडकर तळ्याचेर मोर्चो कित्याक व्हरपाचे आसले?

३) दलीत लोकांचे सेवेखातीर बाबासायब आंबेडकरांनी कितें कितें केलें?

४) सयाजीराव गायकवाडांनी तांकां कसलो कसलो पालव दिलो?

**भाशाकार्य :**

सकयल दिल्ल्या वाक्यांतलीं नामां सर्वनामां, विशेशणां आनी क्रियापदां वेगवेगळ्या खणांनी घालात.

१) महाराष्ट्रातल्या कुलाबा जिल्ह्यांतलो महाड हो गांव उचांबळ जाल्लो.

२) रामूक पळोवन नितान दार उगडलें.

३) एक मनीस लांब जाल्यार दुसरो मोटवो आसा.

४) चवथ ही गोंयची मुखेल परब.

| नाम | सर्वनाम | विशेशण | क्रियापद |
|---|---|---|---|
| | | | |

❑❑❑

६३

# २३. गोशाळा

सद्चेंभशेन वाड्यावायलीं भुरगीं इनासकाकागेर जमलीं. भुरगीं जमल्यांत तें पळोवन इनासकाकान म्हणलें, ''चलात. आयज हांव तुमकां एके नवे सुवातेर भोंवडेक व्हरतां.''

इनासकाकान मोटार चालू केली.

''आमी आतां गोशाळा पळोवपाक वतात. ती फोंडे म्हालांतल्या उसगांव गांवांत आसा.''

''गोशाळा म्हणल्यार कसली शाळा इनासकाका?'' सिद्धीन विचारलें.

''ही गोरवांची शाळा. ही शाळा तुमचे शाळेपरस सामकी वेगळी. हे शाळेंत गायो-पाडकां आसात.'' इनासकाकान सांगलें. ''आमी गायो पाडकां सदांच पळयतात.'' रशिदान तोंड वांकडें करीत म्हणलें.

''राव, राव, ही शाळा पळयतकच तुका कळटलें. बेश्टोच बोवाळ नाका तुजो. उसगांव तिस्कारसाकून सुमार २ किलो मी. भितर ही शाळा आसा.''

गच्च झाडां-झोपां आशिल्ल्या रानांतल्या मार्गान मोटार फुडें वताली.

मोटार गोशाळेच्या मुखेल दरवट्याकडेन पावली.

मुखार 'द्वारकापूरी गौसेवा आश्रम' नांवाची व्हहली पाटी दिसताली.'' हो गोशाळेचो मुखेल दरवटो.

दरवट्यांतल्यान मोटार फुडें गेली. ''ही पळय, आमी गोशाळेंत पावलीं.'' अशें म्हणत इनासकाकान मोटार थारयली. भुरगीं सकयल देंवलीं.





# २३. गोशाळा

सद्चेंभशेन वाड्यावायलीं भुरगीं इनासकाकागेर जमलीं. भुरगीं जमल्यांत तें पळोवन इनासकाकान म्हणलें, ''चलात. आयज हांव तुमकां एके नवे सुवातेर भोंवडेक व्हरतां.''

इनासकाकान मोटार चालू केली.

''आमी आतां गोशाळा पळोवपाक वतात. ती फोंडे म्हालांतल्या उसगांव गांवांत आसा.''

''गोशाळा म्हणल्यार कसली शाळा इनासकाका?'' सिद्धीन विचारलें.

''ही गोरवांची शाळा. ही शाळा तुमचे शाळेपरस सामकी वेगळी. हे शाळेंत गायो-पाडकां आसात.'' इनासकाकान सांगलें. ''आमी गायो पाडकां सदांच पळयतात.'' रशिदान तोंड वांकडें करीत म्हणलें.

''राव, राव, ही शाळा पळयतकच तुका कळटलें. बेश्टोच बोवाळ नाका तुजो. उसगांव तिस्कारसाकून सुमार २ किलो मी. भितर ही शाळा आसा.''

गच्च झाडां-झोपां आशिल्ल्या रानांतल्या मार्गान मोटार फुडें वताली.

मोटार गोशाळेच्या मुखेल दरवट्याकडेन पावली.

मुखार 'द्वारकापूरी गौसेवा आश्रम' नांवाची व्हहली पाटी दिसताली.'' हो गोशाळेचो मुखेल दरवटो.

दरवट्यांतल्यान मोटार फुडें गेली. ''ही पळय, आमी गोशाळेंत पावलीं.'' अशें म्हणत इनासकाकान मोटार थारयली. भुरगीं सकयल देंवलीं.



६४

मुखार आशिल्ली व्हडली मेकळी सुवात. भितर सरता थंयच दिसतालो रोवन काडिल्लो चरव. मदेकाकच पेड बांदिल्लो एक व्हडलो रूख आशिल्लो. इनासकाका भुरग्यांक घेवन फुडें चलूंक लागलो. दावेवटेन गोरवांचे लांबचेलांब गोठे आशिल्ले. काळ्या, शिबऱ्या, धव्या, मातये-कोराच्या गायां- पाडकांनी भुरग्यांचो कुलकुलाट आयकून कान फुलयले.

''कितली सोबीत हीं गोरवां!'' थंयच चरतात त्या गोरवांक पळोवन मनून म्हणलें.

''कितलीं निवळ आनी तुकतुकीत!'' गौरीक तांची अपुरबाय दिसली. ताण एके गायचे फाटीवयल्यान हात भोंवडायलो.

''गौरी, तुका मारीत ती.'' रशिदान भंयान म्हणलें.

पूण गाय मायेन भुरग्यांकडेन पळयताली. रशिदाचो भंय गेलो. ताणेय तिचे फाटीवयल्यान अपुरबायेन हात भोंवडायलो. एक सान पाडूक तर मनुच्या पांयांक चाटूंक लागले. मनू फुडें चलता आसतना तें ताच्या फाटल्यान चलपाक लागलें. भुरग्यांक ताची मजाच दिसली.

इतल्यांत गोशाळेची जतनाय घेवपी कृष्णा भुरग्यांम्हऱ्यांत आयलो.

''हो तुमचो कृष्णाकाका. कृष्णाकाका ल्हानपणासावन हांगा आसा. तोच तुमकां सगळी म्हायती दितलो.'' इनासकाकान वळख करून दिली.

''येयात भुरग्यांनो.'' कृष्णाकाकान सगळ्यांक एका घरांत व्हेली. सगळ्यांक बसयलीं आनी म्हऱ्यांत हुनहुनीत दुदाचे पेले दवरले.

''घेयात भुरग्यांनो. आमचे गोशाळेंतलें हेंच खरें धन.'' भुरगीं दूद पियेलीं.

''हो फोटू पळयला?'' फोटवाकडेच बोट दाखयत कृष्णान विचारलें. ह्या फोटवांत दिसतात ते श्री. नरसिंहाचार्य गौड स्वामी. ही गोशाळा तांचीच. कांय वर्साफाटीं स्वामी तिर्थां भोंवत भोंवत पंजाबसावन गोंयांत आयले. कवळेचे पाठशाळेंतते शिकोवंक लागले, पूण थंय तांचें मन लागना जालें. भुरग्या-बाळांक गरजेंचें अशें दूद दिवपी गोरवांचो तांकां उपाट मोग आसलो. पाठशाळेंच्या कामापरस गोरवांचे सेवेची तांकां चड आवड आसली. हे मोनजातीची सेवा करपाखातीरूच आपलो जल्म जाला अशें तांकां दिसलें. आपणाकडेन आशिल्ली गोरवां घेवन ते हांगा आयले. हांगा गोरवांक चरपाखातीर चरव आसा हें तांणी पारखिलें आनी हांगाच गोशाळा उबारली. सुरवेक आठ-धा गायो आनी पाडकां आशिल्लीं. आपणाल्या भुरग्यांवरी ते



मुखार आशिल्ली व्हडली मेकळी सुवात. भितर सरता थंयच दिसतालो रोवन काडिल्लो चरव. मदेकाकच पेड बांदिल्लो एक व्हडलो रूख आशिल्लो. इनासकाका भुरग्यांक घेवन फुडें चलूंक लागलो. दावेवटेन गोरवांचे लांबचेलांब गोठे आशिल्ले. काळ्या, शिबऱ्या, धव्या, मातये-कोराच्या गायां- पाडकांनी भुरग्यांचो कुलकुलाट आयकून कान फुलयले.

''कितली सोबीत हीं गोरवां!'' थंयच चरतात त्या गोरवांक पळोवन मनून म्हणलें.

''कितलीं निवळ आनी तुकतुकीत!'' गौरीक तांची अपुरबाय दिसली. ताण एके गायचे फाटीवयल्यान हात भोंवडायलो.

''गौरी, तुका मारीत ती.'' रशिदान भंयान म्हणलें.

पूण गाय मायेन भुरग्यांकडेन पळयताली. रशिदाचो भंय गेलो. ताणेय तिचे फाटीवयल्यान अपुरबायेन हात भोंवडायलो. एक सान पाडूक तर मनुच्या पांयांक चाटूंक लागले. मनू फुडें चलता आसतना तें ताच्या फाटल्यान चलपाक लागलें. भुरग्यांक ताची मजाच दिसली.

इतल्यांत गोशाळेची जतनाय घेवपी कृष्णा भुरग्यांम्हऱ्यांत आयलो.

''हो तुमचो कृष्णाकाका. कृष्णाकाका ल्हानपणासावन हांगा आसा. तोच तुमकां सगळी म्हायती दितलो.'' इनासकाकान वळख करून दिली.

''येयात भुरग्यांनो.'' कृष्णाकाकान सगळ्यांक एका घरांत व्हेली. सगळ्यांक बसयलीं आनी म्हऱ्यांत हुनहुनीत दुदाचे पेले दवरले.

''घेयात भुरग्यांनो. आमचे गोशाळेंतलें हेंच खरें धन.'' भुरगीं दूद पियेलीं.

''हो फोटू पळयला?'' फोटवाकडेच बोट दाखयत कृष्णान विचारलें. ह्या फोटवांत दिसतात ते श्री. नरसिंहाचार्य गौड स्वामी. ही गोशाळा तांचीच. कांय वर्साफाटीं स्वामी तिर्थां भोंवत भोंवत पंजाबसावन गोंयांत आयले. कवळेचे पाठशाळेंतते शिकोवंक लागले, पूण थंय तांचें मन लागना जालें. भुरग्या-बाळांक गरजेंचें अशें दूद दिवपी गोरवांचो तांकां उपाट मोग आसलो. पाठशाळेंच्या कामापरस गोरवांचे सेवेची तांकां चड आवड आसली. हे मोनजातीची सेवा करपाखातीरूच आपलो जल्म जाला अशें तांकां दिसलें. आपणाकडेन आशिल्ली गोरवां घेवन ते हांगा आयले. हांगा गोरवांक चरपाखातीर चरव आसा हें तांणी पारखिलें आनी हांगाच गोशाळा उबारली. सुरवेक आठ-धा गायो आनी पाडकां आशिल्लीं. आपणाल्या भुरग्यांवरी ते

६५

तांका जपताले. तांचेर माया करताले. तांची दुखणी काडटाले. म्हाकाय हे मोनजातीचो भोग आशिल्ल्यान हांव स्वामीवांगडा ह्या गोरवां-पाडकांची राखण करुंक लागलो तो हो वेळमेरेन करीत आसां.''

भुरगीं कृष्णाकाकाल्यो खबरो कान दिवन आयकतालीं. आग्नेलान विचारलें, ''कृष्णाकाका, सद्दां सद्दां हेंच काम करून तुमकां उबगण येना?''

''निखालूस ना. ही मोनजात म्हाका आवडटा. तांची सेवा हांव आवडीन करता. फक्त हांवच न्हय. म्हजी बायल-भुरगीं आनी म्हजे सात आठ वांगडी, मोटे उमेदीन हीं आमां करतात गोरवांक चरोवंक व्हरप, तांकां उदक लावप, खावड घालप, गोठो निवळ करप, दुखणीं कांडप ही कामां ते मात्तय वाजेनासतना करतात. जो आवडीन मोनजातीची सेवा करता ताका तांची ओड लागताच.''

''आतां आमी भायर शाळेकडेन या.''

कृष्णाकाकाल्यो खबरो आयकून भुरग्यांची उमळशीक वाडिल्ली. तीं गोशाळेकडेन आयलीं. गोशाळा निवळ नितळ आशिल्ली. कांय गोरवां विसव घेतालीं. घरांत आयिल्या सोयऱ्यांक मान दिवंचो तशी एक गाय उबी रावली. 'गोमती' अशें म्हणीत कृष्णान तिचे फाटीवयल्यान हात भोंवडायलो.

''हिचे नांव गोमती?'' सिद्धीन विचारलें.

''हय. आमी दर एके गायेक आनी पाडकाक नांव दवरलां.''

''कृष्णाकाका, कितलीं गोरवां आसात हांगा!''

''सुमार शंभर आसात.''

''इतली गोरवां खंयच्यान हाडलीं तुमी?'' गौरीन विचारलें.

''कांय दान दिल्ल्यो गायो आसात. आपणाकडेन पोसपाक तांक ना अशोय गायो हांगा हाडून सोडटात. कांय बेवारशी गायो-पाडकां हांगा आसात तर कांय हांगाच जल्मल्यांत.''

हें आयकून आग्नेलाक आपणाल्या गांवांत हांगा-थंय हेडटल्या गोरवांची याद जाली. तांकांय हेच गोशाळेंत हाडून सोडल्यार कितलें बरें जातलें असो विचार ताच्या मनांत आयलो.



तांका जपताले. तांचेर माया करताले. तांची दुखणी काडटाले. म्हाकाय हे मोनजातीचो भोग आशिल्ल्यान हांव स्वामीवांगडा ह्या गोरवां-पाडकांची राखण करुंक लागलो तो हो वेळमेरेन करीत आसां.''

भुरगीं कृष्णाकाकाल्यो खबरो कान दिवन आयकतालीं. आग्नेलान विचारलें, ''कृष्णाकाका, सद्दां सद्दां हेंच काम करून तुमकां उबगण येना?''

''निखालूस ना. ही मोनजात म्हाका आवडटा. तांची सेवा हांव आवडीन करता. फक्त हांवच न्हय. म्हजी बायल-भुरगीं आनी म्हजे सात आठ वांगडी, मोटे उमेदीन हीं आमां करतात गोरवांक चरोवंक व्हरप, तांकां उदक लावप, खावड घालप, गोठो निवळ करप, दुखणीं कांडप ही कामां ते मात्तय वाजेनासतना करतात. जो आवडीन मोनजातीची सेवा करता ताका तांची ओड लागताच.''

''आतां आमी भायर शाळेकडेन या.''

कृष्णाकाकाल्यो खबरो आयकून भुरग्यांची उमळशीक वाडिल्ली. तीं गोशाळेकडेन आयलीं. गोशाळा निवळ नितळ आशिल्ली. कांय गोरवां विसव घेतालीं. घरांत आयिल्या सोयऱ्यांक मान दिवंचो तशी एक गाय उबी रावली. 'गोमती' अशें म्हणीत कृष्णान तिचे फाटीवयल्यान हात भोंवडायलो.

''हिचे नांव गोमती?'' सिद्धीन विचारलें.

''हय. आमी दर एके गायेक आनी पाडकाक नांव दवरलां.''

''कृष्णाकाका, कितलीं गोरवां आसात हांगा!''

''सुमार शंभर आसात.''

''इतली गोरवां खंयच्यान हाडलीं तुमी?'' गौरीन विचारलें.

''कांय दान दिल्ल्यो गायो आसात. आपणाकडेन पोसपाक तांक ना अशोय गायो हांगा हाडून सोडटात. कांय बेवारशी गायो-पाडकां हांगा आसात तर कांय हांगाच जल्मल्यांत.''

हें आयकून आग्नेलाक आपणाल्या गांवांत हांगा-थंय हेडटल्या गोरवांची याद जाली. तांकांय हेच गोशाळेंत हाडून सोडल्यार कितलें बरें जातलें असो विचार ताच्या मनांत आयलो.

६६

इतल्यांत एक गोरवांचो हीड थंय पावलो. गोरवां आपआपणाल्या दाव्याकडेन वचूंक लागलीं.

'कावेरी', 'गंगा' अशी नांवांघेत घेत कृष्णान भुरग्यांक गोरवांची वळख करून दिली. येदोळ मनुवांगडा खेळटालें ते पाडूकूय ह्या हिंडांत आसलें. 'सिंधू' म्हूण उलो करीत मनू ताचेम्हऱ्यांत गेलो.

''गोशाळा चलोवपाचो खर्च दानी लोकांनी दिल्ल्या पयशांचेर चलता. मोनजातीविशीं मोग आशिल्ले लोक अशो देणग्यो आमकां दितात. तेभायर आमी दूद विकतात. कृष्णाकाकान सांगलें.

''तुमी हीं गोरवां विकतात?'' मनून विचारलें.

''ना.'' कृष्णाकाकान सांगलें.

''कृष्णाकाका, आमकां आवडली आं ही तुमची गोशाळा.'' भुरग्यांनी म्हणलें.

''फकत आमचीच न्हय. तुमची, आमची, सगल्यांची.'' कृष्णाकाकान हांसत म्हणलें.

''आतां या न्हय आमी घरा?'' इनासकाकान विचारलें. भुरग्यांक थंयसावन वचपाक मन येना जालें.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**चरव–** जितें तण, **सान–** ल्हान, **उमळशीक–** ओड, **बेवारशी–** आधार नाशिल्लीं.

**वाक्प्रचार :**

**तोंड वाकडें करप –** निरशेवप
**कान दिवन आयकप –** बारीकसाणेन आयकप.

**टीप :**

**हींड –** गोरवांच्या वा हेर खंयचेय एकेच जातीच्या जनावरांच्या चोंब्याक 'हींड' म्हणटात.



इतल्यांत एक गोरवांचो हीड थंय पावलो. गोरवां आपआपणाल्या दाव्याकडेन वचूंक लागलीं.

'कावेरी', 'गंगा' अशी नांवांघेत घेत कृष्णान भुरग्यांक गोरवांची वळख करून दिली. येदोळ मनुवांगडा खेळटालें ते पाडूकूय ह्या हिंडांत आसलें. 'सिंधू' म्हूण उलो करीत मनू ताचेम्हऱ्यांत गेलो.

''गोशाळा चलोवपाचो खर्च दानी लोकांनी दिल्ल्या पयशांचेर चलता. मोनजातीविशीं मोग आशिल्ले लोक अशो देणग्यो आमकां दितात. तेभायर आमी दूद विकतात. कृष्णाकाकान सांगलें.

''तुमी हीं गोरवां विकतात?'' मनून विचारलें.

''ना.'' कृष्णाकाकान सांगलें.

''कृष्णाकाका, आमकां आवडली आं ही तुमची गोशाळा.'' भुरग्यांनी म्हणलें.

''फकत आमचीच न्हय. तुमची, आमची, सगल्यांची.'' कृष्णाकाकान हांसत म्हणलें.

''आतां या न्हय आमी घरा?'' इनासकाकान विचारलें. भुरग्यांक थंयसावन वचपाक मन येना जालें.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**चरव–** जितें तण, **सान–** ल्हान, **उमळशीक–** ओड, **बेवारशी–** आधार नाशिल्लीं.

**वाक्प्रचार :**

**तोंड वाकडें करप –** निरशेवप
**कान दिवन आयकप –** बारीकसाणेन आयकप.

**टीप :**

**हींड –** गोरवांच्या वा हेर खंयचेय एकेच जातीच्या जनावरांच्या चोंब्याक 'हींड' म्हणटात.

६७

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) गोशाळा खंय आसा?
२) गोशाळेंत कितें आसा?
३) गोशाळेंची जतनाय कोण घेता?
४) गोशाळा कोणे बांदिल्ली?
५) गोशाळेच्या मुखेल दरवट्याकडेन कसली पाटी आसा?
६) मोनजातीची ओड कोणाक लागता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) कृष्णा आनी ताचे वांगडी गोरवांची सेवा कशेतरेन करतात?
२) गोशाळा खंयच्या पयशांचेर चलता?
३) तुमकां ही गोशाळा कित्याक आवडली?

**भाशाकार्य :**

‘तोंड वाकडें करप’ ह्या वाक्प्रचाराचो अर्थ ‘निरशेवप’ असो जाता. वाक्प्रचाराचो उपेग वाक्यांत करचो जाल्यार तो अशें तरेन करूं येता.

**देखीक :** शीलाक चड मार्क पडिल्ले पळोवन नीतान तोंड वांकडें केलें.

**स्वाध्याय :**

अ) हे गोशाळेक भेट दिवन तिचेविशीं आनीक म्हायती समजून घेयात.

आ) कांय उतरांवयलो अनुस्वार, काडटकच त्या उतराचो अर्थ वेगळोच जाता.

**देखीक :** तांक-ताक, देंव- देव, न्हंय- न्हय. अशी उतरां सोदून काडून बरयात आनी तांचो अर्थ मतींत धरात.



**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका उतरांत बरयात.**

१) गोशाळा खंय आसा?
२) गोशाळेंत कितें आसा?
३) गोशाळेंची जतनाय कोण घेता?
४) गोशाळा कोणे बांदिल्ली?
५) गोशाळेच्या मुखेल दरवट्याकडेन कसली पाटी आसा?
६) मोनजातीची ओड कोणाक लागता?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१) कृष्णा आनी ताचे वांगडी गोरवांची सेवा कशेतरेन करतात?
२) गोशाळा खंयच्या पयशांचेर चलता?
३) तुमकां ही गोशाळा कित्याक आवडली?

**भाशाकार्य :**

‘तोंड वाकडें करप’ ह्या वाक्प्रचाराचो अर्थ ‘निरशेवप’ असो जाता. वाक्प्रचाराचो उपेग वाक्यांत करचो जाल्यार तो अशें तरेन करूं येता.

**देखीक :** शीलाक चड मार्क पडिल्ले पळोवन नीतान तोंड वांकडें केलें.

**स्वाध्याय :**

अ) हे गोशाळेक भेट दिवन तिचेविशीं आनीक म्हायती समजून घेयात.

आ) कांय उतरांवयलो अनुस्वार, काडटकच त्या उतराचो अर्थ वेगळोच जाता.

**देखीक :** तांक-ताक, देंव- देव, न्हंय- न्हय. अशी उतरां सोदून काडून बरयात आनी तांचो अर्थ मतींत धरात.

६८

# २४. नाडाक सवायनाड

गीता हें एक चुणचुणीत आनी हुशार चलीं. गांवांतले शाळेत सातवे यत्तेंत तें शिकतालें. सदांच पयल्या नंबरान पास जातालें. अभ्यासांत तशेच खेळांतय ते हुशार आशिल्ले. शिकपाची ताका खूब उमेद. आपणे खूब शिकचें आनी व्हड जावचें अशें ताका दिसताले.

गीताचो बापूय एक गाडेकार. ताचेकडेन एक बैलांचो गाडो आशिल्लो. ह्या गाड्यान तो लोकांचें सामान हाड-व्हर करतालो. नाजाल्यार भंगसांळेतलो जळव गाड्यांत भरून गांवांत भोंवत विकतालो. हो बैलांचो गाडो हेंच ताचे पोट भरपाचें साधन आशिल्लें.

ह्या गांवचे लोक आपणालो म्हाल शेजारच्या गांवांत विकताले. गीताचो बापूय त्या बाजारांत जळव विकपाक वतालो. त्या बाजारांतलो एक पसरकार बरोच हुशार आशिल्लो. बाजारांत म्हाल विकपी लोकांक तो धूर्त उतरांनी नाडटालो. साध्या-भोळ्या विकप्यांक आपले नाड बुद्धीन फटयतालो. तांचेकडल्यान सवाय दरेन म्हाल घेवप आनी म्हारग दरेन विकप हो ताचो धंदो आशिल्लो.

एक दीस गीताचो बापूय जळवाचो गाडो घेवन बाजाराक गेल्लो. गाडेकार भोंवत भोंवत त्या पसरकाराम्हऱ्यांत पावलो.

''लाकडां बरी सुकीं आसात मरे. कसो गाडो दिला?'' पसरकारान विचारलें.

''पन्नास रुपया गाडो.'' गाडेकारान जाप दिली.

''आब्बा! पन्नास रुपया गाडो?'' पसरकारान अजापान विचारलें.

''हय. जाय जाल्यार घे. ना जाल्यार चल्लों फुडें.''

''राव रे मातसो. गाडो पन्नास रुपयाच मरे?''

''आगा, गरिबाचीं फकाणां कित्याक करता? पन्नास रुपया दी आनी व्हर गाडो.''

बाजाराक आयिल्ले लोक ह्या दोगांचेय उलोवप आयकताले. लोकांकडेन पळयत पसरकार व्हडा आवाजांत सांगूंक लागलो.



# २४. नाडाक सवायनाड

गीता हें एक चुणचुणीत आनी हुशार चलीं. गांवांतले शाळेत सातवे यत्तेंत तें शिकतालें. सदांच पयल्या नंबरान पास जातालें. अभ्यासांत तशेच खेळांतय ते हुशार आशिल्ले. शिकपाची ताका खूब उमेद. आपणे खूब शिकचें आनी व्हड जावचें अशें ताका दिसताले.

गीताचो बापूय एक गाडेकार. ताचेकडेन एक बैलांचो गाडो आशिल्लो. ह्या गाड्यान तो लोकांचें सामान हाड-व्हर करतालो. नाजाल्यार भंगसांळेतलो जळव गाड्यांत भरून गांवांत भोंवत विकतालो. हो बैलांचो गाडो हेंच ताचे पोट भरपाचें साधन आशिल्लें.

ह्या गांवचे लोक आपणालो म्हाल शेजारच्या गांवांत विकताले. गीताचो बापूय त्या बाजारांत जळव विकपाक वतालो. त्या बाजारांतलो एक पसरकार बरोच हुशार आशिल्लो. बाजारांत म्हाल विकपी लोकांक तो धूर्त उतरांनी नाडटालो. साध्या-भोळ्या विकप्यांक आपले नाड बुद्धीन फटयतालो. तांचेकडल्यान सवाय दरेन म्हाल घेवप आनी म्हारग दरेन विकप हो ताचो धंदो आशिल्लो.

एक दीस गीताचो बापूय जळवाचो गाडो घेवन बाजाराक गेल्लो. गाडेकार भोंवत भोंवत त्या पसरकाराम्हऱ्यांत पावलो.

''लाकडां बरी सुकीं आसात मरे. कसो गाडो दिला?'' पसरकारान विचारलें.

''पन्नास रुपया गाडो.'' गाडेकारान जाप दिली.

''आब्बा! पन्नास रुपया गाडो?'' पसरकारान अजापान विचारलें.

''हय. जाय जाल्यार घे. ना जाल्यार चल्लों फुडें.''

''राव रे मातसो. गाडो पन्नास रुपयाच मरे?''

''आगा, गरिबाचीं फकाणां कित्याक करता? पन्नास रुपया दी आनी व्हर गाडो.''

बाजाराक आयिल्ले लोक ह्या दोगांचेय उलोवप आयकताले. लोकांकडेन पळयत पसरकार व्हडा आवाजांत सांगूंक लागलो.

६९

''आयकात रे बाबांनो, हो गाडेकार पन्नास रुपयांक गाडो दिता खंय. मागीर नेगार वचत आं.''

पसरकारान पन्नास रुपया मेजून गाडेकाराच्या हातार दवरले. पयशे गांठीक बांदून गाडेकार गाड्यांतल्यान लाकडां सकयल उडोवंक लागलो.

''आरे, कितें करता?'' पसरकारान विचारलें.

''लाकडां एकयल उडयतां. गाडो घेवन म्हाका घरा पावूं नाकां?'' गाडेकारान म्हणलें.

''गाडो घेवन? आतां तूं गाडो कसो व्हरतलो? गाड्याचे पन्नास रुपया तुकां मेळ्ळे मरे? चल घरा. आतां गाडो म्हजो जालो.'' पसरकारान आवाज वाडयत म्हणले.

''आं! कसो गा सायबा? हांवें तुका गाडो विकला? विकला तो जळव.'' गाडेकारान फोड्णिशी केली.

''कसो काय म्हूण विचारता? तुवेंच सांगूक ना, गाड्याचे पन्ना रूपया म्हूण? ह्या लोकांनी आयकूंक ना? विचार तांकां. हय काय ना रे बाबांनो?'' पसरकारान लोकांकडे पळयत म्हणलें.

लोक किते सांगतले? गाडेकार फटवलो म्हणपाचें लोकांनी वळखलें.

पसरकाराच्या उतरांनी गाडेकार सामको काचाबूल जातो. आपणालें कितेतरी चुकलां अशें ताका दिसलें. ताणे पसरकाराक समजावपाचो यत्न केलो पूण पसरकार आयकना जालो. गाडेकाराक समजलें, ह्या पसरकारामुखार आपणालें कांयच शाणेपण चलपाचें ना. ताणे बाबड्यान जड मनान गाडो पसरकाराचे सुवादीन केलो, आनी कपलार हात मारलो.

बापूय घरा येतमेरेन वगी आसा हें पळोवन गीतान विचारलें.

''बाबा, कितें जालां रे? तूं वगी कित्याक?''

धुवेचीं उतरां कानार पडनाफुडें गाडेकार रडकुळो जालो. दुकां पुसत ताणे घडिल्ली गजाल गीताक सांगली. गजाल आयकून खूब वायट दिसलें. बापायक कसो धीर दिवचो हे ताका कळना जालें.



''आयकात रे बाबांनो, हो गाडेकार पन्नास रुपयांक गाडो दिता खंय. मागीर नेगार वचत आं.''

पसरकारान पन्नास रुपया मेजून गाडेकाराच्या हातार दवरले. पयशे गांठीक बांदून गाडेकार गाड्यांतल्यान लाकडां सकयल उडोवंक लागलो.

''आरे, कितें करता?'' पसरकारान विचारलें.

''लाकडां एकयल उडयतां. गाडो घेवन म्हाका घरा पावूं नाकां?'' गाडेकारान म्हणलें.

''गाडो घेवन? आतां तूं गाडो कसो व्हरतलो? गाड्याचे पन्नास रुपया तुकां मेळ्ळे मरे? चल घरा. आतां गाडो म्हजो जालो.'' पसरकारान आवाज वाडयत म्हणले.

''आं! कसो गा सायबा? हांवें तुका गाडो विकला? विकला तो जळव.'' गाडेकारान फोड्णिशी केली.

''कसो काय म्हूण विचारता? तुवेंच सांगूक ना, गाड्याचे पन्ना रूपया म्हूण? ह्या लोकांनी आयकूंक ना? विचार तांकां. हय काय ना रे बाबांनो?'' पसरकारान लोकांकडे पळयत म्हणलें.

लोक किते सांगतले? गाडेकार फटवलो म्हणपाचें लोकांनी वळखलें.

पसरकाराच्या उतरांनी गाडेकार सामको काचाबूल जातो. आपणालें कितेतरी चुकलां अशें ताका दिसलें. ताणे पसरकाराक समजावपाचो यत्न केलो पूण पसरकार आयकना जालो. गाडेकाराक समजलें, ह्या पसरकारामुखार आपणालें कांयच शाणेपण चलपाचें ना. ताणे बाबड्यान जड मनान गाडो पसरकाराचे सुवादीन केलो, आनी कपलार हात मारलो.

बापूय घरा येतमेरेन वगी आसा हें पळोवन गीतान विचारलें.

''बाबा, कितें जालां रे? तूं वगी कित्याक?''

धुवेचीं उतरां कानार पडनाफुडें गाडेकार रडकुळो जालो. दुकां पुसत ताणे घडिल्ली गजाल गीताक सांगली. गजाल आयकून खूब वायट दिसलें. बापायक कसो धीर दिवचो हे ताका कळना जालें.

७०

''जालें ते जालें.'' अशें म्हणून  गीताचे आवयन दोगाकूच समजायले.

त्या दिसाच्यान गीता हेच गजालीचेर येवजीत आशिल्लें. ताणे हाचेर एक मांडणी काडली आनी आवयक हे मांडणेत आसपावन घेतली.

एक दीस एक लांकडांचो भरो घेवन गीता आनी ताची आवय दोगांय बाजारांत गेली. बापायन सांगिल्ल्या त्या पसऱ्यामुखार ती पावली.

तो पसरकार सदचेभशेन कोणाकूय तरी नाडपाक नदर दवरून आशिल्लोच. तांकां पळयतांच फुडें येवन पसरकारान विचारलें,

''कसो भरो दिला गे?''

तो पसरकार होच आसतलो हाची गीताक खातरी जाली. ''भऱ्या बदलाक तांदूळ दिवचे  पडटले.'' गीताचे आवयन सांगले.

''कितलें गे ते तांदूळ?''

''फक्त एक पसो,'' गीताचे आवयन म्हणलें.

''आरे वा! एकूच पसो!'' पसरकाराक अजाप जालें आनी तो उमेदीन फुल्लो.

''हय सायबा, एकच पसो पुरो.''

''उडय सकयल भरो आनी व्हर तुजे एक पसो तांदूळ.'' पसरकारान म्हणलें.

तेन्नाच गीतान कुशीक आशिल्ल्या लोकांक आयकूंक येत अशे मोट्यान म्हणलें,

''राव आवय. हो  पसरकार तुका फटयत बी. पयली सारकें थाराय. लोकांकूय कळूं दी.''

''आगो, तूं आनी कितें सांगता लोकांक? पसोभर तांदूळ मगो? कांयच न्हय. दितां हांव एक पसो. तसो नेगार वचपी न्हय हांव.'' पसरकारान म्हणलें.

''सामको उपाट भरिल्लो पसो आं!'' अशें म्हणून गीताचे आवयन भरो सकयल दवरलो आनी चुंबळीचो तुवालो पसरकाराच्यामुखार पातळायलो.

''पळयात रे बाबांनो. तुमच्या हुजरां दितात एक पसो तांदूळ.'' पसरकारान लोकांकडे पळयत म्हणलें आनी तुवाल्याचेर पसो भरून तांदूळ रकयले.

''चल व्हर, जालें मगो?'' पसरकारान विचारले.

''कशें जालें तर? तुरें तर तांदूळ दिल्यात पसो खंय दिला? एक पसो दिवंचो थरिल्लें



''जालें ते जालें.'' अशें म्हणून  गीताचे आवयन दोगाकूच समजायले.

त्या दिसाच्यान गीता हेच गजालीचेर येवजीत आशिल्लें. ताणे हाचेर एक मांडणी काडली आनी आवयक हे मांडणेत आसपावन घेतली.

एक दीस एक लांकडांचो भरो घेवन गीता आनी ताची आवय दोगांय बाजारांत गेली. बापायन सांगिल्ल्या त्या पसऱ्यामुखार ती पावली.

तो पसरकार सदचेभशेन कोणाकूय तरी नाडपाक नदर दवरून आशिल्लोच. तांकां पळयतांच फुडें येवन पसरकारान विचारलें,

''कसो भरो दिला गे?''

तो पसरकार होच आसतलो हाची गीताक खातरी जाली. ''भऱ्या बदलाक तांदूळ दिवचे  पडटले.'' गीताचे आवयन सांगले.

''कितलें गे ते तांदूळ?''

''फक्त एक पसो,'' गीताचे आवयन म्हणलें.

''आरे वा! एकूच पसो!'' पसरकाराक अजाप जालें आनी तो उमेदीन फुल्लो.

''हय सायबा, एकच पसो पुरो.''

''उडय सकयल भरो आनी व्हर तुजे एक पसो तांदूळ.'' पसरकारान म्हणलें.

तेन्नाच गीतान कुशीक आशिल्ल्या लोकांक आयकूंक येत अशे मोट्यान म्हणलें,

''राव आवय. हो  पसरकार तुका फटयत बी. पयली सारकें थाराय. लोकांकूय कळूं दी.''

''आगो, तूं आनी कितें सांगता लोकांक? पसोभर तांदूळ मगो? कांयच न्हय. दितां हांव एक पसो. तसो नेगार वचपी न्हय हांव.'' पसरकारान म्हणलें.

''सामको उपाट भरिल्लो पसो आं!'' अशें म्हणून गीताचे आवयन भरो सकयल दवरलो आनी चुंबळीचो तुवालो पसरकाराच्यामुखार पातळायलो.

''पळयात रे बाबांनो. तुमच्या हुजरां दितात एक पसो तांदूळ.'' पसरकारान लोकांकडे पळयत म्हणलें आनी तुवाल्याचेर पसो भरून तांदूळ रकयले.

''चल व्हर, जालें मगो?'' पसरकारान विचारले.

''कशें जालें तर? तुरें तर तांदूळ दिल्यात पसो खंय दिला? एक पसो दिवंचो थरिल्लें

७१

न्हय?'' गीतान विचारलें.

''कि ऽ तें? पसो? तो आनी कसो दिवपाचो तर?'' पसरकारान अजापान विचारलें.

'तें आमी नकळ. आमकां तांदळावांगडा पसो जायच. तेबगर आमी हालची नात.'' गीतान निश्चयान म्हणलें,

''हे चलयेक पिशें लागलां काय कितें? पसोभर तांदूळ दितना कोण पसोय दिता? पसोदिवप म्हणल्यार हात कातरून पसो दिवप. तें कशेन जातलें तर?'' पसरकारान लोकांक पळयत म्हणलें.

''कित्याक जावचें ना? जर पन्नास रुपयांक लाकडांवांगडा बैलांचो गाडो दिवंचो पडटा तर तांदळावांगडा पसो दिवंचो पडलो ना?'' अशें म्हणून गीतान घडिल्ली सगळी गजाल जमिल्ल्या लोकांक सांगली.

गजाल आयकून लोकूय खोशी जाले. पसरकार ताळ्यार आयलो. आपणाली नाडबूद आपणाचेरूच परतली हें ताणें वळखलें. ताणें कळाव लायनासतना आपली चूक मानून घेतली आनी गाडो परत दिलो.

गीता आनी ताची आवय दोगांय गाडो घेवन उमेदीन घरा आयलीं. धुवेची हुशारकाय आयकून बापूय खुशालभरीत जालो.

---

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**चुणचुणीत–** हुशार, भंगसाळ– वखार, साधन– माध्यम, नाडबूद– पाडीबूद

**वाक्प्रचार :**

**कपलार हात मारप –** नशिबाक दोश दिवप

**फोडणिशी करप –** विस्कटावन सांगप

**ताळ्यार येवप** – जाग्यार येवप, चूक कळप

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) गीताची इत्सा कितें आशिल्ली?

२) पसरकार लोकांक कसो नाडटालो?



न्हय?'' गीतान विचारलें.

''कि ऽ तें? पसो? तो आनी कसो दिवपाचो तर?'' पसरकारान अजापान विचारलें.

'तें आमी नकळ. आमकां तांदळावांगडा पसो जायच. तेबगर आमी हालची नात.'' गीतान निश्चयान म्हणलें,

''हे चलयेक पिशें लागलां काय कितें? पसोभर तांदूळ दितना कोण पसोय दिता? पसोदिवप म्हणल्यार हात कातरून पसो दिवप. तें कशेन जातलें तर?'' पसरकारान लोकांक पळयत म्हणलें.

''कित्याक जावचें ना? जर पन्नास रुपयांक लाकडांवांगडा बैलांचो गाडो दिवंचो पडटा तर तांदळावांगडा पसो दिवंचो पडलो ना?'' अशें म्हणून गीतान घडिल्ली सगळी गजाल जमिल्ल्या लोकांक सांगली.

गजाल आयकून लोकूय खोशी जाले. पसरकार ताळ्यार आयलो. आपणाली नाडबूद आपणाचेरूच परतली हें ताणें वळखलें. ताणें कळाव लायनासतना आपली चूक मानून घेतली आनी गाडो परत दिलो.

गीता आनी ताची आवय दोगांय गाडो घेवन उमेदीन घरा आयलीं. धुवेची हुशारकाय आयकून बापूय खुशालभरीत जालो.

**नवीं उतरां आनी अर्थ :**

**चुणचुणीत–** हुशार, भंगसाळ– वखार, साधन– माध्यम, नाडबूद– पाडीबूद

**वाक्प्रचार :**

**कपलार हात मारप –** नशिबाक दोश दिवप

**फोडणिशी करप –** विस्कटावन सांगप

**ताळ्यार येवप** – जाग्यार येवप, चूक कळप

**प्रस्न :**

**अ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप एका वाक्यांत बरयात.**

१) गीताची इत्सा कितें आशिल्ली?

२) पसरकार लोकांक कसो नाडटालो?

७२

३)	भऱ्या बदलाक गीताचे आवयन कितें मागलें?

४)	गीताचो बापूय कित्याखातीर खुशालभरीत जालो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)	गीताचो बापूय कसलें काम करतालो?

२)	गाडेकाराक पसरकारान कसो नाडलो?

३)	गीताक पसरकारान गाडो परत कित्याक दिलो?

**भाशाकार्य :**

दूख, अजाप, खोस अशे जायते उमाळे उलोवन दाखोवपाखातीर आमच्या तोंडांतल्यान कांय उतरां भायर सरतात. देखीक : आवयस! म्हजो पांय दुखलो. अशे तरेचीं कांय उमाळी अव्ययां सकयल दिल्यांत ती वापरून वाक्यां घडयात.

आरेरे! आब्बा! शाबास! वा! शी! आंवय-आंवय!

**स्वाध्याय :**

ही काणी तुमच्या उतरांनी बरयात.

❑❑❑



३)	भऱ्या बदलाक गीताचे आवयन कितें मागलें?

४)	गीताचो बापूय कित्याखातीर खुशालभरीत जालो?

**आ) सकयल दिल्ल्या दरेका प्रस्नाची जाप ३/४ वळींनी बरयात.**

१)	गीताचो बापूय कसलें काम करतालो?

२)	गाडेकाराक पसरकारान कसो नाडलो?

३)	गीताक पसरकारान गाडो परत कित्याक दिलो?

**भाशाकार्य :**

दूख, अजाप, खोस अशे जायते उमाळे उलोवन दाखोवपाखातीर आमच्या तोंडांतल्यान कांय उतरां भायर सरतात. देखीक : आवयस! म्हजो पांय दुखलो. अशे तरेचीं कांय उमाळी अव्ययां सकयल दिल्यांत ती वापरून वाक्यां घडयात.

आरेरे! आब्बा! शाबास! वा! शी! आंवय-आंवय!

**स्वाध्याय :**

ही काणी तुमच्या उतरांनी बरयात.

❑❑❑

७३

# २५. फुलांचो कवी

हांव फुलांचो फुलांचो
फुलांचो कवी रे
ना दुस्वास मनी सुवास
म्हजो फुलांचो सभाव रे

फुलां दितां म्हज्या धनयाक
दितां फुलां तुमका सगळ्यांक
खोस दिवंक सगळ्या जिवांक
सुखावता म्हजो जीव रे

घेयात तुमी हार-तुरे
भौमानाक भौच बरे
दियात मान घेयात मान
व्हरात तुमी फुलां रे

सोब बरी फुलांक म्हज्या
सुट्टा परमळ धाय दिकांक
घेवन आयलां फुलां तुमकां
हांव फुलकार कवी रे

**–रामकृष्ण जुंवारकार**



# २५. फुलांचो कवी

हांव फुलांचो फुलांचो
फुलांचो कवी रे
ना दुस्वास मनी सुवास
म्हजो फुलांचो सभाव रे

फुलां दितां म्हज्या धनयाक
दितां फुलां तुमका सगळ्यांक
खोस दिवंक सगळ्या जिवांक
सुखावता म्हजो जीव रे

घेयात तुमी हार-तुरे
भौमानाक भौच बरे
दियात मान घेयात मान
व्हरात तुमी फुलां रे

सोब बरी फुलांक म्हज्या
सुट्टा परमळ धाय दिकांक
घेवन आयलां फुलां तुमकां
हांव फुलकार कवी रे

**–रामकृष्ण जुंवारकार**

७४